कोंकणी विभाग, गोंय विद्यापीठ

एम. ए. पदवे खातीर

सादर केल्लो प्रबंध

# अ.ना. म्हांबरो हांची कथा: एक चिकीत्सक अभ्यास

सोदवावर करपी

**कु. प्रणिता प्रताप रेडकर**

मार्गदर्शक

**प्रा. गोरक शिरसाट**

सहाय्यक प्राध्यापक, कोंकणी विभाग

गोंय विद्यापीठ, ताळगांव गोंय

कोंकणी विभाग,

गोंय विद्यापीठ

ताळगांव-गोंय- ४०३ २०६

२०२१-२२

# जाहीरनामो

'अ.ना. म्हांबरो हांची कथा: एक चिकीत्सक अभ्यास' हो प्रबंध कोंकणी विभाग, भाशा आनी संकाय, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय-403 206 हांगा तयार केला. दुसऱ्या खंयच्याच विद्यापीठाक वा संस्थेक हो प्रबंध कसलेच पदवे खातीर वा पदविके खातीर पुराय रुपान वा एखाद्या वांट्यांत सादर करूंक ना, अशें हांव प्रमाणीत करतां.

**थळ**: गोंय विद्यापीठ. **कु. प्रणिता प्रताप रेडकर**

**ता.** **बसका क्रमांक:** 20P0180038

**प्रा. गोरक शिरसाट**

मार्गदर्शक

कोंकणी विभाग,

गोंय विद्यापीठ.

**डॉ. हनुमंत चोपडेकार**

विभाग मुखेली

कोंकणी विभाग,

गोंय विद्यापीठ.

## उपकाराचीं उतरां

'अ.ना. म्हांबरो हांची कथा: एक चिकीत्सक अभ्यास' हो म्हजो अभ्यास प्रकल्प पूर्ण जाता. ह्या प्रकल्पाक मुर्त रूप दिवंक म्हाकां जांचें पावला उतराक मार्गदर्शन, सहकार्य मेळ्ळां, तांचें सगळ्यांचें म्हज्या ह्या यशाच्या खिणार हांव उपचारीक रितीन उपकार आठयतां.

शिक्षणीक मळावयल्या अभ्यासक्रमांत अश्या तरेचो सोदवावर करपाक संद दिल्ल्या खातीर हांव गोंय विद्यापीठ आनी खास करून कोंकणी विभागाचे उपकार मानतां. संशोधन करपाक सतत उर्बा दिवपी कोंकणी विभाग मुखेली डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांचेंय हांव उपकारी आसां.

एकादो ध्यास मेळोवपाक गरज भासता ती एका मार्गदर्शकाची. म्हजो प्रकल्प पुराय कराताना सुरवाते सावन म्हजे गुरूवर्य प्रा. गोरक शिरसाट हांणी म्हज्या प्रकल्पा खातीर म्हाकां योग्य मार्गदर्शन केल्लें. दर पावलार शिटकावणे सयत तांचीं उर्बादिणी उतरां म्हाज्या वांट्याक आयलीं. ह्या खातीर हांव तांचें सदांच उपकारी आसतलें.

ह्या प्रकल्पा खातीर गरजेचें आशिल्ले संदर्भग्रंथ, अभ्यासकोश आनी हेर पुस्तकां पुजावंक गोंय विद्यापीठाचे ग्रंथपाल आनी तांच्या वांगड्यांनी म्हाकां जायतो आदार केलो. कांय पोरण्या दिसाळ्यांच्या, म्हयनाळ्यांच्या सोदांत म्हाकां फा.थॉमस स्टीफन्स केंद्र आनी गोवा कोंकणी अकादेमीक भेट दिवपाचे योग आयलो. ह्या प्रकल्पा खातीर म्हाकां तांचोय आदार लाभलो. तांचेंय हांव मना-काळजा सावन उपकारी.

म्हाजो हो प्रकल्प पुराय जावपाक म्हाजो बापूय प्रताप रेडकर आनी आवय प्रतिक्षा रेडकर हांची म्हत्वाची भुमिका आसा. म्हाकां दर खेपे बळगें दिवपी म्हजे इश्ट, बऱ्या मागप्यांची याद ह्या उपकराच्या पानांनी सुगूर दवरतां.

शेवटाक, म्हजो प्रकल्प पुराय करपाक प्रत्यक्षपणान तशेंच अप्रत्यक्षपणान जांणी जांणी भुमिका निबयल्या तांचें हांव ह्या खिणार मना-काळजा सावन देव बरें करूं म्हणटां आनी म्हाज्या उपकाराच्या उतरांक पूर्णविराम लायतां.

**कु. प्रणिता प्रताप रेडकर**

# प्रस्तावना

'साहित्य म्हळ्यार समाजाचो हारसो' अशें जाणकार म्हण्टात. हाचो अर्थ साहित्यकार आपल्या साहित्यकृतींत समाजाचें प्रतिबिम्ब आकाराक हाडटा. साहित्यकार आपली साहित्यकृती वेगळ्या वेगळ्या पद्दतीन वाचकांक भेटयता. ह्यो पद्दती गद्य आनी पद्य अश्या दोन भागांनी वाटून घालूं येतात. पद्य साहित्यांत कवनां, कविता, गीत, म्हाकाव्य सारके प्रकार मेळटात जाल्यार. गद्य साहित्यांत कथा, निबंद, कादंबरी सारकिल्ले प्रकार आसपावता. कथा हो सगळ्यांत मोटवो आनी लोकप्रीय असो साहित्य प्रकार.

आदीं साहित्य मौखीक स्वरूपांत घोळटालें. आनी हे प्रक्रियेंत काव्यात्मक गद्य साहित्य सुरवातेच्या काळांत बरेंच गाजलें. उपरांत ताचें काव्यात्मक रूप गळून फकत गद्य साहित्य मौखीक स्वरूपांत घोळपाक लागलें. कथेचें कथन-श्रवण तशेंच लेखन-वाचन जाता. एकादे घडणुकेचें कथन करप, म्हळ्यार ती गजाल सांगप हाच्या वयल्यान कथा हें नांव ह्या साहित्य प्रकाराक पडला आसूं येता. देखून कथा हो एक प्राचीन साहित्य प्रकार अशें म्हळ्यार चुकिचें जावपा ना. कथा ह्या साहित्य प्रकाराची व्याख्या दिताना जाणकार म्हण्टात, खासा एकमुळो परिणाम सादपा खातीर ल्हानशें कथानक, मर्यादीत पात्रां आनी वेंचीक घडणुको हांचे एकजीव निर्मणेचो गध्य साहित्यप्रकार.

सुरवातेच्या काळार गोंयच्या कृशणदास शामा ह्या लेखकान महाभारत - रामायणांतल्यो कथा काणयो गद्य कोंकणीत बरयल्ल्यो, अशें जाणकार म्हण्टात. पूण पुर्तूगेजांच्या काळांत ही परंपरा खंडीत जाली. उपरांतच्या काळांत ताका शणै गोंयबाबान पुनर्जीवन दिलें. कोंकणींत जें ना, तें निर्माण करपाच्या हावेसान शणै

गोंयबाबान आपणाली लिखणी आनी जीण झरयली. सुमार सत्तर वर्सां फाटीं तांणी बरयिल्ली *म्हजी बा खंय गेली* ही कथा आधुनीक कोंकणी कथेचें मुळावण घालता.

कोंकणीचें मूळ पीठ जें गोंय त्या गोंयात अभिव्यक्तीचेर बंदना आसली. हीं बंदना तोडून पयस दिगंतरा वचून लेखन कार्याक ओंपून घेतिल्ले बाकिबाब बोरकार, लक्ष्मणराव सरदेसाय, रविन्द्रबाब केळेकार, हांणी कोंकणी सरस्पत केळोवपाचो मोलादीक वावर चलयलो. १९३५ वर्सा 'वोंवळां' आनी १९४६ वर्सा 'भूंयचाफीं' हे कथा झेले उजवाडाक आयले. ह्या भायर 'प्रजेचो आवाज', 'मीर्ग', 'साद', 'साळीक' सारकीं नेमाळीं भायर सरलीं. नवे-नवे बरपी आपले नवोदीत शैलीन बरोवंक लागले.

१९६२ वर्सा आकाशवाणीचेर कोंकणी विभाग सुरू जालो. मुंबय- पुण्यांत शिकपी कोंकणी विद्यार्थ्यांनी कोंकणी वाङमय मंडळां स्थापन केलीं. वण्टीपत्रकां सुरू जालीं. 'विद्या' हें वर्सुकी नेमाळें सुरू जालें. ह्या काळांत शंबरां वयर दर्जेदार कथा बरोवन जाल्यो. पूण दुर्दैवान एकाय लेखकान सातत्य सांबाळ्ळें ना. त्या मानान सातत्यान बरयलें ते म्हळ्यार गुरूनाथ केळेकार, मुकूंद केळेकार, फेलिसिओ कार्दोझ, एवाग्रिओ जॉर्ज, आनी हेर. गोंय मुक्ती पयलीं सुरवात करून सातत्यान कथा बरोवपी दोनूच नांवां मेळटालीं. तीं म्हळ्यार चंद्रकांत केणी आनी अ. ना. म्हांबरो.

अ.ना.म्हांबरो ह्या लेखकान कोंकणी साहित्याच्या मळार हातांतल्या पोश्यांत भरपा इतल्यो कथा दिल्यो मात तांचो दर्जो वेगळोच. तांची धाटणी वेगळीच. म्हाज्या ह्या प्रकल्पा खातीर हांवें अ.ना.म्हांबरो हो लेखक निवडपाचें कारण म्हळ्यार तांच्यो आगळ्यो वेगळ्या कथा. ताच्यो कथा कथेच्या बंदना पासून मुक्त आसात. ताच्या कथैंतल्या ह्या वगळेपणाक लागून कोंकणी

साहित्याच्या मळार अ.ना. म्हांबऱ्याच्यो ह्यो कथा 'अना कथा' ह्या नांवान अजरंवर जाल्यो.

अ.ना. म्हंबऱ्याचे साहित्य दिसाळ्यांनी, म्हयन्याळ्यांनी, अंकांनी तशेंच आकाशवाणीचेर ताच्या कितल्याश्याच साहित्याचे वितरण जालां. अ.ना.चो *'पणजी आतां म्हातारी जाल्या..'* हो एकूच स्वतंत्र स्वरूपाचो कथा संग्रह आसा. त्या भायर ताच्यो कांय कथा *'अ कथा आनी हेर साहित्य'* ह्या पुस्तकांत आसपावतात. *'पणजी आतां म्हातारी जाल्या...'* ह्या कथा संग्रहांतल्यान *'विठ्ठली चावी सांडली'*, *'पणजे आतां म्हातारी जाल्या...'*, *'एक मिनैर, 220 वावुरपी आनी तांचें युनियन'*, *'एका सामान्य मनशाची असामान्य काणी'*, *'पुर्तुगाली प्रोफसोर देसायाली कथा'*, *'एक झगडें दोगांचें'*, *'बाबपोरोब सर्गाची पासापोर्त काडटा'*, *'तुकल्याची तकली तुकल्याक ना'*, *'गवेत उकते जायना'*, *'भावोजी मेलो'*, *'दोगजाणानी एक वेपार केलो ताची काणी'*, *'एक सरकारी ऑफीस'*, *'एक आसलो काबुली'*, *'हांव दिल्लीक कित्यांक वेतां तें सांगता'* आनी *'एक बरपी मरता'* ह्यो कथा हांवें निवडल्यात. जाल्यार *'अनाल्यो अ-कथा आनी हेर साहित्य'* ह्या संग्रहांतल्यो *'देवचाराच्या राज्यांतले कायदे'*, *'एका मंत्र्याची मुलाखत'*, *'बाबुल्याचो प्रश्न'*, *'बँक'*, *'सुणो'* आनी *'व्हायस चॅन्सराची व्यथा'* ह्यो धरून एकूण 20 कथेंच्या आदारान हांव हो अभ्यास करता.

अ. ना. हो एका वेगळ्या धाटणेचो लेखक. ताका समाजकारणा वांगडाच राजकरणाचीय जाण आसा. एक साहित्यीक जेन्ना आपल्या समाजाकडेन एकरूप जाता तेन्ना समाजाक मार्गदर्शन करपाचो वावर तो स्वता आपल्या भुजार घेता. कांय साहित्यकार खूब सूचक पद्दतीन समाज प्रबोधनाचो हो वावर करतात.

अ.ना.च्या साहित्यांत ही थोडी भोव सुचकताय आसाच मात तांची मिश्कील शैली तांच्या साहित्याक एक वेगळें स्वरूप दिता.

अरविंद नारायण म्हांबरो हाणें कथा बरोवपाचें एक नवें तंत्र-मंत्र कोंकणी साहित्याच्या मळार दिलें. एक प्रयोगशील कथाकार म्हूण अ.ना. सदांच कोंकणी कथेच्या मळार याद उतरलो. आपल्या कथेंतल्यान अ.ना. गोंयच्या समाजाचें एक लिपिल्लें आंग चित्रावपाचो यत्न करता. अ.ना. म्हांबऱ्याच्या कथांचो दर्जो समजून त्यो अभ्यासपाचो म्हाजो प्रयत्न आसतलो.

# मांडावळ


**उपकाराचीं उतरां**

**प्रस्तावना**

**1. अ.ना. म्हांबरो- व्यक्तीमत्व आनी कार्य..........................................1**

1.1 अ.ना. म्हांबरो हांची जीणे वळख

1.2 अ.ना. म्हांबरो हांची साहित्यीक जीण

1.3 अ.ना. म्हांबऱ्याक फावो जाल्ले पुरस्कार आनी भोवमान

1.4 अ.ना. म्हांबऱ्याच्या साहित्याचेर हेर साहित्यीकाचीं मतां

**2. 'अना कथा' आनी कथेचे साहित्यीक घटक......................................13**

2.1 अ.ना.चे कथेचीं कथानकां

2.2 अ.ना.चे कथेंतलीं पात्रां

2.3 अ.ना.चे कथेंतले संवाद

2.4 अ.ना.चे कथेंतलें वातावरण

2.5 अ.ना.चे कथांची भाशा शैली

2.6 अ.ना.चे कथेंतलो संघर्श

**3. अ.ना.चे कथेंली समाज वेवस्था..................................................38**

3.1 कथेंतलें गोंय आनी गोंयकार

3.2 समाजीक प्रश्न

3.3 राजकीय प्रश्न

3.4 बायल आनी दादलो प्रतिमा

**4. अ.ना.च्या कथांचें खाशेलपण आनी वेगळेपण................................54**

4.1 कथेंत भरशिल्लें हेर साहित्य प्रकार

**4.2** अ.ना.च्या कथेंतली मिश्कीलपणां

**4.3** अना कथा

**4.4** साहित्यीक मोलावणी

**निश्कर्श**

**आदारावळ**

# प्रकरण पयलें:

## अ. ना. म्हांबरो: व्यक्तीमत्व आनी कार्य

1.1 अ.ना. म्हांबरो हांची जीणे वळख

1.2 अ.ना. म्हांबरो हांची साहित्यीक जीण

1.3 अ.ना. म्हांबऱ्याक फावो जाल्ले पुरस्कार आनी भोवमान

1.4 अ.ना. म्हांबऱ्याच्या साहित्याचेर हेर साहित्यीकांचीं मतां

## 1.1 अ.ना. म्हांबरो हांची जीणे वळख

नामनेचो कोंकणी लेखक अ.ना. म्हांबरो हांचें पुराय नांव अरविंद नारायण म्हांबरो. तांचो जल्म, 4 ऑक्टोबर 1937 ह्या दिसा, तिसवाडी म्हालांतल्या रायबंदर ह्या गांवांत जालो.  तांचें मुळावें शिकपूय रायबंदराच जालें. वास्को आनी पणजे माध्यमीक शिक्षण जातकच बेळगांव आनी मुंबय हांगा ताणें महाविद्यालयीन शिक्षण घेतलें. 1964 वर्सा तत्वज्ञान हो विशय घेवन ताणें मुंबय विद्यापिठाची एम. ए. पद्वी घेतली. उपरांत नवी दिल्लीचे नॅश्नल आर्कीव्हज ऑफ इंडिया हे संस्थेंत आनी लंडनच्या विद्यापीठांत पुरातत्व विद्येचें (Archeology) शिक्षण घेतलें.

1963-1965 ह्या काळांत ताणें मुंबयच्या आकाशवाणी केंद्राचेर स्टाफ आर्टिस्ट म्हूण काम केलें. उपरांत 1965-1967 च्या मजगती ताणें किर्ती कॉलेज, मुंबय हांगा अध्यापक म्हूण काम केलें. 1967-70 ह्या काळांत पत्रकारितेचो वेवसाय करतकच टाटा इकोनोमिस्ट, इकोमिस्ट कन्सल्टंट ह्या पदांचेर 1970-87 मेरेन काम केलें. 1988-90ह्या काळांत ताणें जे. आर.डी. टाटा हांच्या चरित्राखातीर संशोधन केलें. 1990 वर्सा सावन कांय तेप ते टाटा सेंट्रल आरकायव्स हातूंत प्रिन्सिपल आरकायवल ऑफीसर म्हूण काम पळयताले. गोवा कोंकणी अकादमी तशेंच साहित्य आकादमींत कांय काळ मंडळाचो वांगडी म्हूण काम केलां. मुंबयच्यान 'कोंकणी' नांवाचें एक पंद्रशी नेमाळें चलतालें. ताचो संपादक तेद्या वेळार अ.ना. म्हांबरो आसलो.

अ.ना. म्हांबऱ्याचो चडसो वेळ मुंबय सारक्या शारांत गेलो. मात ताच्या काळजांतलें गोंय ताणें सदांच सांबाळून दवरलें. ताच्या सुवरातेच्या बरपांनी मुक्ती पयलींच्या गोंयचें घसघशीत वर्णन जालां. आपल्या निमण्या दिसांनी भलायकी

बरी नाशिल्ल्यान तांचें लिखाण जायना जालें. 9 एप्रील 2013 ह्या दिसा तांणें मुबंयतूच निमाणो स्वास घेतलो. तेन्ना तांची पिराय 75 वर्सां आसली. मुंबयच्या सुश्रुषा हॉस्पिटलांत तांकां सकाळीं मरण आयलें. भलायकी बरी नाशिल्ल्यान कांय तेंप तांचेर उपचार चलताले.

कोंकणी साहित्याच्या मळार अ.ना. म्हांबऱ्यान एका वेगळ्या धाटणेच्या साहित्याची निर्मणी केल्या. आपल्या साहित्यांत वेगवेगळ्या तंत्रांचो प्रयोग करून वाचकांक कितें तरीं नवें दिवपाचो यत्न ताणें सात्यत्यान केलो.

## 1.2 अ.ना. म्हांबरो हांची साहित्यीक जीण

बरोवपाची कला अ. ना. म्हांबऱ्याक तांच्या घराण्या कडल्यान दायजान मेळ्ळया, अशें लेखक *'म्हजी साहित्ययात्रा'* ह्या लेखांत सांगता. तांच्यानी बाल साहित्य, ललित लेख, कथा, नाटक ह्या तरेचे वेगवेगळे साहित्य प्रकार कोंकणी भाशेच्या मळार केळयल्यात. तांचो जल्म गांव रायबंदर. ह्याच गांवचेर आदारीत 1959 वर्सांत ताणें एक लेख बरयलो आनी ताका माथाळो दिलो, *'सुंदर म्हाजें रायबंदर'*. हो लेख मुंबय, आंतर म्हाविद्यालयीन वर्सुकी 'विद्या' हातूंत उजवाडाक आयलो. तेद्या वेळार हरदत्त खांडेपारकार ताचो संपादक आसलो. कांय काळा उपरांत पणजे शाराचेर आदारीत *'पणजी आता म्हातारी जाल्या'* ही कथा बरयली.

कोंकणी, मराठी आनी इंग्लीश भाशांनी ताणें साहित्य निर्मिती केल्या. तशेंच नेमाळीं आनी आकाशवाणीच्या माध्यमांनीय ताचें बरोवप जालां. तांणी मुंबयच्या आकाशवाणी केंद्राचेर स्टाफ आर्टिस्ट म्हूण काम केलां. थंय तांणी आकाशवाणी खातीर नाटकुलीं आनी हेर साहित्याचें योगदान दिलां. तशेंच तांणी कोंकणी वृत्त निवेदनूय केलां. उपरांत कीर्ती कॉलेज, मुंबय हांगा अध्यापक म्हूण काम केलां.

पिरायेच्या तेरा-चवदा वर्सांचेर ताणें बरोवपाक सुरवात केली. तांच्या गांवांत उत्सवा निमतान जायतीं संगीत, ऐतिहासीक नाटकां जातालीं. तांचेर आदारीत *'रात थोडी संवगां चड'* हो लेख ताणें 1962त बरयलो. तांचो पयलो छापिल्लो लेख *'उलोवप-एक कला'* हो आसूं येता. विद्याच्या पयल्या अंकात सुमन्त केळेकार संपादक आसताना हो लेख छापून आयिल्लो.

गोंय स्वतंत्र जाल्या उपरांत गोंयांत जायतीं वर्तमानपत्रां सुरू जालीं. तेन्ना सावन अ.ना. राष्ट्रमताच्या आयतारच्या अंकांनी बरोवपाक लागलो. त्या आदीं

मुंबयसून ते कोंकणी पत्रक आनी पंद्रशी काडटाले. ताचो भार उदय भेंब्रो हांणें घेतलो. ताच्या दिवाळी अंकान मागीर *'रात थोडी संवगां चड'* हो लेख उजवाडाक आयलो. अ.ना. सुनाप्रांतच्या दिवाळी अंकांत सातत्यान बरोवप करतालो मात ताची भलायकी इबाडिल्ल्यान ताच्या साहित्यीक योगदानांत खंड पडलो.

अ.ना.न वर्तमानपत्री लिखाण मुंबय आकाशवाणीचेर बरयल्ले आनी दिवाळी अंकांनी बी ताणें आपलें लिखाण चालूच दवरलें. महाविद्यालयांत आसतना ताणें बरयल्लीं कांय नांटकांय रंगमाचयेर आयलीं. पूण तांचे *'घुमचे कटर घूमSS'* कोंकणींतले पयलें उजवाडाक आयिल्लें पुस्तक आसा. ह्या पुस्तकाक 1964 वर्साचो कला अकादमीचो पुरस्कार फावो जालो. ह्या बाल साहित्याच्या पुस्तकांत भुरग्यांखातीर कांय देखदिण्यो कविता आसपावतात.

मुंबयच्यान '*कोंकणी'* नांवाचें एक नेमाळें येतलें ताचो संपादक अ. ना. आसलो. तातूंत *'पिंपळा पेडार'* हें सदर चलतालें. हें सदर मुखार राष्ट्रमतांत पावलें. तातूंत गोंयकारपणाच्या जिवार उठयल्ल्यांचेर धुमके, खुटले, चिमटे, कानांक पिंवळ अशें खूब कितें आसतालें, तें सदर तेन्ना अ. ना. बरयताले.

गोंयकार हो तांचो आवडीचो आनी संशोधनाचो विशय आशिल्लो. तांच्या बरपाचे विशय म्हळ्यार गोंय, गोंयकार, आदलें गोंय, नवें गोंय, गोंयची जीण, विलिनीकरण आनी तातूंत बोवाळपी मनाशां, खास करून गोंयकार. ह्याच विशयांक धरून *'तिरसुवाद गोंयकार'* ह्या नांवान जाग म्हयनाळ्यांत ताणें आपलें बरोवप केलें. उपरांत जागांत तांचे साहित्य *'गोंयची अस्मिताय'* ह्या नांवान पुस्तक रुपांत तें छापून काडलें. गोंयच्या संस्कृतायेचें दर्शन घडोवपी ललित लेखांचें *'गोंयची अस्मिताय'* हें तांचें दुसरें पुस्तक.  मुळांत गोंयच्या मातयेंत

जल्मल्ल्या ह्या फुलान गोंयां पासून पयस रावन लेगीत गोंयच्या मातयेचो परमळ वोगडायलो ना. गोंयच्या यादीन आनी मोगान ताणें आपलें लिखाण चालूच दवरलें.

*'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा'* ह्या संग्रहाच्या प्रस्तावनेंत अ.ना. कोंकणी कथांच्या संदर्भांत खंत उक्तायताना दिसतात. ते बरयतात,

*"खेरीज आयची कथा पोन्नो समाज आनी पोन्नी मुल्यां हांका घट्ट धरून राविल्ली दिसता. हाका लागून तातूंत स्वतंत्रताये उपरांत गोंयच्या समाजांत जाल्ल्या बारीक सारीक बदलांचें पडबींब दिसून येना. आनी देखून येना. आनी देखून केन्ना केन्नाय समाजाच्या दोन पावलां फाटल्यान आसलेल्या वरी दिसता. हें तिगेलें रूप बदलून फायची कथा समाजा बराबर रावतली आनी वेळ पडल्यार चार पावलां तांच्या मुखारूच चलतली..."*

अ.ना.क कोंकणी मळार वैचारीक कथांचो उणाव जाणवलो. आनी देखून ताणे कोंकणी कथेच्या मळार हो प्रयोग करपाचो यत्न केलो. ह्या यत्नांचें फळ म्हळ्यार ताचें तिसरें पुस्तक *'पणजी आतां म्हातारी जाल्या'*. हें पुस्तक 1985 ह्या वर्सा कुळागर प्रकाशनान छापून हाडलें. उपरांत ह्या पुस्तकाक त्याच वर्सा साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जालो.

नाटकां हो अ.ना.चो सगळ्यांत आवडीचो विशय. हेर बरप जातकीच नाटकाच्या क्षेत्रांत बरोवपाची आस्त तांकां आसली मात तितल्ययान तांचें वय जालें आनी सगळें उरलें.

'*प्रसादफूल'*, *'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा'* ही ताणें संपादीत केल्लीं नामनेचीं पुस्तकां आसात. *'गजालींचें नाटक'* हें ताणें अपजेन युनेस्को हांच्या फ्रेंच नाटकाचो केल्लो अणकार आसा. त्या भायर *'घर नाशल्लो घरकार'*, *'त्या दिसाची*

*एक गजाल'*, *'मरतलो घरच्यांक वळखना'* ह्यो ताणें खासा आकाशवाणी खातीर बरयल्ल्यो एकांकी.

अ.ना. बरयता तेन्ना आपले विशय वाचप्यांच्या काळजा मेरेन पावचे हाची खासा जतनाय घेतालो. वाचप्यांक हांसून हांसून चितूंक लावप हो तांचो मुखेल हेत आसलो.

## 1.3 अ.ना. म्हांबऱ्याक फावो जाल्ले पुरस्कार आनी भोवमान

अ.ना. म्हांबरो हांकां साहित्य अकादेमीच्या पुरस्कारा वांगडाच गोवा कला अकादेमीचो, कोकंणी भाशा मंडळ गोंयचो आनी महाराष्ट्र सरकाराचो पुरस्कार फावो जाला. तांच्या पणजी आतां म्हातारी जाल्या ह्या कथा संग्रहाक 1987 वर्सा साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जालो.

'घुमचे कटर घुमSS' ह्या पुस्तकाक 1964 वर्साचो कला अकादमीचो पुरस्कार फावो जालो. ह्या बाल साहित्याच्या पुस्तकांत भुरग्यांखातीर कांय देखदिण्यो कविता आसपावतात.

## 1.4 अ.ना. म्हांबऱ्याच्या साहित्याचेर हेर साहित्यीकांचीं मतां

लेखक ज्या काळखंडांत आपल्या लेखनाच्या आधारान आपलो वावर करता. तो ताचो साहित्यीक कार्यकाळ. तो जे साहित्य प्रकार हाताळटा तातूंत तो कितलो यशसवी थारता हें साहित्याचो समिक्षक वा अभ्यासक तथ्यांक धरून सांगपाक शकता. देखून अ.ना.च्या साहित्याचेर मांडील्लीं कोंकणीच्या कांय वेंचीक अभ्यासक आनी समिक्षक हांचीं मतां हांगा मांडटां.

*"अनाबाबांच्या ललीत लेखांनी तांगेल्या लेखनाचीं सगळीं गुणवैशिश्ट्यां खचाखच भरल्यांत. विनोद, उपरोध, मिश्कीलपणां, नोस्तालजिया ह्यो सगळ्यो गजाली तातूंत येतात"*

अशें मत *'कोंबो गेलो तारवार'* ह्या ललीत लेख संग्रहाच्या प्रस्तावनेंत पुंडलीक नायक मांडटात. कोंकणी विनोदी साहित्य म्हण्टा तेन्ना अ.ना. म्हांबरो हें नांव चुकोवन चलचें ना. अ.ना.च्या लेखनाची विनोदी शैली म्हळ्यार ताच्या साहित्याचें वैशिश्ट. आपल्या निबंदांनी वैचारीक साहित्य दिताना लेगीत ताका तो विनोदाची धग घालता.

'कुळागर' 1996 च्या दिवाळी अंकान डॉ. राजय पवार 'कोंकणीतलें विनोदी साहित्य' ह्या लेखांत म्हणटात,

*"विनोदाच्या बुडकुल्यांत दुसऱ्यांच्या दुशणांची पेज आसूंक फावना. विनोदाचीं बोटां नाजूक, खातखुतल्यो करपी आसूंक जाय. नाखश्यांनी रगता काडपी आसूंक उपकारना. खातखूतल्यो करून ल्हवूच चिमटे काडपी पूण घाय ना करना अशें. ह्या तरेचे विनोद कोंकणींत मुखेलपणान अ. ना. म्हांबरो आनी दत्ताराम सुखठणकार हांच्या निंबदांनी, लेखांनी दिश्टी पडटा."*

ह्याच लेखांत डॉ. राजय पवार  अ.ना. म्हांबरो हांच्या विनोदी साहित्याचेर आपलें मत मांडटाना म्हण्टात,

*“अ.ना. म्हांबऱ्याचे निबंद, लेख रुचीक, सुवादीक जाल्यार कांय कडेन तिरसुवादीक लेगीत, गोंयच्या देवस्पणाचेर, गोंयच्या फुड्यांऱ्यांचेर कशे तरेन बडयो मारच्यो हें तांकां बेस बरें खबर आसा. ते बडयो मारतात तेन्ना फाटीर वळ मात उदेनात हें म्हत्वाचें”*

नागेशबाब करमली अ.ना.च्या साहित्याचेर आपलें मत मांडटा आसताना म्हणटात,

*“कांय जाणांक दिसता, अ.ना.चें बरोवप जेम्स जॉयसाच्या डब्लीनर्स सारकें. अदीक खोलायेंत देवन विचार केलो जाल्यार ही तुळा सारकी न्हय हें दिसून येता. कारण अ.ना. गोंय आनी गोंयकार हें केंद्रबिंदू मानून जें कितें बरयता तांतली खराय, नीजपण, गोंय आनी गोंयकारपणाच्या मुळावो थाव घेवपी आत्मियताय आनी ह्या गजालीकडेन पळोवपाची अ.ना.ची नदर डब्लीनर्स परस खूब म्हळ्यार खूब वेगळी आसा. घडये साहित्याच्या मळार एक आगळोच आयाम निर्माण करपी. कोंकणींत हो आयाम आनीक कोणेंच तितले गंभीरतायेन केळयिल्लो दिसना. अजून तरी एकलो अनाच थंय दिश्टी पडटा. कारण अनाची पावलट ही अनाचीच. ते वाटेर पांय दवरपाक अ.ना. सारकीच तांक जाय.”*

ह्या साहित्यकाराकडेन तुळा जावपाचेंच कारण म्हळ्यार अ.ना.ल्या साहित्यांतलें वेगळेपण. ताणें आपल्या साहित्याक एकाच फासकेंत बांदून दवरुना. वाचकाक नाविन्य भेटोवपाच्या हावेसान अ.ना. आपल्या साहित्यांत प्रयोग करीत गेलो.

नागेशबाब अ.ना.च्या साहित्याचें आनी खासा ताच्या कथांचें वेगळेपण सांगताना म्हणटात,

*“अ.ना. एके फास्केंतले बरोवपी लेखक न्हय. आपल्या बरोवपांत ताणें शैली आनी अभिव्यक्तीचे वेगवेगळे प्रयोग केल्यात. अना हो फकत कोंकणी वा भारतीय साहित्यांतूच बूड मारून आयिल्लो लेखक न्हय. संवसारांतलें बरें बरें आनी ऊंच पावड्यावयलें साहित्य वाचून तें पचयिल्लो मनीस तो. ते खातीर ताणें बरयल्लें खंयचेंच उतर वा वाक्य वाचून केन्नाच उखलापें दिसना. अनान बरयिल्ली खंयचीय कथा आसूं वा आनीक कितेंय आसूं, तातुंतलें दर एक उतर मेजून मापून बरयिल्ल्याचें दिसता. कोणायकूय जाय म्हणून, खंयचेय उतर हे वटेनचे ते वटेन करूंक मेळचें ना.”*

अ.ना. गेल्या उपरांत सुनापरांत दिसाळ्यांत कांय नामनेच्या लेखकांनी आनी अ.ना.च्या बऱ्या मागप्यांनी अ.ना.क उतरांचीं आर्गां भेटयल्लीं. ज्ञानपीठकार दामोदर मावजो अ.ना. बाबतीन म्हण्टा,

*“कोंकणींत तांणी भर घाल्या ती मोलादीक. तांचें साहित्य हें 'फायचें साहित्य'. तें आताचे पिळगे खातीर आसाच, पूण फायचे पिळगे खातीरूय आसा. चिरंतन अशें हें साहित्य, तांचें मिश्किल साहित्य फायच्या पिळग्यांक प्रेरणा दीत रावतलें. आपल्या व्यंगात्मक साहित्या वरवीं तांणी गोंयचे सामाजीक, राजकी परिस्थितीचें दस्ताऐवजीकरण (डॉक्युमेंटेशन) केलां. ह्या वावराक एक आगळे वेगळें म्हत्व आसा.”*

अ.ना. संदर्भान कोंकणी भाशेची अभ्यासक डॉ. माधवी सरदेसाय बरयता,

*“अनान कोंकणीक खूब वयल्या पांवड्याचें आनी वेगळेच तरेचें विनोदी साहित्य दिलां. कोंकणीक तांणी आगळी वेगळी 'अना-कथा' दिल्या.*

*एकमेवाद्‌वितीय असो हो कोंकणी बरोवपी. कोंकणी चळवळीच्या एका काळाचो हो गवाय.”*

अ.ना. म्हांबरो हो गोंय सुटके आदी आनी गोंय मुक्ती उपरांत लेगीत कोंकणी साहित्य मळार सातत्यान योगदान दिवपी लेखक आसलो. आपल्या अणभवांच्या आधारान ताणें कोंकणी कथेच्या मळार जे प्रयोग केल्यात ते तोला-मोलाचे आसात.

*“एका संपादकान हांतलें एके कथेक ‘ऍब्सर्ड’ म्हळें, दुसऱ्यान ‘खुसखुशीत’ म्हळें. तिसऱ्यान तिसरेक ‘अनाकथा’ म्हणून हांवें कथांचो प्रवाह कोंकणींत बीन सुरू केला बी म्हळें”*, अशें अ.ना. म्हांबरो आपल्या ‘पणजी आतां म्हातारी जाल्या’ ह्यया पुस्तकाच्या प्रस्तावनेंत म्हण्टा.

अ.ना.च्या साहित्यांत आसपावपी आगळे वेगळे आशय-विशय, तंत्रां ताच्या साहित्याक एक वेगळो दर्जो दिता. जो समजून घेवपाक एक व्यापक नदर गरजेची आसा.

# प्रकरण दुसरें:

## ‘अना कथा’ आनी कथेचे साहित्यीक घटक

**2.1** अ.ना.चे कथेचीं कथानकां

**2.2** अ.ना.चे कथेंतलीं पात्रां

**2.3** अ.ना.चे कथेंतले संवाद

**2.4** अ.ना.चे कथेंतलें वातावरण

**2.5** अ.ना.चे कथांची भाशा शैली

**2.6** अ.ना.चे कथेंतलो संघर्श

## 2.1 अ.ना.चे कथेचीं कथानकां

अ.ना.च्या कथांची रचनाच वेगळी. ताच्या कथांचें विशय गोंय आनी गोंयकार हांच्याच सरभोंवतणचे. आपले आगळे वेगळे शैलीन तो तिरसुवादी गोंयकारांचेर, गोंयच्या राजकारण्यांचेर लेख बरयतालो आनी ताचे कांय अंश आमकां ताच्या कथांनी पळोवपाक मेळटात. गोंयचो समाज आनी राजकारण हीं ताच्या कथांचीं मूळ सुत्रां.

अ.ना.चें साहित्य विनोदी दिसता मात तातूंत लिपिल्लो गुढार्थ फकत तत्कालीन समाजाची वळख आशिल्ल्यांक बेस बरो समजता. सुटके उपरांतचें गोंय, समाज, लोकांची मानसीकता आनी राजकरण हांची देख आमकां अ.ना.च्या ह्या कथांनी मेळटा.

अ.ना.च्या कथांचें कथानक साप्प वेगळें. देखीक, *'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत भाऊ बांदोडकार मुखेलमंत्री जाल्ल्याची खबर येता. तेन्नाच विठूचे तिजोरेची चावी सांडटा. आनी हेच घटने वयल्यान कथेची सुरवात जाता. पुराय कथेंत चावी सांडिल्ल्यान विठू आनी ताच्या घरच्यांचो संघर्श वाचकाक चिंतेन घालिनासताना हांसयता. आनी निमाणेकडेन तेन्नाचे गोंयचे मुख्यमंत्री भाऊ बांदोडकारान नवी चावी करपाक दिल्ल्या पयश्यांनी विठू धादोशी जाता. बाऊन दिल्ल्या पयश्यांनी एक भांगराची चावी करू येताली हें पळोवन विठू अजापीत जाता. हें कथानक दानशूर भाऊ बांदोडकाराच्या दानी सभावाची देख दिता. ताका कश्या तरेन लोक नाडटालें हेंय ह्या कथानकांतल्यान कळटा.

गोंय स्वातंत्र्या उपरांत गोंय राज्यांतली जी परिस्थिती आसली ताचेर आदारून लेखक कांय कायदे निर्मिता. आनी कायद्यांच्या ह्या कथा बिजाचेर अ.ना. *'देवचाराच्या राज्यांतले कायदे'* ही कथा आकाराक हाडटा. हें कायदे सुशेगाद

म्हणपी आळशी वृत्तीच्या गोंयच्या लोकांचें अलिखीत नेम म्हणू येता. हें लोक तोंड धांपून आमदार मंत्र्याच्या पांगेत रावतात आनी पुराय राज्याक सोंपयता.

*‘गवेत उकतें जायना’* हे कथेंत थंडायेक लागून भिकुदादाचे लाकडी गवेत उकतें जायना. गवेत उक्तें ना जावपाचें कारण ल्हानशें, मात हाचेर बरोवपी कथेंत जायतीं पात्रां हाडटा आनी मनशांची वृत्ती चित्रावपाचो यत्न करता. ह्या संवसारांत लोकांक ज्ञान वाटपाक सहज जमता मात उपाय दिवपाक कोणाकूच जमाना. तशेंच हे कथेंत जाता. भिकुदादाच्या मजतीक जायते लोक येतात, संवसार भरच्यो गजाली सांगून वयतात. मात कोणूच योग्य उपाय दिना म्हूण भिकुदाद निर्शेता. ह्या कथानकान भिकूदादाची गवेत उगडपा खातीर तळमळटा मात शेवट मेरेन ताका गवेत उगडपाचो उपाय सापडना.

मनशाची जीण म्हळ्यार सुख-दुख्खाची एक गच्च वीण. जिणेची सुरवात म्हळ्यार जल्म आनी शेवट म्हळ्यार मरण. ह्या संवसरांत येवपी दर एक जीव आपल्या जिवन काळांत असंख्य गजाली करता. वेग-वेगळ्या हेर जिवांच्या संपर्कान येता, तांचे कडेन संबंद निर्माण करता. कांय जाणांक सांगातान घेवन जीण सारता आनी कांय जाणांक जिवीताचे वाटेर शेणोवन बसता. अ.ना. ह्या सगळ्या जिवांक एकठांय हाडपाचो यत्न आपल्या कथांनी करता. ताचे *‘भावोजी मेलो’* हे कथेंत भावोजीच्या मरणाची गजाल तो जे पद्दतीन वाचप्यां मुखार दवरता ती शिकपा सारकी आसा. *‘एक आसलो काबुली’* हे कथेंत लेगीत मेल्ल्या काबुलीच्या नांवार जें कथानक लेखक आकाराक हाडटा तातूंत वाचकाच्या मनांत विनोदी भाव निर्माण जाता. लेखक जें मांडटा तातूंत सत्य आसा मात ताची शैली ह्या कथानकाक एक वेगळें रूप दिता. मरण सारक्या संकल्पनेचेर आधारीत तांची *‘एक बरपी मरता’* ही कथा एका कोंकणी लेखकाची व्यथा चित्रायता. कोंकणी

आनी गोंयच्या समाजाची एका कोंकणी साहित्यकारा कडेन पळोवपाची नदर जी साधारण पणान व्यक्त करीना तें कथाकार सांगपाचो यत्न करता.

ज्येश्ठ आनी सुरवातेच्या कोंकणी साहित्यकारांक रायटर जावच्या पयलीं फायटर जावन आपल्या आवय भाशेची राखण करची पडली. कोंकणी लेखकांक गोंयच्या समाजांत जो मान मेळटा ताची देख म्हळ्यार *'एक बरपी मरता'* हें कथेंत मांडल्या. लोक कोंकणी भाशेक तशेंच ताची साधना करपी लेखकांक दुय्यम म्हत्व दिताले. मागीर तो नवोदीत लेखक आसूं वा कोंकणी भाशेचो जनक शणै गोंयबाब. एक बरपी मरता तेन्ना लोक तांका उतरांची श्रध्दांजली भेटयतात. तांच्या नांवान संस्थांचे पयशे खर्च करतात. पुरस्कारा खातीर ताच्या नांवाचो अर्ज करतात. ह्याच समाजाचें चित्रण करताना लेखक वाचप्यांक निमणे कडेन एक चत्राय दिता. तो म्हण्टा,

*"चत्राय: ही एक अर्थनाशिल्ली कथा. खंयच्याच जित्या जांव सोंपिल्ल्या बरप्यान ती आपली म्हूण धरची न्हय. तशी ती कोणेंय धरली जाल्यार हे कथेंतल्या बरप्याक वायट दिसतलें- बरपी."*

लेखकाचीं हीं उतरां एके वाटेन मुखामळार हांसो फुलयता जाल्यार थंयच चितपाक प्रवृत्त करता. जो कोण ह्या बरप्याच्या सभावा कडेन एकरूप जातलो ताका निखालस वायट दिसतलें. ही सादी गजाल लेखक कितल्या मिश्कील पद्दतीन सांगता तें पळोवन लेखकाचें कवतूक दिसता. *'हांव दिल्लीक कित्याक वेतां तें सांगता'* हे कथेंत कथाकार एका अश्या निर्लज्ज बरप्याची गजाल सांगता जो इनामा मेळोवपाक संपादकांक आपलो स्वाभिमान विकून दिता. कथेच्या सुरवातेक निवेदक आपूण दिल्लीक वचपाची खबर सांगता आनी शेवट मेरेन वाचकाच्या मनांत बरपी दिल्लीक कित्याक वयता हो प्रश्न सतायता.

अ.ना.च्या ह्या सगळ्या कथांचेर नदर मारली जाल्यार तांका सुरवात, मध्य आनी शेवट हें तंत्र लागताच अशें ना. अ.ना.च्यो कथा कथानकाची ही शीम हुंपताना दिसता. मुळांत ताच्या कांय कथांनी कथानक सापडना. ताच्यो कथा सुरू जावन थंयच्या थंयच भोंवतात. कांय सुरवातेकूच सोंपता जाल्यार कांय सोपून लेगीत सोपना.

## 2.2 अ.ना.चे कथेंतलीं पात्रां

कथा हो ल्हान साहित्य प्रकार आशिल्ल्यान कथेंत पात्रांची संख्या मर्यादीत आसता. मात हें तंत्र अ.ना.च्या कथांक लागना. तांच्या कांय कथांनी पात्रां एका फाटल्यान येत रावतात. जाल्यार कांय कथांनी अ.ना. ह्या पात्रांक एका कोनशाक बसोवन आपलें कथानक घेवन वयता.

रासवळींत येवपी पात्रांचें चित्रण अ.ना. संवादांच्या माध्यमांतल्यान करताना दिसता. एकादो नाटककार जेन्ना नाटक बरयता तेन्ना ताका निखळ संवादानूच ताका आपल्या पात्रांची वळख करून दिवची पडटा. हें बंधन कथेक लागना. मात अ.ना. हो प्रयोग आपल्या कथेंत केळयता. कांय कडेन अ.ना. पात्रांचें नांव लेगीत सांगिना. आनी वेंचीक पात्रांच्या आधारान कथा पुराय करता.

पात्रांच्या भरावडीची एक देख, *'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत आयल्या. घरांत कोण कोण येता तांच्या नांवांची यादीच लेखक सांगून दिता. हातूंत आनीक एक गजाल लक्षांत येता ती म्हळयार हिंदू सयत क्रिस्तांव पात्रां लेगीत लेखक आपल्या साहित्यांत ताणें आसपावीत केल्या.

*"शिनू, काटू, दुलगो, कृश्णे, तिर्बीण, भागी, आंतोन, कुश्टा, कायतान, मारी, दामयांव, फिल्सू, रमाकांत, दुर्गे, शेंवतें, आबोलें, सौज, फेनंद, नायक, कुराडो, मरणो, फोंडो सगले विटूचे खबरेक आयले. पैकीं तिर्वीण, भागी, मारी आनी आबोलें विठूचे बायलेचे खबरेक आयिल्लीं. तिका णवो म्हयनो चलतालो."*

*'एक झगडेः दोगांचें'* हे कथेंत मेजून तीन पात्रांनी लेखक कथा आकाराक हाडटा. हांगसर वातावरण ना. लेखकाचे निवेदन ना. फकत संवादाच्या माध्यमांतल्यान तीन पात्रांक घेवन पुराय कथा आकाराक हाडटा.

अनाच्या पांत्रांची नांवां एक मिश्कील रूप घेवन आकाराक येता. देखी खातीर, (वयर दिल्ल्या नांवांचेर नदर मारात.) अ.ना.च्या कथांनी कांय खेपे नांव सादें आसले जाल्यार पात्रच मिश्कील रूप घेता. देखीक, *'तुकल्याची तकली तुकल्याक ना'* हे कथेंतलो तुकलो आपली तकली शेणल्या म्हूण जी संवगा करता ती एका तरेचे मिश्कीलपण घेवन येता.

अ.ना.चीं कांय पात्रां ताच्या वास्तवीक जिवितांतल्या व्यक्तीमत्वांचीय आसात. राजकरणांतली इंदिरा गांधी, भाऊ बांदोडकार, शशीकला ताई काकोडकार, भाऊ काकोडकार हांची नांवां घेता आसताना अ.ना. तांची वळख दिवपाक फाटी फुडें जायना. ते वास्तवीक स्वरूपाची पात्रां आपल्या कथांनी केळयतात. हरशीं चडशे साहित्यकार मंत्री आमदारांचो उल्लेख आपल्या साहित्यांत करता खरे, मात तांचें नांव बदलतात, वा तांचो सभाव आपल्या कथांनी हाडटा आसताना त्या मंत्र्याची वळख उगती जावची ना हाची भोव जतनाय घेतात. मात अ.ना. आपल्या साहित्यांत ह्यो सगळ्यो गजाली सहज मांडटाना दिसता.

सुक्रातीसाचें नांव एका पात्राक दिवन लेखक ह्या पात्राचे संवाद लेगीत तितलेच तत्वगिन्यानाच्या फाटभुंयेर घडयता. सुक्रोतीस हो एक मनीस जो घरांघरांनी वचून लोकांक प्रश्न विचारतालो आनी तांका विचार करपाक भाग पडटालो. *'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत स्क्रोतीस नांवाचे एक पात्र विठू कडेन संवाद सादता. तो विठूक चावये शेणिल्ल्या संदर्भान जायते प्रश्न करता आनी ती शेणपा फाटल्यांची कारणां सोदपाचो यत्न करता. हाचेर विठू बेजार जाता. लेखक स्वता तत्वगिन्यानाच्या विशयांत पद्वीदर म्हूण तांका ह्या तरेचे पात्राचे विचार संवादांनी केळोवप सोपें जालें.

कोंकणी साहित्याच्या मळार अ.ना.म्हांबरो खूब प्रामाणीकपणान वावुरला. कोंकणी भास तांच्या शिरंतरांनी रिगल्या. *'बाबुलीचो प्रश्न'*, *'बाबपोरोब सर्गाची पासापोर्त काडटा'*, *'हांव दिल्लीक कित्याक वेतां तें सांगता'* आनी *'एक बरपी मरता'* ह्या कथांनी कोंकणी साहित्यकारांची जाणीव पुर्वक नांवां अदीं-मदीं घालता. तातूंत शणै गोंयबाब, बाकीबाब, र.वी. पंडीत हांचीं नांवां आसपावतात. आपल्या कोंकणी भाशेंत बरोवपी म्हालगड्यांची नांवां तो आपल्या वाचकाक भेटयता. हातूंत वाचकांच्या वैचारीक बुध्दींत वाड जाता.

एक साहित्यकार समाजाचो एक अविभाज्य घटक आसता. आनी ह्या समाजांत वावुरपी अ.ना. आपलीं मतां, आपलो अणभव आपल्या कथांनी पात्रांच्या आदारान वास्तवीकतायेची धार दीत उबारता. देखीक, *'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत भाऊ बांदोडकाराची दानशूर वृत्ती दाखयत तो कितलो सादो आशिल्ल्याचे लेखक सांगपाचो यत्न करता. अनाडी विठूल्या आल्मारीच्या तिजोरीची चावी सांडिल्ली ताका भाऊ भांगराची चावी करपा इतले दुडू दिता. म्हळ्यार भाऊ मंत्री आसताना लेगीत लोकां मेरेन पावतालो आनी ताच्या उधार सभावाचो लोक कसो दुर्योपयोग करून घेताले हाचीय देख मेळटा. ह्याच कथेंत लेखक विठूचे चित्रण थोडक्यांत करून सोंपयता. *"हरशींय विठू म्हण्टात तो घोवयो. मात्सो पावणेबाराच म्हळ्यार जाता..."*

भिकारी वृत्तीचे मनीस जांका काम करपाचें ना. स्वता भितर कसल्याच तरेचो बदल हाडपाचो ना तसले लोक '*सुणो'* हे कथेंत आसपावतात. हे कथेंत सुण्याक पांवान विख दितात म्हूण ताचो इश्ट ताका शिटकायता. तें आयकून सुणो भंयभीत जाता. ताका मरणाचो भंय आसा मात ताच्या खातीर पोटाचो प्रश्न व्हडलो, तातूंत ताची कामचोरी. म्हूण अश्या वृत्तीचे लोक गांवार हेडपी सुण्यावरीं

जातात. ह्या लोकांक कितलोय सुदरावपाचो यत्न केलो जाल्यार ते बदलनात असो आशय घेवन ही कथा आकाराक येता.

अ.ना. आपल्या कांय कथांनी प्रतिनिधीक स्वरुपाचीं पात्रां घडयता. देखीक, *'एक मिनैर, 220 वावुरपी आनी तांचें युनियन'* हे कथेंत त्या काळा वयलो मिनैर. गोंय सुटके उपरांत मिनैरांक भंय पडिल्लो आपल्या सत्तेचो. आपले कामगार आपल्याक रेस्पेद दितात हातूंत ते आपलें व्हडपण समजताले. मात गोंय सुटके उपरांत लोक आपल्याक मान दितले कांय ना हो हुसको ताका पडिल्लो. *'एका सामान्य मनशाची असामान्य काणी'*, *'तुकल्याची तुकल्याक ना'* हातूंत गोंयकारांचे प्रतिनिधीत्व करपी पात्रां आयल्यात.

अ.ना.चे साहित्य व्यक्तिचित्रणात्मक लेखन दिसता. तांणें भावोजी हें पात्र आपल्या जायत्या कथांनी चित्रायलां. आपल्या जिविताचो अणभव सांगता आसताना भावोजीचें केल्लें वर्णन त्या काळांतल्या भावोजीचें प्रतिनीधीत्व रुपान वर्णन करता. *'भाओजी मेलो'* हे कथेंत भावोजीचे बरे मागपी धरून वायट चिंतपी सगळ्यां लोकांचो संवाद आयलात. थंयच आपल्या कथेंत अ.ना. मंत्र्यांची कांय वर्णना करता जी तत्कालीन समाजाच्या राजकरण्यांचे प्रतिनिधीत्व करता. पयश्यां बगर मंत्री जावप शक्य ना, मंत्र्यांक भाशणां दिवपाक बेस बरीं जमपाक जाय. ह्या तरेचे विचार अ.ना. अदीं मदीं घालता आनी मंत्री कसो आसता ताची रूपरेशा कथांनी मांडटा.

## 2.3 अ.ना.चे कथेंतले संवाद

पात्रांच्या तोंडांत संवाद घालताना साहित्यकाराचे तें पात्र सांबाळपाची सगळ्यांत व्हडली जवाबदारी येता. अ.ना. आपल्या कथांनी ज्या तरेचे संवाद घालता तें वेगवेगळ्या आयमांक हात लायता.

अ.ना. म्हांबऱ्यान बरयल्ल्यो कांय कथा निखळ संवादांच्या बळग्यार आकाराक आयल्यात. तातूंत मुखेलपणान सांगचे जाल्यार *'एक झगडेः दोगांचें'*, *'एका मंत्र्याची मुलाखत'* आनी *'भावोजी मेलो'*. ह्यो पुराय कथा संवादांच्या माध्यमांतल्यान केळयल्यात.

*'भावोजी मेलो'* हे कथेंत भावोजीच्या मरणाचेर लेखक एक विनोदी सया सोडटा. नाटकाची धार धरून बरयल्ली ही कथा भावोजीच्या व्यक्तीगत, समाजीक आनी कुटूंबीक जिणेंतल्या लोकांक केंद्रस्थानार दवरून बरयल्या. हे कथेक तीन पांवडे आसात. दर पांवड्यार विशिश्ट लोक आसात जे भावोजी संदर्भान भोव मिश्कील पद्दतीन उलयतात. पयल्या पावड्यांत भावोजीच्या मरणाची खबर गांवभर पातळटा, तातूंत भावोजी कसो मेलो हें जाणून घेवपाक लोकांची तळमळ संवादांनी दिसता. ह्या खबरांनी लेखक तत्वगिन्यान गुठलायता. देखीक,

*"काल न्हिदून उठल्या उपरांत भावोजीन कितें केलें?*

*तोंड धुलें.*

*आनी उपरांत मेलो?*

*शू!*

*मेलो? सोंपलो. भायर पडलो.*

*तोंड धुल्याउपरांत दिसता.*

*च्या घेतल्या उपरांत.*

*च्याक कितें खालें?*

*पोळे खाले.*

*चटणेबराबर!*

*कुंबळावरावर?*

*हळसांद्यांचें तोंडाक केल्लें.*

*खूब मानवतालें काय ताका तें?*

*मानवताले खूब अशे न्हय.*

*सुंगटां आशिल्ली?*

*सुगटां?*

*हळसांद्यांच्या हातूंत?*

*आशिल्लीं.*

*तांबडीं जातली. दर्याचीं.*

*गरवणेचीं.*

*बरी आशिल्ली?*

*वायटशी नाशिल्ली.*

*ताजीं?*

*फडफडीत.*

*सुवादीक?*

*सुवादीक.*

*भावोजीन कितलीं खालीं काय?*

*जाणा कोण.*

*बशीभर तरी?*

*बशीभर!*

*हय*

*जावं तरी.*

*कितें?*

*ते तरी खालें.*

*बरो आशिल्लो रुपान.*

*कोण?*

*भावोजी.*

*हय. गुणानूय.*

*सभावानूय.*

*महाका एक बरे दिसलें.*

*कितें?*

*बावडो खावन जेवन मेलो. गेलो. सोंपलो."*

दुसऱ्यां पावड्यांत भावोजीच्या सवांगड्याचें शीण काडपी संवाद आसपावता. आनी तिसऱ्या पावड्यांत भावोजी गेल्ल्यान बायलांची मनोव्यथा व्यक्त करपी हांसो निर्माण करपी संवाद आसा. देखीक,

*"(सगळीं हुडक्या हुडक्यांनी रडटात दोळ्यांक पदर लावन )*

*महजो धनी गेलो.*

*आतां हांव खरी राण जालीं.*

*हांवूय अयाव आसून तीच जाली.*

*आंकवार आसुनूय म्हगेलीय तीच अवस्था.*

*सोसूं नज बाये हें दुःख. देवा, आमकांय व्हर बेगीन!*

*कित्याक दवल्ल्यां? रडूंक?*

*आतां आमकां कोण पळेतलो? आमचो आधार गेलो.*

*आमचो प्राण गेलो.*

*गेलो तो बरो जालो.*

*कितें म्हळें?*

*लज दिसना तुका अशे म्हणूंक?*

*तोय सुटलो. तुमीय सुटली.*

*कितें उलयता गे तूं पापणी!*

*म्हगेलो दुस्मान गेलो.*

*राक्षीण खंयचेकडली! आगे तुगेल्या तोंडाक कितें सुमार !!!*

*लग्नाची बायल हांव तागेली."*

हें संवाद अनैतीक नातीं उगड्यार घालपी. लोकांच्यो ह्यो गजाली सोप्यापणांत तोंड्यांतल्यान सुटना. त्यो कथाकार पात्रांच्या तोंडांतल्यान भायर काडटा. कोणाचाय मरणाक गेल्याक एक गजाल लक्षांत येता, ती म्हळ्यार सगळ्या गजालींक मम् म्हणून सोडप. एकलो कोण एकादें विधान करता आनी उपरांत उरिल्ले सगळें ताच्या फाटल्यान कांयच चितनासताना हय सायबा म्हणून सोडटात. तोय दृश्य कथेचो निमण्या भागान येता. कोण मरतात लोकांचे रडप कशें सुरान आसता चड करून हिंदूच्या मरणां वेळार. अ.ना.च्या ह्या कथांनी हें काव्यमय स्वरूप दिश्टी पडटा.

अ.ना.च्या कांय कथांनी प्रश्नार्थी स्वरुपाचो संवाद आसपावता. *'बाबपोरोब सर्गाची पासापोर्त काडटा'* हे कथेंत लिखीत स्वपरुपांत एक अर्ज भरता आनी ताच्याच आदारान कथा मुखार वयता. जाल्यार *'एका मंत्र्याची मुलाखत'* हे कथेंत लेखक एका मंत्र्याची मुलाखत घेता. आनी ह्याच मुलाखतींत कथा फुडें वयता.

अ.ना.च्या संवादांचेर बारीक लक्ष मारलें जाल्यार तांचें चडशे संवाद अलापाक्षरी स्वरूपाचें हें लक्षांत येता. देखीक,  ह्या अल्पाक्षरी संवादाक लागून ताच्या कथांक काव्याचो परमळ येता.

वैचारीक साहित्य वाचकाच्या विचारांनी आनी म्हयतेंत भर घालता. अ.ना.च्यो चडश्यो कथा विचार करपाक प्रवृत्त करतात. अ.ना.च्या कथांनी राजकीय, समाजीक म्हायती आनी विचार आयल्यात.

अ.ना. संवाद रुपी कथा रचता तेन्ना ताच्या कथांनी संवाद कथानकाक चेपून वयर सरतात. हांगासर जाता अशें की वाचपी कथानका कडल्यान पयसावता आनी संवादान गुंथून उरता. *'एक झगडे दोगांचें'* हे कथेंत दोन व्यक्ती झगडटात आनी तिसरो येवन आपल्या तरेन तांची दोगांयची समजूत काडटा.

## 2.4 अ.ना.चे कथेंतलें वातावरण

कथेचें कथानक अदीक प्रभावी करपाक पात्रांचो, वातावरणाचो आदार जाता. जितले बरे तरेन ह्या साबार घटकांचे चित्रण जातलें तितलेंच बरें कथानक फुलतलें आनी कथा तयार जातली.

अ.ना. म्हांबरो वातावरण निर्मिती करपाक उतरां वांगडा मातशी चामट्यापणां करताना दिसता. भावोजी मेलो हे कथेंत तो भावोजी मरपाची गजाल एकाच वाक्यांत सांगून सोडटा. तातूंत भावोजी कसो मेलो, कित्याक मोलो तें कांयच सांगिना. मात संवादाच्या माध्यमांतल्यान थंयच्या परिस्थितीची कल्पना वाचप्याक जाता.

एकदंर अ.ना.च्या कथांनी वातावरणाचे चित्रण मेळना. मात ताची निवेदन शैली वाचका मुखार एक कालप्नीक विश्व घडयता.

## 2.5 अ.ना.चे कथांची भाशा शैली

अ.ना. म्हांबरो तत्वगिन्यानाचो पद्वीधर आसलो. ताका लागून तटस्थपणान सरभोवतणच्या लोकांक समजून, तांचो नियाळ घेवन तांचे सुक्ष्म निरीक्षण करप ताका जमतालें. ताची बरोवपाची शैली सादी आनी सुटसुटीत जरीय दिसली तरीय वाचप्यांचेर खोल खोल परिणाम सादपी आसा. तांच्या शैलींतलें विनोदी आंग सैमीक स्वरूपाचें. खंयच तें आर्टीफीशल कशें दिसना.

*'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत, चावी सोदपाक लेखक विठूक घरांतल्या कोनश्या कोनश्यान कसो धाडटात तें ह्या उताऱ्यांत पळयात,

*"चावी सांडना बराबर विठून सगळें घर सोदसोद सोदलें. पयलीं भायली कूड सोदली. कुडींतलें मेज, मेजाचीं गवेतां सोदलीं. कदेलां सोदलीं. वण्टीचे खिळे, खिळ्यांची पांयजेलां सोदलीं. वासरी सोदली. वासरेंतलो बांक सोदलो. मागीर भितल्ल्यो तीन कुडी सोदल्यो. कोब्नाचीं गवेतां सोदलीं. आलमार सोदली. तांतली मुस्तायकी सोदली. खोमसा-काल्सांवांची बॉल्सां सोदलीं. रांदची कूड सोदली तोप, तपलीं, तांबये, पेले, ताटां, वाटयो, भगुणीं, घांपण्यो, कोळमूळ, रांदनीचें वायल, कत्रेलां सगलें सोदलें. माळयेची इस्काद सोदली. माळी सोदली. न्हिदपाची कूड सोदली. कुडींतल्यो बाज्ज्यो, बाज्ज्येवेलीं कुलच्यांवां, चादरी, उशीं, परोंजी सगलें सोदलें."*

चावी सांडली ही खबर लोकां मेरेन पावता. ती कशी पावता आनी कोणा-कोणा मेरेन पावता हें अ.ना. भोव अतिश्योक्ती करून सागंताना दिसता. *"चावी सांडली ही खबर विठूचे बायलेन एके शेजान्नीक सांगली. तिणे दुसरेक सांगली. तिणे तिसरेक सांगली. तिणे चवथेक सांगली. तिणें पांचवेक सांगली. विठूचे आवयन तीच खबर शेवतूले आवयक आनी शांतूले मांयक सांगली. उपरांत ती*

*खबर शेवतूले आवयन शेवतूल्या बापायक, शेवतूल्या बापायन शांतूल्या बापायक, शांतूल्या बापायन शांतूल्या मांवाक आनी शांतूल्या मांवान शांतूले आवयक सांगली. आटूतिटून तीच खबर तिब्लू आनी गिब्लू ह्या आपल्या आमिगांक सांगली. उपरांत हाणे ताका, ताणे हाका, हाणें हाका आनी ताका, ताणें ताका आनी हाका अशी करतां करतां ही खबर सगल्याक पाताळ्ळी."*

अ.ना.ची ही बरपाची शैली पळोवन तत्कालीन साहित्य निर्मणींत एकादी गजाल विसकटून सांगपाची पद्दत आसूं येता अशें कळून येता. ह्या सारकिल्ल्यो गजाली सूचकतायेन सांगपाची पद्दत आमकां हाल्लीच्या साहित्यांत चड प्रमाणांत पळोवपाक मेळटा.

दर एका साहित्यकाराची अभिव्यक्त जावपाची आपली अशी खास पद्दत आसता. आपल्या साहित्याचे तो कथन वा निवेदन करता. दर एका लेखकाची आपली अशी एक वेगळी बरोवपाची शैली आसता. तशीच अ.ना.ची आसा. तत्कालीन समाजांत ज्या पद्दतीन सर्वसाधारण लोक उलयताले ताचें अंश आमकां अ.ना.चे कथेंत मेळटा. तो आपल्या संवादांनी गोंयच्या वेगवेगळ्या मोडीचो आस्पाव करीना मात ताच्या बरपांत पुर्तुगेज संस्कार जाल्ली कोंकणी उतरावळ आसपावता.

भास ही काळांतरान आपलें रूप बदलत आसता. समाज जसो पावला कणकणी आपलें रूप बदलता तशीच भास आपल्या सभावीक रुपांत बदल घडयता. अ.ना.च्या कथांनी आसपाविल्ली भाशा शैलीचो अभ्यास करताना अ.ना.च्या बरपान आयिल्ली विशिश्ट उतरावळ, वाकप्रचार, म्हणी ओंपारींचो अभ्यास करपाचो यत्न केला.

अ.ना.च्या कथांनी भरशिल्ली कोंकणीकरण जाल्ली पुर्तुगेज उतरावळ वेंचून काडल्या. ह्या उतरांक इंग्लीश भाशेंत कितें उतर फावता तें दिलां. थंयच त्या उतरांक कोंकणींत कितें उतर आसा तें हांगसर दिलां.

| | **पुर्तुगेज उतराचेर आदारीत कोंकणी उतरावळ** | **पूर्तूगेज उतरावळ** | **इंग्लीश उतरावळ** | **पर्यायी कोंकणी उतरावळ** |
|---|---|---|---|---|
| 1. | आल्मार | Armário | Almirah | कपाट, आरमार. |
| 2. | आदवोगाद | Advogado | Advocate | - |
| 3. | आताक | Ataque | Attack | - |
| 4. | आल्फीयाद | Alfiata | Tailor | कपडे शिंवपी |
| 5. | आल्त | Alto | High, Tall | वयर, लांब |
| 6. | आक्सिदेंत | Accidento | Accident | अपघात, दुर्घटना |
| 7. | आमीग | Amigo | Friend | इश्ट, इश्टीण |
| 8. | आलमे-खुशाल | Alma | Happy Soul | खुशालभरीत आत्मो |
| 9. | आलम-पेड्डेर | Alma | Disturbed Soul | अस्ताव्यस्त आत्मो |
| 10. | आर्मे | Arms | Weapon | साधन, शस्त्र, हत्यार, आवत |

| | पुर्तुगेज उतराचेर आदारीत कोंकणी उतरावळ | पूर्तूगेज उतरावळ | इंग्लीश उतरावळ | पर्यायी कोंकणी उतरावळ |
|---|---|---|---|---|
| 11. | इंजेसांव | Injecao- | Injection | – -- |
| 12. | ओश्पितला | Hospitais/ Hospital | Hospital | रुग्णालय |
| 13. | ओर्द | Ordenar | Order | आज्ञा, हुकूम, आदेश |
| 14. | ऑब्र | a obra | Work, doing, job | काम, वावर |
| 15. | एरांस | Herança | | रासवळ येणावळ |
| 16. | कास्त | Casta | Caste | जात, वर्ण |
| 17. | कुम्प्लिकाद | Complicar | Complicate | घुस्पागोंदळ |
| 18. | कोंक्लुझांव | Conclusa~o | Conclusion | निश्कर्श, निर्णय, शेवट, अखेर |
| 19. | कार्रेर | Carira | Face | चेरो, रूप, देखाव |
| 20. | कालोर | Calor | Heat, warm | हून |
| 21. | कोमेंस | Commec$ar | Commence | सुरवात, आरंभ |

| | पुर्तुगेज उतराचेर आदारीत कोंकणी उतरावळ | पूर्तूगेज उतरावळ | इंग्लीश उतरावळ | पर्यायी कोंकणी उतरावळ |
|---|---|---|---|---|
| 22. | गवेत | Gaveta | Drawer | मेजाचें खण, गवेत |
| 23. | ग्रावात | Gravata | Necktie | - |
| 24. | गोव्हेर्नादोर | Governador | Governor | राज्यपाल |
| 25. | गार्द | Guarda | | राखपी |
| 26. | पाय | Pai | Father | बापूय |
| 27. | पलासी | Palacio | Palace | राजवाडो, राजगृह. |
| 28. | पगार | Pagamento | Payment | पगार, वेतन, मोबदलो |
| 29. | प्रोफसोर | Professor | Professor | प्राध्यापक |
| 30. | प्रॉव्हार | Provar | To prove | सिध्द करप, |
| 31. | प्रोव | Prova | Proof | पुरावो |
| 32. | प्रिस्देंत | Presidente | President | राष्ट्रपती |
| 33. | प्रोपोश्त | Praposta | Proposal | येवजण, प्रस्ताव |
| 34. | पसेनिल | Pessoal | Personal | व्यक्तिगत, खाजगी |
| 35. | पेंसांव | Pensão | Pension | निवृत्ती वेतन |

| | **पुर्तुगेज उतराचेर आदारीत कोंकणी उतरावळ** | **पूर्तूगेज उतरावळ** | **इंग्लीश उतरावळ** | **पर्यायी कोंकणी उतरावळ** |
|---|---|---|---|---|
| 36. | प्रेस | Preço | Price | किमंत |
| 37. | पासापोर्त | Passaporte | Passport | प्रवासाचो परवानो |
| 38. | प्राय | Previo | Prior | तत्पूर्ण, आदलें |
| 39. | पागामेंत | Pagamento | Payment, salary | पगार |
| 40. | फात | Fato | Suit | - |
| 41. | फॉर्माल्दादी | Formalidade | Formality | विधी, रीत, |
| 42. | बोल्स | Bolso | Pocket | खिसो, बोल्स |
| 43. | मानिकोमांत | Manicomio | Asylum | पिश्यांचे हॉस्पीटल |
| 44. | मेज | Mesa | Table | - |
| 45. | रेप्रेझेंत | Representar | Represent | प्रतिनिधीत्व |
| 46. | लॉजा | loja | | दुकान |
| 47. | सिरविस | Serviço | Service | सेवा, नोकरी, चाकरी |

| | **पुर्तुगेज उतराचेर आदारीत कोंकणी उतरावळ** | **पूर्तूगेज उतरावळ** | **इंग्लीश उतरावळ** | **पर्यायी कोंकणी उतरावळ** |
|---|---|---|---|---|
| 48. | सेर्वेंत | Servente | Servant, Maid | चाकर, दास, सेवक, नोकर, वावराडी |
| 49. | सेग्रेत | Segredo | Secret | गुपीत,गूट |
| 50. | सुगूर | Seguro | Insurance | विमो |

ह्या पुर्तुगेज उतरांची नोंद घेतली जाल्यार हातुंतलीं वेंचीक पुर्तुगेज उतरां तत्भव- तत्सम रुपांत विशिश्ट समाजाच्या उलोवपांत आयज सुद्दा घोळटा. खास करून क्रिस्तांव समाजाच्या आदल्या कांय हिंदू लोकांच्याय. ही उलोवपाची शैली पोरणें काबीझांनी येवपी वाठारांनी (बार्देस, तिसवाडी आनी साश्ट)आयजूय मेळटा. हाचे वयल्यान एक गजाल लक्षांत येता ती म्हळ्यार गोंयचे समाज वेवस्थेंत ही उतरावळ आयज सुद्दां घोळटा. कांय उतरांक पर्यायी उतरां आसात मात तीं समाजांत चड घोळनात. पुर्तुगेज उतरांचेर संस्कार जावन हीं उतरां आतां कोंकणी भाशेंत घोळटाताना दिसतात. कोंकणी भाशेंत पुर्तुगेज उतरावळ संवकळीच्या जावपा फाटलें एक कारण म्हळ्यार ती कोंकणीच्या सभावाकडेन लागीं आशिल्लीं दिसून येता. हॉस्पीटला परस ऊस्पिताल हें उतर आनी एडवोकेटा परस आदवोगाद हें उतर गोंयकारांच्या तोंडार अदीक सोबता. उतरां उश्णीं घेवप म्हळ्यार पातक न्हय. उरफाटें हातूंतल्यान भास समृध्दीचे दिकेन पावलां मारता. इंग्लीश सारकी वैश्वीक भास दर वर्सा आपल्या शाब्दीक भांडारांत नव्या नागरी, देशी, मुळांत

लोकांक संवकळीची अश्या उतरांचो आसपाव करून घेता. अशें केल्ल्यान ती उलोवप्याच्या संवकळीची जावपाचो प्रयत्न करता.

**अ.ना.च्या साहित्यांत आयिल्ले वाक्प्रचार आनी म्हणी.**

संस्कृत भाशेंतल्या भण ह्या धातूंतल्यान म्हण, म्हण्णी हे शब्द तयार जाले. म्हण्णी वा म्हण म्हळ्यार जें म्हण्टात, म्हणीत आयल्यात वा जें म्हणिल्लें आसा. जी गजाल मौखीक स्वरूपांत घोळणुकेंत आयलां त्या खास तरेच्या उतरांक वा वाक्यरचनांक म्हण्णी म्हण्टात.

मात्सो पावणे बाराच- तकलेन कमी, पिसो.

आमसाण तिखसाण लावन सांगप- आसा ताचे परस चड सांगप

कानामनार घेवप ना- आयकप ना.

घरांचेर सुणीं चडोवप- वायट करप

लग्नाक मोडे घालप- लग्न जावपाक दिवप ना.

शेळो घाम सुटप- भंयभीत जावप

मनशांक उतर गोरवांक दावें- जशें वृत्ती वा प्राणी तसो उपाय

तकली पिकार जावप- राग हाडप

संवसार भिसक्यार- कोणाक कोंताक धरप ना

अ.ना.च्या साहित्य निर्मणेंत बोली भाशेचो वापर जाल्लो मेळना. तिसवाडी वाठारांतलो समाज जो पुर्तुगेज शेकातळा आशिल्लो तांचो कोंकणी भाशेचेर जाल्लो प्रभाव मात तांचे उतरावळींत आनी म्हणी वाक्प्रचारांनी दिसून येता.

## 2.6 अ.ना.चे कथेंतलो संघर्श

जीण जगपाक दर एकल्याक आपल्या जिवितांत संघर्श करचो पडटा. संघर्शा शिवाय मनशाची जीण अपूर्ण थारता. तश्याच तरेन साहित्य समाजाचें चित्रण करता तेन्ना तातूंत हो संघर्श येवप तितलेंच गरजेचें आसता.

*'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत विठून चावी मेळोवपा खातीर केल्लो संघर्श पळोवन वाकाच्या मनांत असंख्य प्रश्न तयार जातात. विठूल्या तिजोरींत अशें आसलें तरी कितें, जें मेळोवपाक ताणी आपल्या घरच्यांचो जीव खाल्लो. निमाणे कडेन चावी मेळोवपा खातीर तो मुख्यमंत्र्यां मेरेन लेगीत पावलो.  गवेत हे कथेंत लेगीत ह्याच तरेचो संघर्श पळोवपाक मेळटा. गवेत उक्तें जायना म्हूण भिकूदाद आपल्या वळखीच्या लोकांक आपोवन हाडटा मात गवेत उकतें जायना म्हूण तो खंती जाता.

दर खिणाक ह्या समाजांत आपली वळख निर्माण करपाक मनीस आपल्या अस्तिस्तवा कडेन झूंजता. एक नव्या आनी नामना मेळोवपाची आशा आशिल्ल्या बरपोवप्याचो संघर्श '*हांव दिल्लीक कित्याक वेतां तें सांगता'* हे कथेंत आसा. हांगसर निवेदक नामना, इनामां मेळोवपाक स्वाताचो स्वाभिमान कोनश्याक मारता. दर एका पांवड्यार तो स्वताक घाणाक दवरता आनी आपली वळख प्रस्तापीत करता.

गोंय स्वातंत्र्या उपरांत पुर्तुगेज लोक गोंय सोडून पुर्तूगलाक गेले. त्या उपरांत गोंय भारताचो एक वाटो जालें. मुक्त गोंयांत सगळ्या गोंयकारांक स्वातंत्र्य मेळ्ळे. ह्या वेळार शोशीकांक भारत सरकाराच्या कायद्यांचो फायदो जालो. मात सत्तेंत आशिल्ल्यांचें म्हत्व ह्या काळांत उणें जालें. *'एक मिनैर, 220 वावुरपी आनी तांचे युनियन'* हे कथेंत मिनेर आपलें वर्चस्व सांबाळूंक संघर्श करी जाल्यार

कामगार वर्ग आपलें. आपल्या पगारान वाड जावंची म्हूण ते मिनैराच्या म्हण्ण्या प्रमाण वागपाक तयार आसले.

'*सुणो*' हे कथेंत शिमरो नांवाचो भुरगो आसा. तो पुराय कथेंत आपल्या अस्तित्वा कडेन संघर्श करताना दिसता. ताची कूड मनशाची मात वृत्ती एका सुण्याची. ताका सगळें आयतें जाय आसता. ल्हान वंयार ताचो आवय-बापूय भायर पडलो. ताका ताच्या शेजाऱ्यान जोतीं शिंवपाक बसयलो. मात भिकार वृत्तीच्या शिमऱ्यान थंयसावन पळ काडली.

मरणा उपरांत बरीं कर्मां करपी मनीस खंय सर्गान पावता आनी पातकां करप्यांक खंय देव नर्कान घालता. ह्या तरेची मानसीकता आमच्या समाजांत आसा. *'बाबापोरोब सर्गाची पासापोर्त काडटा'* हे कथेंत सर्गांत वचपाक बाबपोरोब धडपडटा. जें सूख ताणें आपल्या जिवितांत भोगलां तेंच ताका मर्णां उपरांत लेगीत अपेक्षीत आसा. देखून तो वेळा पयलीं मरपाक लेगीत तयार आसता.

# प्रकरण तिसरें:

## अ.ना.च्या कथांची समाजीक वेवस्था

3.1 कथेंतलें गोंय आनी गोंयकार

3.2 समाजीक प्रश्न

3.3 राजकीय प्रश्न

3.4 बायल आनी दादलो प्रतिमा

## 3.1 कथेंतलें गोंय आनी गोंयकार

गोंय हें भारतांतले सगळ्यांत सुपुल्लें राज्य. अ.ना. म्हांबऱ्याच्या कथांनी गोंयच्या वेंचीक वांठारांचेर चड भर दिल्या. खास करून पणजी शार. *'पणजी आतां म्हातारी जाल्या...'* हे कथेंत पणजे शाराक आयिल्लें म्हातारपण म्हळ्यार गेल्ल्या काळाची याद करून फुडाराच्या पावलांची सुलूस दिवपी. गोंय हें माणकुलें राज्य आनी पणजे शार ह्या राज्याचें काळीज. ह्या शाराचे वर्णन करताना लेखक पणजेंत आशिल्ल्यो इमारती, संस्था, देवळां-इगर्जो, इतिहासीक संदर्भ आशिल्ले रस्ते लेगीत वाचकांच्या लक्षांत हाडपाक विसरना. पणजेंत आशिल्ली लोकवस्ती. त्या लोकांची जात-कात तशेंच पणजेंत येवपी भोंवडेकारांचें वर्णन करता. तेन्नाचें गोंय आनी आतांचें गोंय हातूंत जायतो फरक तशेंच साम्य आसा.

पणजे तेन्नाय शार आसलें आयजूय आसा. गोंयच्यो म्हत्वाच्यो इमारती, संस्था पणजेंत आसात. पणजे शार स्मार्ट करपाच्या हांवेसांत सरकारान पणजी शाराक अपग्रेड करपाचो वावर हातांत घेतला. मात पणजे शाराक आयिल्लें म्हातारपण आमच्यान पयस करूं येता व्हय? अ.ना.च्या साहित्यांत आयिल्लें पणजे हें गांवमन आशिल्लें शार. पूण आयचें पणजे हें शारीकरणाच्या प्रभावांत आपलें गांवपण वगडावन बशिल्लो वाठार.

अ.ना.च्या कथांचो काळ सादारण 1970-80 ह्या मजगतीचो. ताणें मुक्ती पयलींचें आनी मुक्ती उपरांतचे गोंय ताणें अणभवलां. त्या वेळावयलो गोंयकार ताची विचारसरणी ताणें खूब बारीकसाणेन अणभवल्या आनी आपल्या कथांनी मांडपाचो यत्न केला.

*'देवचाराच्या राज्यांतले कायदे'* हे कथेंत आळशी सभावाचो, सुशेगाद गोंयकार लेखक आकाराक हाडटा. ह्या देंवचाराच्या राज्यांत न्हिदो काडप, काम

चोरी करप, घरा बेकार बसप म्हळ्यार सुखान जगप. गोंयकारांचें गोंयकारपण म्हणटा तेन्ना तातूंत सुसेगाद जगपी गोंयकार येताच. अ.ना. मुंबय रावतालो. मुंबय हें शार धांवता. थंयचें लोक गोंयकारां भाशेन जोड-मोड करीना. ल्हानश्या कुडींत आपली पुराय जीण सारपी थंयचें लोक आपल्या दिसपट्ट्या जिणेंत धडपडटात. मात गोंयांत ह्या तरेचें दृश्य पळोवपाक मेळना. गोंयकार हांगां स्वता सुशेगाद जीण जगतात आनी दुसऱ्यांकूय सुशेगाद जगपाची मेकळीक दितात. लेखक हे कथेंत सुशेगाद गोंयकारांचें चीत्र तयार करून गोंयकारांच्या आळशी सभावाचेक बडी मारता. गोंयच्या समाज, राजकरण, वेपार आनी उद्देगांत आयिल्ले दुर्मीळपण देवचाराच्या राज्यांत दिसता.

*'तुकल्याची तकली तुकल्याक ना'*, हे कथेंतलो तुकलो म्हळ्यार गोंयकार. एक गोंयकार सदांच दोन तरांनी चितपाचो यत्न करता म्हूण तो फटावता. मागीर तो राजकारणान आसू, समाजकारणान आसूं वा भाशीक हक्कानी आसूं. तकल्यो दोनूय ताच्योच मात ताची वळख करून घेवपाक तो हेरांकडेन वयता तेन्ना स्वताची फकाणां करून घेता. लोक ताचेर हांसतात, ताचीं हीं पिशेपणां पळोवन ताका पिश्यांत काडपाचो यत्न करतात. आनी स्वताचो हेत सादपाचो प्रयत्न करतात.

धर्म, जात, कात हें संवसारीक प्रश्न. मनीस ह्या घटकांचेर आपलें वर्गीकरण करता आनी मनीसपणाची हत्या करपाक प्रवृत्त जाता. वेगवेगळ्या समाजाचे लोक वेगवेगळे मुद्दे घेवन झगडटात. गोंयच्या इतिहासाचेर लक्ष घालीत जाल्यार गोंयचेर शिलाहर, कदंब, सारक्या राजवटीनी सत्ता मेळयली. हांचो प्रभाव गोंयच्या समाजाचेर पडलो जो धोडो-भोव प्रमाणांत आयजूनूय गोंयच्या समाजांत आनी संवस्कृतायेन दिसून येता. 1510 वर्सा गोंयचेर पुर्तुगेजांनी सत्ता मेळयली.

तांच्यांनी एकूण 451 वर्सां गोंयकारांचेर राज्य केलें. तांच्यानी हिंदू लोकांक बाटोवन क्रिस्तांव केले. गोंयचेर सत्ता गाजोवपी ह्या सत्ताधारींच्या पुर्तुगेज भास आनी संस्कृताय गोंयकारांचेर थापली. हें करपाक तांणी जायती धोरणां आपणायलीं. गोंयकारांचेर ह्या पुर्तुगाली संस्कृतायेचो जायतो तेप प्रभाव पडलो. गोंय मुक्त जाल्या उपरांत पुर्तुगेज पुर्तुगालाक पावले आनी गोंयांत वेग-वेगळ्या वृत्तीचे लोक तयार जाले. कांय जाण स्वतंत्र गोंयांत स्वतंत्रपणान जगपाक मेळटा म्हूण खोशी आसले, गोंय स्वतंत्र्याचो कांय जाणांक फरक लेगीत पडलो ना आनी तातूंत कांय जाण अशेंय आसले जे पुर्तुगाली सरकाराच्या खुस्तार मिरोवपी लोक आसले. *'पुर्तुगाली प्रोफसोर देसायाली कथा'* हे कथेंत आयिल्लो प्रोफसोर हो ह्याच लोकांचे प्रतिनिधित्व करता. गोंयांत रावन लेगीत पुर्तुगेज संस्कृतायेकडेन ताका आपलेपण दिसतालें. ताका पुर्तूगाल, थंयचे लोक, पुर्तुगेज सरकार आनी पुर्तुगेज भास-भेस मानवताले. पुर्तुगेज गोंय सोडून गेल्ल्यान प्रोफसोर देसाया सारके अशे कितलेशेच लोक निर्शेल्ले आनी नव्या गोंय सरकाराक वाजेल्ले, तांचें रडगाणे आमकां हे कथेंत मेळटा. हे कथेंत एक प्रसंग आयला तातूंत प्रोफसोर उपाशीं आसता. ताची दोन कारणां लेखक दिता. "एक म्हळयार पुर्तुगेज गेल्ल्याचें दुख्ख. दुसरें म्हळयार नव्या सरकाराचें अन्न." ही आसली त्या काळावयली समाजाची वृत्ती. त्या काळार कांय लोकांक पुर्तुगाली लोक गेल्याचें भंयकर दुख्ख जाल्लें. थंयच तांकां नव्या सरकाराचीं धोरणां पचनासलीं.

*'बाबपोरोब सर्गाची पासापोर्त काडटा'* हे कथेंत बाबपोरोब अर्ज भरताना 29व्या प्रश्नांक जाप बरयता तीय ह्याच प्रवृत्तिच्या लोकांचेर बोट दवरता. *"29. तुमगेल्या जिवीतांतलो सगल्यांत चड खोश्शेचो /दुख्खाचो खीण खंयचो तो सांगात.- सालाझार गोंय सोडून गेलो हो म्हज्या जिवितांतलो सगल्यांत चड दुख्खाचो खीण. ओपिनियन पोलांत पानकार जिखले, फुलकार मेले हो तितलोच*

*खोश्शेचो खीण."* इतली बाबत विचारसरणी घेवन गोंयकार जगताले म्हणपाचें वाचतल्याक अजाप जाता..

गोंय राज्य ल्हान आशिल्लायन गोंयचो समाज ल्हान आनी ताका लागून गोंयांत वेव्हार करताना लेखक कांय गजाली सांगता. *'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत विठू चावी सांडली म्हूण मुखेलमंत्र्याच्या घरांत पावता. *'पणजी आतां म्हातारी जाल्या...'* हातूंत लेखक म्हणटा फेरी उसरां आसल्यार कोणेय पलासीत वचून मुखेलमंत्र्याक भेट दिव येता. लेखकाच्या ह्या निरीक्षणाक खरींच दाद दिवची पडटली. गोंयांत जशें मंत्री आमकां सहज दिसतात. तशें हेर राज्यांनी जायना. गोंयांत एक म्हण बरींच फामाद आसा. काणकोणाच्या शिंकल्यार आवाज पेडण्या मेरेन पावता. इतलें ल्हान हें गोंय.

गोंयच्या भांगराळ्या फुडाराचीं सोपना दाखोवपी जायते आसात मात ते प्रत्यक्षांत कसलोच वावर करिनात. हाची उत्कृश्ट देख म्हळ्यार *'व्यास चॅन्सलराची व्यथा'* नव्यान बांदिल्ल्या गोंय विद्यापिठाचो नवोदीत कूलगुरू आयलें-पयलें कांयच पळयनासताना गोंय विद्यापीठ आनी विद्यार्थ्यां खातीर व्हडलीं-व्हडलीं सपनां रंगयता. ताची सपनांची यादी तो पत्रकारांक भेटयता. ताका पत्रकार साबार प्रश्न करतात आनी तो ते सहज टाळटा. आपूण पळयता तीं सपनां पुराय कशीं करप हाची ताका मात्तूय चिंता ना. मात स्वताच्या गाबिनेतीत जेन्ना एअर कंडिशनर बसोवंक मेळपाचो ना हें ताका समजलें तेन्ना ताका आपल्या फुडाराचो अदीक हुसको जाता.

## 3.2 समाजीक प्रश्न

मनीस सदांच समाजाच्या केंद्रस्थानार आसता. ताचे सरभोंवतणी ताच्या सवलती खातीर सगळो वेव्हार चलता. समाजांत जावपी दर एक बदल हो मनशाक धरून जाता. जसो मनीस आसतलो तसो समाज तयार जातलो ही गजाल आमी न्हयकारू जायना.

तत्कालीन समाजांत शिक्षणाक फावो सारकें म्हत्व नासलें. लोकां कडेन भाटां-भेसां, कुळागरां, शेतां आशिल्ल्यान लोकांक कसलीच चिंता नासली. आनी ह्या पांरपारीक वेवसायाक लागून शिक्षणाक दुय्यम म्हत्व फावो जालें. शिक्षण नाशिल्ल्यान कुटूंबीक वेवस्थेचें अज्ञान समाजांत आसलें. हाची देख म्हळ्यार, *'बाबपोरोब सर्गाची पासापोर्त काडटा'* हे कथेंतलो बाबपोरोब जेन्ना सर्गाचे पासपोर्ताचो अर्ज भरता तेन्ना आपल्या भुरग्यांची थोडक्यांत वळख करून दिता. *"10. भुरग्यांचीं (आसात/गेल्यांत तांची) नांवां, वेवसाय:-धा भुरग्यांतलीं सद्या तिगां उल्ल्यांत. गेल्यांत तीं सगलीं नांवां दवरपाच्या पयलीच गेलीं. उल्लेल्यांची खबर अशी: (अ) मर्तो. व्हडलो. वीस वर्सांचो. आलेमपेड्डेर (ब)पोबूलो. दुसरो. इकुणीस वर्सांचो. तवनास. (क) मोगरें. तिसरें. अठरा वर्सांचें. शाळेंत वेता. लाग मारूंक शिकता"*

म्हळ्यार बाबपोरोबाचे वंय साठ आनी ताका धा भुरगीं. ताचो व्हडलो पूत 20 वर्साचो आनी धाकली धूव शाळेंत वचपी म्हळ्यार ल्हन पिरायेची. ह्याच तरेंचे पात्र 'भावोजी मेलो' हे कथेंतलो भावोजी. ह्या भावोजीच्या लग्नाक 5 वर्सां जाल्लीं थंय ताका भुरगींय पांच आसलीं. म्हळ्यार दर वर्साक एक भुरगें. हीच त्या काळा वयली परिस्थिती आसली.

कोंकणी-मराठी वाद हो गोंयच्या राजकरणांत आपलीं मुळां पयलीं सावन घट करून आसा. अ.ना.म्हांबरो हो कोंकणी भाशेचो पूत. कोंकणी भाशेच्या वावरांत ताणें जायतें योगदान दिला. आपल्या साहित्यांतल्यान लेगीत ताणें गोंयांत चलपी हो भाशावाद लोकांच्या नदरे मुखार हाडपाचो प्रयत्न केलो.

एका काळार गोंयच्या बँकांनी जायतीं पदां गोंयकारां खातीर रिकामी आसली. आनी देखून आपल्या भुरग्याक बरें काम मेळचें ह्या हावेसान लोक आपल्या भुरग्यांक वाणिज्य हो विशय घेवन शिकपाक लायताले. थंयच कांय जाण आपलो आसा तो धंदो मुखार व्हरपाक भुरग्यांच्या भुजार घराची जवाबदारी सोंपयताले आनी त्या प्रमाणें तांकां शिक्षण दिताले. देखीक, दोगजाणांनी एक वेपार केलो ताची काणी हे कथेंल्या वेपाऱ्याचो बापूय, आजो, पणजो वेपारी आसले. शेजाऱ्यांलीं भुरगीं करता म्हूण

*'एक सरकारी ऑफीस'* हे कथेंत शिक्षण आनी शिर्वीस ह्या दोनूय गजालींचेर लेखक बरयता. सरकारी ऑफीसांत काम करपी कांय लोक बरी परिस्थिती  आशिल्ल्यान बरें शिकपाक पाविल्ले म्हूण तांका शिर्वीस मेळटा. मात तंच्या मदीं कांय लोक फावोरान शिर्विशीक लागिल्ले आसले. मात ह्या सगळ्या सरकारी कामगारांची बुद्द एक सारकीच अशें निवेदक सांगता. हें बरोवपा फाटल्यान लेखक कितें सांगपाक सेदता तें साप्प सोपें आसा. समाजांत सरकारी नोकरे खातीर युवा तरनाटीं भुरगीं तळमळटात. कांय बरीं शिकून थंय पावतात जाल्यार कांय आमदारांचे पांय चाटून. मात ह्या सरकारी वातावरणांत जी आळसाय पातळ्ळ्या ती ह्या कामगारांची बुद्द भ्रश्ट करपाक मात लेगीत वेळ काडिना. सरकारी कामगार कामचोर जातात हें सांगपाचो यत्न अ.ना. करता.

गोंय स्वातंत्र्या उपरांत जायत्या लोकांनी मेळून गोंयात मिना खणीचे फोंड खणले. *'एक मिनैर, 220 वावुरपी आनी तांचे युनियन'* हे कथेंत मिना खणीचेर जगपी लोकांची जीण चित्रावपाचो लेखक यत्न करता. ह्या मिना खणींचो मिनैर शारांत रावपी ताचे ऑफीस लेगीत शारांत. मात ताच्यो व्हडल्यो मिना खणी गांवांत. हे खणीचेर काम करपी कामदार पयशेकार आसतात. दर एकल्या कडेन घर-दार, नव्यो मोटारी, नवें कपडे आसता. तांची भुरगीं उच्च दर्ज्यांचें शिक्षण घेतात. अशें चित्रण आमकां हे कथेंत मेळटा. तत्कालीन समाजाचो हो वर्ग पुरायपणान मिना खणींचेर निंबून आशिल्लो. मिना खणी बंद पडिल्ल्यान ह्या लोकांचें आयज जे हाल जाल्यात ते पळोंव नजो जाता.

*'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत विठूच्या चावयेची वासपूस करपाक आयिल्लो पुलीस *'रामराज्यांतलो पुलीस'* अश्या तरेचो संदर्भ मेळटा. राम हो हिंदू समाजांतलो एक आदर्श पुरूश. तो अयोध्देचो राजा आसलो. ताचें राज्य सूख समृध्दीचें राज्य आसलें. सगळे लोक मोगान एकवटान ह्या राज्यांत रावताले. देखून ताचे राज्य एक आदर्श थारता. गोंयांच त्या वेळार भाहु बांदोडकाराचें सरकार राज्य करतालें हें कथेंत सुरवातेकूच लेखक खूब सूचक पद्दतीन सांगता. घडणूक थळार पुलीस केन्नाच वेळार पावनात हे तरेचो नकारात्मक सूर आमकां समाजांत मेळटा. मात विठूची चावी सांडली तेन्ना जनतेचो चाकर पुलीस विठूल्या घराच्या दारांत येवन उबो रावता. देखून तो हांगा हें विधान करता.

*'तुकल्याची तकली तुकल्याक ना'* हे कथेंतलो तुकलो हो एका गोंयकाराचे प्रतिनीधीत्व करता. आपली तकली साणल्या म्हूण तो लोकांकडेन आपल्या तकलेची चवकशी करीत फावटी मारता. एका प्रसंगांत तुकलो सचिवालयांत पावता.

थंय आपली तकली सांडिल्ल्याची गजाल तो अधिकाऱ्यांक सांगता आनी अधिकारी ताका स्किमी सांगतात.

एका बरोवप्याचें आपलें अशें खास अस्तीत्व आसता. ताच्या बरपांतल्यान हें वगळेपण वाचकां मेरेन पावता आनी तो एक लेखक म्हूण घडटा. मात *'हांव दिल्लीक वतां'* हे कथेंत आयल्ल्या लेखकाक आनी ताच्या विचारांक संपादकांनी आपल्या पांया पोनाक मसतून उडयल्यात. ह्या बरोवप्याक आपल्या बरपाचेर विश्वास ना. देखून तो स्वताचें अस्तीत्व सोपोवन लोकांक जाय तशें रूप घेवपाक प्रवृत्त जाता. एका बरोवप्याचें काम आसता समाजाक मार्गदर्शन करप. समाजाचें यथार्थ दर्शन आपल्या साहित्यांतल्यान करप मात हो बरपी फकत नामना आनी पुरस्कार मेळोवपाक आपली कूड लोकांक विकून दिता. लेखकाक स्वाता हें अणभव आयिल्ले आसूं येता. तांच्या साहित्या संदर्भान तांका वेग-वेगळ्या संपादकांनी दिल्ले सल्ले लेखक 'पणजी जाली म्हातारी' ह्या कथा संग्रहाच्या सुरवातेक मांडटा. ताणें स्वता आपल्या साहित्या वांगडा केन्ना तडजोड केली ना. म्हण तांचे साहित्य हेरां परस वेगळें म्हणपाचो मान मेळयता.

## 3.3 राजकीय प्रश्न

खंयच्याय देशाचो इतिहास ताची वेवस्था, त्या प्रांताचो समाज घडोवपाक म्हत्वाचो थारता. एका काळार राजा राज्य करताले आतां आमदार करतात. तेन्ना राजा प्रजा आसली आतां मुख्यमंत्र्या सयत चाळीस जाण गोंय लुटपाक बसल्यात.

विठ्ठली चावी सांडली हे कथेंत गोंयच्या पयल्या मुखेलमंत्रीचो संदर्भ आमकां मेळटा. भाऊ बांदोडकार लोकांक सामको लागीं आशिल्लो. तो उतरा पावलाक लोकांक पावतालो. मात लोक ताच्या ह्या सभावाचो फायदो घेताले आनी ताका नाडटाले. हे कथेंत ताच्या ह्या दानी वृत्तीचेर लेखक बडी मारता.

एका सामान्यय मनशाची असामान्य काणी हे कथेंतल्या मुखेल पात्राच्या बापायची मरणाची खबर सांगताना अ.ना. अमेरिकेच्या राजकारणाचो संदर्भ दिवन वयता. कथेंतलो नायक आपल्या 18व्या प्रकरणांत म्हण्टा, अमेरिकेच्या प्रेसिडेंट निक्सनाक थंयच्या लोकांनी निखळायला तेदोस म्हज्या बापायक पयलो आताक आयलो. निक्सनाक काडून उडयलो हाचें ताका खूब्ब वायट दिसलें. पूण ताका आताक आयलो तो ताका लागून न्हय तर ताचो नाल्लांचो वेपार बसलो म्हणून. मुखार वचून कथेंतलो नायक आपल्या बापायचो मर्णाचो काळ सांगताना भारतांत इंदिरा गांधीन ज्या दिसा एमर्जन्सी लायली त्या दिसा ताचो बापूय भायर पडलो अशें सांगता. अ.ना.ची ही काळ सांगपाची शैली अ.ना.च्या राजकीय मळा वयल्या ताच्या ज्ञानाची गवाय दिता. त्याच वांगडा वाचकांक ह्या दोनूय घडणुकांची याद करून दिता. वेंचणूक जिखपा खातीर निक्सनान डेमोक्रेटीक पार्टेची तयारी पळोवपा खातीर आपल्या हुद्द्याचो गैर वापर केलो. वॉटरगेट नांवाच्या हॉटेलांत त्या वेळावयल्या डिमोक्रेटीक पार्टेचें कार्यालय आसलें. उपरांत हें प्रकरण उक्ताड्यार पडलें. आनी 'वॉटरगेट स्कँडल' ह्या नांवान फामाद जालें. हाका लागून 1974

वर्सा अमेरिकेच्या प्रेसिडेंट निक्सनाक आपलें पद सोडचें पडलें. ह्या काळांत बरोवप्याच्या बापायक पयलो आताक आयलो. भारताची प्रधानमंत्री इंदिरा गांधी आपल्या कार्यकाळांत 25 जून 1975 सावन 21 मार्च 1977 मेरेन नॅश्नल एमर्जंसी लायल्ली. ह्या वेळार नायकाचो बापूय भायर पडलो. ह्याच काळांत गोंयचे पयले मुखेलमंत्री दयानंद बांदोडकार भायर पडले आनी शशिकला काकोडकारान मंत्रीपद सांबाळ्ळें. ही गजाल  सादारण 1977- 1979 ह्या वर्सां मजगती. त्या वेळार नायकाच्या नाल्लाच्या वेपाराक लेगीत मोल आयलें.

अ.ना.ची कथा सांगपाची ही शैली देखदिणी. एक ल्हानशी घडणूक सांगपाक राजकरणाचे तीन पांवडे अ.ना. ह्या वेळार मांडटा. अमेरीकेच्या राजकारणांतल्यान सुरवात करता. उपरांत तो भारताच्या राजकरणार पावता आनी गोंयच्या राजकरणार पावन तो कथेच्या फुडल्या सुत्रांक हातांत घेता. हें करताना अ.ना. खंयच कसलीच फटींगपणां करिना. ताणें सांगिल्ल्या घडणुकांच्या वर्सांची वळेरी अचूक आसा.

अ.ना.च्या कथांनी गोंयच्या राजकारणां संदर्भान एक सूर सुरवाते सावन दिसत आयला. तो म्हळ्यार गोंयच्या राजकरणांत फकत पयशेकारांक सुवात आसा. ताच्या कथांनी येवपी पात्रां ह्या विशयाक परत परत उस्तुपाचो यत्न करतात.

भाऊसाहेब बांदोडकार आनी शशिकला ताई काकोडकाराचे देखीं वयल्यान अ.ना. आपल्या जायत्या कथांनी गोंयच्या फॅमिली राजाचेर बडी मारपाचो यत्न तो करता. बापूय भायर पडल्या उपरांत धूवेक मंत्री जावपाचो भौमान गोंयच्या राजकरणांत मेळोंव येता.

*'देवचाराच्या राज्यांतले कायदे'* हे कथेंत आमदार-मंत्र्यांच्या राज्यांत गोंयचें सर्वसाधारण लोक, सरकारी नोकर, कलाकार हांची वृत्ती, सभाव लेखक चित्रायता. राज्यांतले कायदे मंत्र्यांक फायद्याचे, जे लोकांनी फकत तोंड धांपून पाळपाचे. लोकांक ह्या देंवचारांच्या राज्यांत जाय तें करपाची सूट आसा मात ह्या लोकांनी एक नेम खरपणान पाळप. तो म्हळ्यार मंत्र्यां आड वचप न्हूं. हे कथेंत कथाकार गोंयच्या आळशी सभावाच्या लोकांक हांसत हांसत कुटल्यो घालता. हे कथेच्या शेवटाक तो म्हणटा देंवचारांच्या राज्यांत सुखाच्यो न्हंयो व्हांवूंक लागल्यो आनी जशें गोंयचें राज्य चलता तशें तांचें राज्य चलूंक लागले. म्हळ्यार गोंयचे राजकरणी देंवचार कांय कितें असो प्रश्न वाचकांक पडटा. लोकसंस्कृतीक नदरेन पळयलें जाल्यार देंवचार ही एक अमुर्त संकल्पना.

## 3.4 बायल आनी दादलो प्रतिमा

अ.ना.च्या कथांनी आयिल्ल्या बायल आनी दादलो प्रतिमाचो अभ्यास करताना तत्कालीन समाजाक लक्षांत दवरप गरजेचे. पुरूशप्रदान समाजांत बायलां घरा भायर तितलीं सरनासलीं मात त्याच काळांत कांय बायलां यशाची पावलां मारीत आपलें नांव संवसारभर गाजयताली. त्या काळांत अ.ना.च्या साहित्यांतलो दादलो हो शारांत रावपी. ताका आमदार, मंत्री, सरकार, सरकारी अधिकारी हे सगळे लागतात.

अ.ना.च्या कथांनी बायलां फकत भोग वस्तू जावन पडिल्लीं दिसतात. भुरगें जल्मांक घालप, ताचें पालपोशण धड करीनासताना दुसऱ्या भुरग्यांचें पोट तिचेर येतालें. हाचो अर्थ लग्ना उपरांत तिणें फकत बाळटेर काडीत रावप कांय कितें असो प्रश्न पडटा. आदीं चडशीं बायलां घरांत बाळंत जाताली. घरांत फकत एके वैजिणिच्या आदारान भुरग्यांक जल्माक घालप जातालें. *'एका सामान्य मनशाची असामान्य काणी'* हे काणयेंत पुर्तुगेज गौयांत आसले तेन्ना सर्वसामन्य मनशाक उदक, वीज पुरवण जाय नासली असो संदर्भ मेळटा. अश्या वेळार घरांतल्या सगळ्या कामांची जवाबदारी बायलांचेर आसली आनी तातूंत उदकाची वेवस्था करप लेगीत तांचोच वावर जाल्लो. हो वावर ह्या कथेंल्या नायकाच्या आवयकूय करचो पडिल्लो. अशींच एक दीस बांयच्या उदकाची दोड हाणयेर मारून आनी हातांत कळशी घेवन येता आसताना तिच्या पोटांत जालें आनी घराच्या हुमऱ्यार बशिल्लें कडेन ती बाळंत जाली.

*'एक सरकारी ऑफीस'* हे कथेंत दोन चलयांची खबर कथेचो निवेदक सांगता. तांका पळोवपाक ऑफीसांतले दादले कशे तळमळटात ती गजाल अ.ना. नदरे मुखार हाडटाना. ह्या बायल पात्रांचें रूप आनी तांच्या उलोवपाचेर सांगोड

तयार करता. निवेदक म्हण्टा, एकलें दिसपाक बरें मात उलोवपाक फाटी आनी दुसरें दिसपाक कुरूप आनी उलोवपाक बरें. हे सांगल्या उपरांत निवेदक आनीक एक वळ ताका जोडटा. बरें दिसपी चली अदीं-मंदीं दोळो मारता. हाच्या वयल्यान लेखक त्या अस्तूरेचो चंचल सभाव सूचक पद्दतीन आकाराक हाडटाना दिसता.

अ.ना.च्या कथांनी आयिल्लीं मुखेल दादल्याची पात्रां अरद्या तकलेचीं. हीं पात्रां सर्वसामान्य मनशाची आसात जशीं, विठू, तुकलो, तिब्लू, बाबुली. तशेंच आमदार मंत्र्यांचीय आसात.

*'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत विठूले बायलेचें मनशांक पळोवन रडप हो मनशाचो मूळ सभावगूण. ल्हान भुरगें आपल्याक जेन्ना आपल्या भोंवतणी कोण दिसना तेन्ना तें रडून लोकांचे लक्ष आपल्याचेर ओडून घेता. मनीस हेरांचें लक्ष आपल्याचेर आकर्शीत करपाक संवग करता. जंय माती मोव थंयच खणटात, तशीच ही गत. जंय कोण मातशी काकूट करता. माया दाखयता थंय आपलें दुखणें गावप हो मनशाचो सभाव गूण. खास करून बायलांचो. बायल ही भावूक आसता. ती खोशयेन आसूं वा दुख्खान दोळ्यांतल्यान दुकां मात गळयता. ह्या तेरेचे आदर्श आमकां समाजांत मेळटात.

त्या काळार घरांतली बायलां चड करून जुवान बायलां दादल्या वांगडा मेकळ्यापणान संवाद सादीनासलीं. कथेंत सांडिल्ले चावयेची गजाल, घरांत दादले येतकूच विठू सांगलतालो आनी बायलां येतकूच ताची आवय सांगताली. पुरूशप्रदान समाजांत बायलांक मेकळेपणान उलोवंक मेळनासलें. ही ताची उत्कृश्ट देख. देवळांत चलपी किर्तन विठूक थोमणो मारपी आसलें. जो मनीस ल्हानशी चावी सांबाळू शकना तो आपल्या बायल आनी भुरग्याक कसो सांबाळटलो ही

पुरूशप्रदान समाजाची विचारसरणी. ह्या समाजांत जो दादलो आपल्या बायलेक सांबाळूक पावना तो आपली प्रतिश्ठा साबांळूक पावना असो ताचो अर्थ.

बायलां सदांच शांत सभावाची आशें रूप आमचो समाज तांका दिता. लोकां मुखार लजपी कमी उलोवपी चेडवां ह्या समाजांत बरीं अश्या तरेचो समज आसा. थंयच बायलांच्या तोंडांत कांयच उरना हें आमकां जायत्या खेपेक आयकपाक मेळटा. *'भावोजी मेलो'* हे कथेंत लेखक ह्या बायलांच्या संवादाच्या माध्यमांतल्यान हें चीत्र देळ्यां मुखार तयार करता. हे कथेंली बायलां ज्या तरेन आपलें अनैतीक संबद उगड्यार घालतात. हें सर्वसादारणपणान घडना. बायलांचो रडपाचो सभाव एक एकल्याची इज्जत हांगर उक्ताड्यार उडयता. भावोजीची घरकान्न आपल्या घोवाचें हें कारस्थान आयकून ताका गाळयो संवता. आनी आपल्या मनांतली व्यथा गायता.

अ.ना.च्या कथांनी आयिल्ल्यो समाज शारी आसा. देखून शारी वाठारांत रावपी मनशांचें वर्णन ताच्या कथांनी मेळटा.

# प्रकरण चवथें:

## अ.ना.च्या कथांचे खाशेलपण आनी वेगळेपण

4.1 कथेंत भरशिल्लें हेर साहित्य प्रकार

4.2 अ.ना.च्या कथेंतली मिश्कीलपणां

4.3 अना कथा

4.4 साहित्यीक मोलावणी

## 4.1 कथेंत भरशिल्लें हेर साहित्य प्रकार

अ.ना.म्हांबऱ्याची कथा एके वेगळ्या धाटणेची. ताणे आपल्या कथांक सदळ सोडली. तांचे कथा सांगपाचे तंत्र केन्नाच पारंपारीक कथेच्या चौकटेंत बसलें ना. ताणें आपल्या कथां वांगडा कांय प्रयोग केले जे कोंकणी साहित्याच्या मळार एक वेगळेपण दिवन गेले.

अ.ना.च्या साहित्यांत व्यक्तीचित्रणात्मक बरप आयिल्लें मेळटा. तांची पात्रांचें वर्णन करपाची शैली हाची गवाय आसा. थंयच अ.ना. *'एका सर्वसामान्य मनशाची असामान्य काणी'* , *'पणजी आतां म्हातारी जाली'*, *'एक मंत्र्याची मुलाखत'* ह्या कथांनी आत्मचित्रणात्मक लिखाण करता. हें बरप वास्तवीक नासून त्या-त्या पात्रांचें काल्पनीक वर्णन करपी आसा.

कविता हो आवांठाचे नदरेन सगळ्यांत ल्हान साहित्य प्रकार. कवितेक अलंकारांनी सजयली जाल्यार ती वेगवेगळीं रुपां घेवन वाचप्याच्या मनाचेर परिणाम करता. अ.ना.च्या कथांनी काव्याचे कांय अंश सापडटात. ताचें संवाद अल्पाक्षरी आशिल्ल्यान ते एक काव्यात्मक रुप धारण करून वाचप्या मुखार येतात.

आमी आमच्या जिवीतांत सगळ्यांत पयलीं बरोवपाक सुरवात केली ती निबंदांतल्यान. निबंद हो साहित्यप्रकार लोकांच्या सामान्य ज्ञान आनी थोडो भोव अभ्यासाचेर निबून आसता. ह्या साहित्यप्रकाराच्या माध्यमांतल्यान बरोवपी वाचकाक म्हायती भेटोवपाचो यत्न करता. अ.ना.चे बरप कथनात्मक नासून निबंद वा लेख स्वरूपाचें दिसता, ह्या तरेचो आक्षेप अ.ना.च्या कथांचेर जातात. तांच्या साहित्यांतल्यान वास्तवीकतायेची ऊब मेळटा. तांच्या कथांच्या पात्रांची नांवां वा रूपरेशा लक्षांत घेतली जाल्यार तीं पात्रां वास्तवीक आशिल्ल्यान ह्या

तरेचे आरोप तांच्या साहित्याचेर जाल्यात आसूं येतात. तशेंच अ.ना.न कथा बरयल्यात तो एका वेगळ्या धाटनेच्यो. तातूंत तो आपले अणभव ज्या पद्दतीन भरशिता. ती साहित्यकृती कथा नासून निबंद आशिल्ल्याचें वाचकाक दिसपाक लागता.

नाटकाची सया तांच्या साहित्याचेर दिसता. हाचे मुखेल कारण म्हळ्यार तांच्या कथेंत आयिल्ले संवाद. निखळ संवादाच्या बळग्यार अ.ना. कांय कथा आकाराक हाडटा. देखीक, ‘भावोजी मेलो’ ही कथा नाटकीय रूप घेता. कारण हातूंत फकत संवाद ना जाल्यार तातूंत आस्पावपी पात्रां आप-आपलें संवग करतात. तांच्या संवादाचेर बारीक नदर मारली जाल्यार तातूंत काव्याचें गूण दिसतात. प्रश्न आनी जाप मोजक्याच उतरांची. देखीक, कथेच्या सुरवातेक भावोजी मेया उपरांत तागेले कांय सोयरे धायरे घरच्यांक मेळून येतात आनी खबर घेतात तो प्रसंग लेखक पळयात संवादाच्या माध्यमांतल्यान कसो मांडटात,

*“भावोजी गेलो.*

*हय.*

*सगलेंच अजाप!*

*कसो गेलो?*

*आताकान.*

*आताकान?*

*आताकान.*

*काळजाच्या?*

*हय*

*केन्ना तर?*

*निकतोच.*

*निकतोच?*

*सकाळीं.”*

हांगसर अनुप्रास ह्या अलंकाराचो वापर जाल्लो मेळटा. कांय उतरावळ निखळ विरामचिन्नांच्या आदारान तो वेगळी करता. म्हळ्यार वाचतल्याक तातूंत प्रश्न आनी जापेचो वेगळो उच्चार करचो पडटलो. तेन्नाच अर्थाचें वेगळेपण कळटलें आनी प्रसंगाचो अर्थ वाचकाक स्पश्ट जातलो. ल्हान सान आकाराचे ह्या तरेचे संवांदात्मक निवेदन *‘एक झगडे दोगांचें’* हे कथेंत लेगीत आसपावतात.


ह्या सगळ्या चर्चे वयल्यान अ.ना.न एका तरेचो प्रयोग आपल्या कथांनी केळयल्लो मेळटा. कविता, निबंद, नाटक, व्यक्तिचीत्रणात्मक बरप ताच्या कथांनी आयलां. साहित्यकृती खंयच्या गटांत सरकी बसता हें कळपाक ताचो परिणाम कसो जाता तें पळोवप गरजेंचे. कथा ही एकमुळो परिणाम सादपी साहित्यकृती आशिल्ल्यान अ.ना.च्यो कथा ह्या फासकेंत बसता. रचने वांगडा अ.ना. बऱ्या पैकी खेळटा तशेंच कथेचो गाबो लेगीत सांबाळटा.

## 4.2 अ.ना.च्या कथेंतली मिश्कीलपणां

साहित्याचो परिणाम एक आसता मात त्या साहित्यांतल्यान दोन गजालांचो बोध जाता. ताका आमी दुर्बोध साहित्य म्हणू येता. अ.ना. विनोदी साहित्याची पार्ती करून तांतून विचाराचे पुरण घालून साहित्याची नेवरी करता. अ.ना.च्या साहित्यांत मिश्कीलपणां नदरेक येतात. मिश्कीलपण म्हळ्यार ताचें साहित्य लोकांक हांसयता हांसयता योग्य मनशाची कुतां काडपा सारकें. ताचें साहित्य मुखामळार मंद हांसो फलोवपी. थंयच एकाद्याक विचारांनी उडोवपी. अ.ना.च्यो कथा तशो दिसपाक साद्यो मात वाचतल्याक ताची मिश्कीलपणां असंख्य विचारांनी उडयतात. ताचे एकेच कथेंतल्यान आमी वेगवेगळे अर्थ काडूं शकतात.

अ.ना. एकादी गजाल भोव मेकळ्यांपणान साद्या-सोप्या उतरांनी सांगून वयता. मात ताची बरोवपाची शैलीच वाचकाक घुस्पोवन उडयता. कांय खेपे तो काव्यात्मक बरयता जाल्यार कांय कडेन संवादांनी कथा आकाराक हाडटा.

*'एक सरकारी ऑफीस'* हे कथेंत लेगीत अ.ना.चे मिश्कीलपण दिसता. चलयांक पळोवपी लोकांची खबर निवेदक सांगता ती अशी, *"बॉस त्या चलयांचो फुडो पळेतात. तो पावणो आनी प्यून तांच्यो फाटी पळेतात. हेर आमी जें जें जशें जशें तें तें तशें तशें पळेतात."* हांगसर अ.ना. सत गजाल सांगता. मात ताची सांगपाची शैली वेगळी आसा. तो जे पदत्तीन हें सांगता ताका मिश्कीलपण म्हण्टात.




अ.ना.च्या कथेंतली मिश्कीलपणां ह्या तीन भागांनी मुखेलपणान दिसतात. अ.ना.च्या कथेंतले संवाद मिश्कीलपणांनी भरल्यात. दर एकलो तांचो आपल्या तरेन अर्थ लावपाक शकता.

अना कथांनी मिश्कीलपण संवादांना चड प्रमाणांत मेळटा. ताची थोडी भोव कथानका मिश्कील स्वरूप घेवन येता. पात्रां मिश्कील स्वरूपाची त्या भायर पात्रांत दिल्ली नांवां. तांचें केल्लें चित्रण एका वेगळ्याच तरेची मिश्कीलपणां आकारांत हाडटा.e

अ.ना.च्या निवेदन शैलींत वा ज्या तरेन संवादाच्या माध्यमांतल्यान अ.ना. व्यक्त जाता तातूंत मिश्कील रुप मेळटाच. ही मिश्कीलपणां विनोदी रुपांत लेगीत आयल्यात. अ.ना.सरकारी ऑफीसांत आशिल्ल्या लोकांची वळेरी दिताना म्हण्टा,

*"अमगेल्या ह्या ऑफिसात मनीस, फायली, मेजा, आलमारी असले किकित आसा. बाकीची सरकारी ऑफिरगं खूब व्हड. त्या कोतान आमगेले कांय न्हय म्हणून आमगेल्या आफिसांत फक्कत साडेतीन बोडका आसात अशें लोक*

*म्हणटात हरशी खंयचेच सरकारी काम साडेतीन बोडकांनी जायना. ताका उपयांत उणी पावणेबारा बोडका लागतात. बराबर तितलीच आमगेल्या ऑफिसांत आसात.*

*आतां साडेतीन वय आनी पावणेबारा स्वंय? पुण लोक साडेतीन बोडका कित्याक म्हणटात ताका कारण आसा. खंयचोय भायलो मनीस भितर सल्लो जाल्यार आमच्यांतली साडेतीन खरे म्हळ्यार पावणेचार बोडका ताका आबेर करतात. कित्याक आयिल्लो काय म्हणून विचारतात. होब तुरीले काम करता म्हणून सांगतात आनी ताचेबराबर च्याक भायर सरतात ताचेकडल्यान या घेतात. पुणे उपरांत तागेले काम करिनात देखून आमगेले आफीस ह्या साडेतीन महळ्यार पावणेचार बोडकांखातीर फामाद."*

हांगसर अ.ना.न वापरिल्ली ही मिश्कील शैली वाचकाक भुलयता. घडयाळ्याचो वेळ ज्या तरेन आमी सांगता त्या तरेन सरकारी कामगारांची उपस्थिती सांगपाची ही पद्दत तुस्त करपा सारखी. अ.ना.न ह्या तरेचो आनीक एक प्रयोग एक मिनैर, 220 वावुरपी आनी तांचें युनियन हे कथेंत केला. *"ऑफिसांत २० जाण आसले तांतले ५ लोक शाणे आसले, १५ मिनैराच्या पिशे आसले. (शाण्यांभितर एकलो देडशाणो आसलो"* मिना कंपनीन काम करपी ह्या कामगारांची बुध्द अ.ना. मिश्कीलपणान सांगता.

अ.ना. ज्या पद्दतीन राजकरण आनी समाजीक विशय हाताळटा. तो आपल्या नदरेंतल्यान मंत्री आमदारांचे बारीक निरीक्षण करून तांचें एक लिपील्लें आंग वाचकांक भेटोवपाचो यत्न करता. हीं लिपील्ली आंगा त्या-त्या पात्राचें व्यक्तीगत तशेंच प्रतिनीत्व करपी रूपां मांडटा. जी समजून घेवपाक तत्कालीन वास्तवीक गोंयच्या राजकरणाची आनी समाजाची वळख आसप भोव म्हत्वाची.

जेन्ना हें ज्ञान वाचप्याक नासता तेन्ना अ.ना.ची मश्कील शैली वाचकाक समजाना आनी अ.ना.चो हो प्रयोग फसता.

अ.ना.च्या साहित्यांत आसपावपी हेर मिश्कीलपणां म्हळ्यारूच ताची निवेदन शैली, कथानक आनी माथाळे आनी ताची पात्रां.

*'विठूली चावी सांडली'* हे कथेंत विठू आपल्या चावयेचो सोद घेत एका ज्योतिशा कडेन वयता. थंय तो ज्योतीश ताका जायते प्रश्न करता आनी शेवटाक विठूली चावी दक्षिणेची वाट चलता अशें म्हळें. ताचेर विठू ज्योतीश्याक म्हण्टा, *"पूण तिका पांय ना. ती चलतली कशी?"* विठून हुतहुतेपणान विचारिल्ल्या ह्या प्रश्नाक ज्योतीश आडनदर करता तेन्ना विठू ताका परत प्रश्न करता, *"म्हाका एक सांग, म्हगेली ती चावी सध्या मागिलदाराच्या पोरसांत आसा? गांवचे तारीकडेन आसा? काणकोणच्या तिट्याकडेन आसा? काय कन्याकुमारीक विवेकानंदाच्या यादिस्तीकाकडेन आसा?"* हांगा विठूचो प्रश्न सारको आसा. मात अ.ना.च्या कथेंत हो प्रसंग एक मिश्कील वातावरण निर्माण करता.

*'पुर्तुगाली प्रोफसोर देसायाली कथा'* हे कथेंत निवेदक प्रोफसोराचे चित्रण करताना म्हण्टा, *"प्रोफसोर देसायाचे बुद्दीपरस तागेली पिराय चड सुपिरयोर"* हांगसर अ.ना.चे व्यंगात्मक बरप दिसता.

अ.ना.च्या ह्या मिश्कीलपणांत विनोदाची कांय रुपां आयल्यात तें खरें. मात अ.ना.च्या ह्या कथांक विनोदी कथा म्हणप चुकीचें थारतलें. त्या बदला ह्यो कथा बरोवपाक ताणें विनोदी शैलीचो वापर केला हें म्हणप सारकें जातलें. कारण अ.ना. हांगसर वाचकाक एक वैचारीक बसका भेटोवपाचो यत्न करता.

## 4.3 अना कथा

अरविंद नारायण म्हांबरो कोंकणी कथेच्या मळार एक आगळो वेगळो प्रयोग करपी कथाकार. जाणकारांनी ताच्या नांवां वयल्यान ताच्या साहित्याक नांव दिवपाचें कारण म्हळ्यार तांच्या साहित्यांत आसपावपी वेगळेपण. अ पोंयट ना पोंयट म्हांबरो (अ.ना. म्हांबरो) अशें ताचें नांव बरयतात आनी कोंकणी साहित्य मळार जाल्यार ताची वळख अना म्हणूनूच जाता. ताच्या नांवाचेर आदारीत म्हांबरोछाप कथांचेर चर्चा करता.

अ.ना.च्या कांय कथांनी आमकां कथानकूच दिश्टी पडना. देखी खातीर, *पणजे आतां म्हातारी जाल्या..., देवचाराच्या राज्यांतले कायदे, एका मुख्यमंत्र्याची मुलाखत, एक झगडे दोगांचें* ह्या कथांनी वाचकाचेर एकमुळो परिणाम जाता. देखून ती कथा म्हणप योग्य मात ह्या कथांनी मूळ कथानकाचो आस्पाव जाल्लो मेळना. अ.ना. हांगसर हेर साहित्यप्रकार आपलें कथेंत भरशितना दिसता.

*'एक झगडेः दोगांचें'* हें एक ल्हान घडणुकेचेर आदारीत आसा. दोग जाणांच्या झगड्यांत तिसऱ्याक फावो जाल्लें म्हत्व दिसून येता. एका निर्थक झगड्या वयल्यान ही पुराय कथा आकाराक येता. हे कथेंत सुरवात तशेंच शेवट ना. संवादाच्या आदारान आकाराक आयल्ली ही कथा. हांगसर अ.ना. आपल्या कथेक एक नाटकीय रूप दिता. संवादांचो अर्थ समजाता. मात हांगसर वाचकाक कथानक सोदपाक कुस्तार जाता.

निबंदात्मक रुपांत बरयल्ली*'पणजी आतां म्हातारी जाल्या...'* हे कथेंत लेखक पणजी शाराची वळख करून दिता. पणजी शारांत जायतें पळयलां, सोंसलां. आनी ह्या अणभवांतल्यान तिका जाण्टेपण आयलां. ती दुशीत जाल्या. तिच्यान आतां धड चलपाक जायना. पणजी म्हण्टा तेन्ना वंयान व्हड मात तिका आयिल्लें

म्हातारपण घातकी. हेंच लेखक पणजी शाराक आनी तातूंत रावपी लोकांचो संदर्भ घेवन सांगपाचो यत्न करता. ह्या पुराय कथेंत पणजे आनी तिबलू हें पात्र दिसता. एका वाटेन पणजेचें वर्णन जाल्यार दुसऱ्याकडेन तिब्लूची काणी.

कथाकार हांगसर आपल्या साहित्याचे कथन करता. कथा सांगपाचें तंत्र तेंच दवरता मात कथेच्या पारंपारीक घटकांचीं चौकट तो मोडटा. कथेचे कांय पारंपरीक नेम आसात जे कथेची चौकट थारायतात. कथा ह्या साहित्य प्रकाराचे घटक म्हळ्यार कथानक, पात्रां, हांच्यो कांय मर्यादा आसतात. अ.ना. म्हांबरो ह्यो मर्यादा आपल्या कथेंत आसपावीत करून घेना.

अ.ना.च्या कथांक कथा बीज आसा. ताच्या कथा रचनेची तरा मात वेगळी. ताच्या कथेक सुरवात, मध्य आनी शेवट हांची शीम लागना. तो आपल्या कथेंत प्रसंग भरशिता आनी ताका आपोआप वेगळें रूप फावो जाता.

अ-कथा तंत्र कांय जाणांनी ना जाल्यार वाचकांक तें समजलें. देखून ताच्या कथांक कथांच ना अशें मानप जालें. आनी ना-कथा हें नांव वापरांत येयले. कथेंत कथानक आसपाकूच जाय असो खंयच नेम ना. कथानक फकत एक घटक. मात वाचतल्यान अ.ना.ल्या कथांक अना कथाच म्हूण पळोवच्यो आनी वाचून तांचो आपरोस चाकून घेवचो.

## 4.4 साहित्यीक मोलावणी

अना म्हांबरो एक प्रयोगशील कथाकार ताणें कोंकणी कथेच्या मळार केल्ले प्रयोग तुस्त करपा सारके. कथे भितर हेर साहित्य प्रकारांक भरसून केल्ले हे प्रयोग ताचे दर एके कथेंत मेळटा. मात ताच्या ह्या प्रयोगाचो प्रवाह जावंक पावलो ना. हाचे कारण म्हळ्यार अनाचे साहित्य एका समाजाच्या घटका पुर्तें मर्यादीत उरलां.

अ.ना.च्यो कथा समाजीक आनी राजकीय घडामोडींचेर आदारीत आसात. गोंय आनी गोंयकार हे तांचे आवडीचे विशय आशिल्ल्यान ताणें तांचो वापर ह्या कथांनी केला. अ.ना.च्या कथांनी पुर्तूगेज सरकाराचे समर्थक आशिल्ल्या भिजूड गोंयकारांचे चित्रण मेळटा.

आपल्या साहित्याच्या आदारान अ.ना. गोंयच्या तशेंच वैश्वीक मळावयल्या बरपप्यांचो, विचारवंताचो उल्लेख करता. अशें केल्ल्यान तो वाचकाक एक आगळी वेगळी नदर भेटयता.

अ.ना.च्या कथेंतली पात्रां भौसांत जे पद्दतीन वागतात तश्या पद्दतीन एकादो मनीस केन्ना वागत काय असो प्रश्न वाचकाक पडटा. *'भावोजी मेलो'* हे कथेंत जेन्ना भावोजी कडेन अनैतीक संबद दवरपी बायलां भावोजी मेल्ल्यान आपलें अनैतीक नातें लोकां मुखार गावन दाखयतात तेन्ना अशें खऱ्यानीच जावं येता कांय असो प्रश्न पडटा. लेखक हांगा वास्तव आनी कल्पना हांचो सुमेळ करता. जी गजाल सामाज मानसांत आसा आनी जी लिपचोरयां ह्या समाजांत घोळटा ती अ.ना. आपल्या कथा वरवीं वाचकाक भेटयता.

वास्तव आनी कल्पना हांचो सुमेळ अ.ना.च्या पात्रांनी लेगीत जाला. अ.ना. ज्या पात्रांचो उल्लेख करता ती वास्तवांत आसा. तांच्या वेंचीक अश्या सभावाच्या आधारान अ.ना. एक काल्पनीक विश्व घडयता. देखीक, विठूली चावी सांडली हातूंत भाऊ बांदोडकर.

अ.ना.क राजकीय घडामोडींचें ज्ञान आसलें. मात ग्रामीण जिणेचो, गांवांतल्या मनश्याचो तांच्या दुख्खांचो उल्लेख ताच्या साहित्यांत खंयच मेळना. अ.ना.चे पुराय जिवीत शारांत गेलें. ताचो जल्म पणजी लालसर रायबंदरा जालो आनी कामा निमतान तो मुंबयंत उरलो. देखून ताच्या कथांनी सर्वसाधारण मनीस शारी प्रश्नां कडेन कश्या तरेन पळयता. ताणें केन्ना गांवांचो अणभव घेतलो ना आसूंये. देखून ग्रामीण वाठार, ग्रामीण प्रश्न आनी गांवांचो मनीस ताच्या साहित्यांत पळोवंक मेळना.

# निश्कर्श

लेखक अ.ना. म्हांबरो हांच्या कथांनी कल्पना जायती आयल्या. वास्तवीकतायेच्या धारेर लेखक आपले कल्पनेंतल्यान  कथा फुलयता. लोक ज्यो गजाली लिपयतात त्यो अ.ना. आपल्या कथांनी मांडटा. समाजाचें लिपिल्लें आंग दाखोवपी ह्या लेखकाची कल्पना शक्त खोल आसा.

एखाद्या लेखकाक अणभवा शिवाय अभिव्यक्त जावप तितलें बरें जमना. लेखकाचे अणभव जितले खर आसतले तितलेच ताचे कथेचेर बरें संस्कार जातले. लेखक ज्या समाजांत रावता, ज्या समाजाचो तो एक भाग जावन वावुरता तो ताच्या बरपांत सहज येता. मनीस हो समाजाचो अविभाज्य घटक. मात ह्या समाजांत रावपी दर एकल्याक आपले अणभव मांडपाक येताच अशें ना. लेखक एक संवेदनशील व्यक्ती आशिल्ल्यान ताका आपल्या सरभोंवतणचे गजालींचो अणभव बऱ्यांतलो बरो येता. एक साहित्यकार आशिल्ल्यान तांकां समाजीक बांदलकी अस्वस्थ करता आनी त्या अणभवांतल्यान प्रेरणां घेवन तो आपलें बरप करता.

अ.ना.चो 'अना कथा' हो प्रयोग कोंकणी कथेच्या मळार एका वेगळ्या तरेचो आयाम घेवन येता. मात ताच्या ह्या प्रयोगाची प्रेरणां घेवन कोणें तो आपल्या साहित्यांत मुखार केळयलो ना. मुळांत ताका प्रवाह रूप फावो जालें ना.

अ.ना.चें साहित्य मर्यादीत लोकां मेरेन पावलें आनी मर्यादीत लोकांक ते भावलें. अ.ना.न शाराचें समाजचित्रण, राजकरण आपल्या कथांनी केळयल्लें मात गोंयच्या समाजाचे हेर घटक ताच्या कथेंत आसपावले ना. ताच्या कथेंतलो सर्वसामान्य मनीस लेगीत उद्‌देग चलोवपी. ताच्या कथेंत आयिल्लो संघर्श लेगीत

काल्पनीक रूप घेवन येता. इंदिरा गांधीन लायिल्ल्या एमर्जंन्सीक लागून साधारण लोकांचें जे हाल ताच्या साहित्यांत आयले ना. मात उद्देगीकांचे प्रश्न आयल्यात.

'ऍब्सर्ड' ह्या इंग्लीश उतराचो अर्थ हास्यास्पद वा दुसऱ्या उतरांनी comic. पूण जर अ.ना.च्या कथांकडेन विनोद म्हूण पळय नासताना. ताका एक वैचारीक नदर दिली जाल्यार ताच्यो कांय कथा गोंयच्या भिजूड समाजाचे चित्रण करपी आसात. तत्कालीन गोंयचें राजकरण आनी मंत्री आमदारांची धोंगा-पोंगा सयत चित्रण ताच्या ह्या कथांनी अदी-मदीं मेळटा.

अ.ना.म्हांबऱ्याचो साहित्यीक काळ गोंय स्वातंत्र्या पयली सावन आसलो. ताच्या बरपांत अदीं-मदीं आयिल्ली पुर्तुगेज उतरावळ ह्या काळाची थोडे भोव पद्दतीन जाणविकाय करून दिता. गोंय स्वातंत्र्या उपरांत जायत्या लोकांच्यो अपेक्षा भंग जाल्ल्यो. स्वातंत्र्य गोंयाचीं भांगराळीं सपनां पळोवप्यां मदीं अ.ना.य आसलो. गोंयांत रावनाशिल्लो मात गोंयां भायर रावन लेगीत ताणें गोंयचो विचार सतत आपले लेखणेंतल्यान केळयलो. गोंय, गोंयचो समाज, गोंयकार आनी मुखेलपणान गोंयचें राजकारण हेच अ.ना.चे मूळ विशय आसले. अ.ना.न ह्या सगळ्या गजालींचो प्रत्यक्ष रूपांत अणभव घेतिल्लो. ताका गोंयचीं चिंतनां अस्वस्थ करतालीं आनी देखुनूच तांचे लेखणेक धार आसली. अ.नाचें अस्वस्थ मन बरयतालें तेन्ना ताचे विचार वाचप्याक अस्वस्थ करपीच आसले. अ.ना.ची शैली ताका एक मश्कील रूप दिताली. आनी हाकाच लागून लेखक नेमकें कितें सांगपाक सोदता हें जायत्या वाचप्याक कळपाक कुस्तार जातालें.

अ.ना. वाचन वैशवीक पांवड्या वयलें आशिल्ले. ताणें अणकाराचो वावर लेगीत केला. कितल्योश्योच कथा ताणें कोंकणींत हाडल्यात. कोंकणी विनोदी साहित्यांत भर घालपी हो लेखक वैशवीक पांवड्यावयलें साहित्य वाचतालो. तशेंच

दर्जेदार साहित्याचो आपल्या आवय भाशेंत म्हळ्यार कोंकणींत अणकार करतालो. तांचे लेख आनी कांय अणकारांचे प्रकार कुळागर सारक्या म्हयनाळ्यांनी उजवाडाक आयल्यात. ताणें कांय साहित्यकृतींचेर प्रभावीत जावन लेगीत लिखाण केला. देखीक, ताची *'बँक'* ही कथा इंगलडाच्या स्टीफन लिकॉकचे कथेचेर आदारीत आसा.

अ.ना.च्या कथांनी आयिल्लें जिवीत एका नाजूक सुत्राचेर आसा. आयज जीं शारां जाल्यांत ती गांवांच्या गोबराचेरूच उबीं आसात. हें नाजूक सूत्र म्हणजेच गांवाचें शारीकरण जावपाचो खीण. ताच्या कथांनी गांवांचें लोक मानस आनी लोक जीवन आसा. मात ताच्या भोंवतणचो वांठार पळयत जाल्यार शाराची अनुभुती जाल्या शिवाय रावना. लोकां मदीं एकवट पळोवपाक मेळटा गांवपण पळोवपाक मेळटा. शारांनी कोणाकूच कोणालें पडिल्लें नासता. कोण कोणाच्या मरणाक सोडातूच मात खबरीक सुद्‌दा पावना इतली वायट परिस्थिती जावन पडल्या. हांगसर साधन सुविधा सगळें हातीकडेन मेळटा मात आंतरीक सुखाची अनुभुती हांगसर जावप कठीण. अ.ना.च्या कथांनी आयिल्लें समाज जिवन पुरायपणान शारीय न्हय आनी गांवठीय न्हय. हें जिवन शाराची पावलां मारपी एका गांवांचें अशें दिसता.

अ.ना.च्या कथांचेर अभ्यास करता आसतना कथेच्या पारंपारीक घटकांच्या आधारान तांचो नियाळ घेवप जालें. ह्या वेळार एक गजाल लक्षांत आयली. ती म्हळ्यार अना कथा सगळ्यांच घटकांचें चौकटींत बसताच अश्यो ना. कांय कथांनी निवेदन ना जाल्यार कांय कथांनी फकत संवाद आसात. कांय कथा मुये इतल्या ल्हान विशयाच्यो मात ताचो आवांठ हत्यावरी व्हड.

अ.ना. आपल्या कथांनी गोंयच्या वांठारांचें, समाजाचें, राजकरणाचें वर्णन करता. वर्णन करपाचें तंत्र जरीय आगळें-वेगळें आसलें. तरींय जो मंत्र ताणें आपणायलो तो ताच्या साहित्याक एक वेगळो दर्जो मेळोवन दिता.

अ.ना.चें कथनात्मक साहित्य वाचल्या उपरांत ताचेर अभ्यास करून हांव हो प्रबंद सादर करतां. मुळांत अ.ना.चे साहित्य विश्व समजून घेवपाक म्हाका ताची हेर लिखाणां चाळून घेंवची पडलीं. अ.ना.चें म्हयनाळ्यांनी उजवाडाक आयिल्ले लेख वाचल्या उपरांत ताच्यो कथा समजुपाक एक नदर मेळ्ळी. गोंयच्या समाजीक आनी राजकीय मळाचेर अ.ना.चें बरेंच लिखाण आसा. अ.ना. गोंयां भायर जरींय रावलो तरीय गोंयच्या समाजा कडली ताची नाळ तुटली ना. ती ताणें सतत जपून दवरली.

कथा बरोवपाचें एक तंत्र आसता. लेखकाची आपली अशी एक शैली आसता जी ताच्या बरपाक एक वळख दिता. अ.ना. म्हांबऱ्याची कथा म्हळ्यार म्हांबरोछाप कथा. ताणें कथेन केल्ले प्रयोग भोव आगळे वेगळे हें हांव म्हाज्या अभ्यासांतल्यान सांगतां.

## आदारावळ:

**कोश**


- हळणकर, तानाजी. (संपा.) *कोंकणी विश्वकोश,* खंड- 3, शक्तीनगर, मंगळूर: कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान, 2013
- Ghanekar, Damodar. (editor) Thali, Prakash G. *English-Konkani Dictionary*. 1- Meenakshi bldg. Dr.Wolfango da Silva Marg. Panaji  Rajhauns vitaran, 2015
- Ghanekar, Damodar. (editor) Thali, Prakash G. *Konkani-English Dictionary.* 1- Meenakshi bldg. Dr.Wolfango da Silva Marg. Panaji  Rajhauns vitaran,  Rajhauns vitaran, 2015
- GOOGLE TRANSLATER
- *KONKANI SHABDKOSH* VERSION-3.2.1. Madgao, Goa. Konkani Bhasha Mandal, 2003-2022


**पुस्तकां** :


- चोपडेकार, डॉ. हनुमंत. *मोलावणी.* “कोंकणी साहित्यांतलो विनोद: एक सरियस चिकित्सा” भूमी प्रकाशन, सावर्शे, सत्तरी-गोंय. पान 205-223. (25 डिसेंबर 2021)
- बुडकुले, किरण. *साहित्य नियाळ.* श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय. ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, 4 फेब्रूवारी 1998
- मावजो, दामोदर. साहित्य शिल्प. ‘चिरंतराचो कलात्मक आविश्कार’, *243,* पाटो कॉलनी, पणजी, गोवा कोंकणी अकादमी. 1995

- म्हांबरो, अ.ना. *अनाल्यो अ-कथा आनी हेर साहित्य*, कुळागर प्रकाशन, ऑगस्ट 2007.
- म्हांबरो, अ.ना. *पणजी आतां म्हातारी जाल्या*, पो.बॉ.नं. 78, मडगांव, गोंय. कुळागर प्रकाशन.1985.
- म्हांबरो, अ.ना. (संपा.) *'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा'* मडगांव-गोंय, कोंकणी भाशा मंडळ, 1962-1976
- म्हांबरो, अ.ना. गोंयची अस्मिताय. प्रियोळ, म्हाड्डोळ- गोंय. जाग प्रकाशन, 29 ऑक्टूबर, 1978.
- म्हांबरो, अ.ना. *'कोंबो गेलो तारवार', 243,* पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय. गोवा कोंकणी अकादमी, 2007
- म्हांबरो, अ.ना. *घुमचे कटर् घुम्*, पणजी, गोंय. सोबीत साहित्य, 1964.
- म्हांबरो, अ.ना. *गजालीचें नाटक*, पो.बॉ.नं. 78, मडगांव, गोंय. कुळागर प्रकाशन.1982
- वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, डॉ. माधवी., म्हाळशी कमलाकर. (संपा.) *कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय.* मडगांव गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, 2003.
- धुंगट, मनोहर पै. *कोंकणी म्हणीसागर.* गोवा कोंकणी अकादेमी, बोरी, फोंडें, गोंय, डिसेंबर-2003.
- De lima, Edward. *Influence of Portuguese vocabulary on Konkani language.* Vikram publications 515, limavaddo, Porvorim, Bardez, Goa- 403501. ISBN-978-81-920574-6-0 (2014)

- Influences of Konkani: textual approach (part3), *Govapuri*. Oct-dec, 2013.
- Sardessai, Dr. Manoharrai. *A history of Konkani literature*

म्हयनाळीं/ दिसाळीं

- पवार, डॉ. राजय. *कुळागर* (दिवाळी अंक): “कोंकणींतलें विनोदी साहित्य”. (1996) (पान:4)
- मावजो, दमोदर. *कुळागर* : ‘कथा- एक नियाळ’, पो.बॉ.नं. 78, मडगांव, गोंय. कुळागर प्रकाशन. एप्रील, 1989
- मावजो, दामोदर. *कुळागर* : ‘पणजी आतां म्हातारी जाल्या’ पो.बॉ.नं. 78, मडगांव, गोंय. कुळागर प्रकाशन. ऑगस्ट, 1985
- म्हांबरो, अ.ना. *कुळागर* : ‘गजाली’ पो.बॉ.नं. 78, मडगांव, गोंय. कुळागर प्रकाशन. ऑगस्ट, 1985
- सरदेसाय, माधवी. संपा. *जाग.* ‘नर्मविनोदाचो पासशा- अना म्हांबरो’, ‘अना कथा’, अना नांवाचो अरविंद नारायण म्हांबरो: एक तिरसुवादीक गोंयकार...!”. जाग म्हयनाळें, 201-बी, सालदॅल अपार्टमॅन्टस्, रूअ द साउदादिश, पाजीफोंड, मडगांव-गोंय. (ऑक्टोबर 2013)
- बोरकार, सखाराम शेणवी. *कोंकणी* (दिवाळी अंक) ‘कोंकणी भाशेंत रिगील्लीं पुर्तूगेज उतरां’ (1997) (पान 93-96)
- *सुनाप्रांत* (10 एप्रील 2013)

**संकेत थळां**


- HISTORY OF PANAJI https://imaginepanaji.com/about-smart-city-2/
- https://scroll.in/article/979070/remembering-salazar-the-portuguese-dictator-who-refused-to-die-or-depart-from-goa-with-dignity (Salazar)
- https://www.hindustantimes.com/india-news/june-25-on-this-day-in-1975-indira-gandhi-imposed-the-emergency-what-remains-of-its-legacy-101624589306289.html (National Emergency)
- https://navbharattimes.indiatimes.com/world/america/new-watergate-scandal-in-us-what-did-donald-trump-do-that-created-ruckus-in-us-politics-know-richard-nixon-connection/amp_articleshow/80138518.cms (watergate scandal)
- https://en.m.wikipedia.org/wiki/Watergate_scandal (watergate scandal)
- https://mr.vikaspedia.in/education/93893e93993f92494d92f93e93593f93792f940-93893094d93591593e939940/93893e93993f92494d92f93e91a947-92a94d93091593e930/93593f92894b926 (reffered on 20 May 2022)

# परिशिश्ट 1: अरविंद नारायण म्हांबरो



पुराय नांव: अरविन्द नारायण म्हांबरो

साहित्यीक नांव: अ.ना. म्हांबरो


जल्म तारीख: 4 ऑक्टोबर 1937


जल्म गांव: तिसवाडी म्हालांतल्या रायबंदर गांवांत


मरण: 9 एप्रील 2013





# परिशिश्ट 2: अ.ना.च्यो प्रकाशीत साहित्यकृती













गजालींचें नाटक
–अना म्हांबरो



स्वतंत्र गोंयांतली
कोंकणी कथा
कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय
संपादपी: अना म्हांबरो






अनाल्यो अ–कथा
आनी हेर साहित्य
अना म्हांबरो
कुळागर प्रकाशन

# परिशिश्ट 3: अ.ना.क साहित्यीकांची उतरांजली


दुखेस्त मरण

अरविंद नारायण म्हांबरो (अना)


हे ९ एप्रील २०१३ दिसा संवसाराक अंतरले

पूत गौतम, सोयरीं आनी इश्टांक तांच्या मरणाचें दुखख भोगता

उपकार करून कोणेय पाचारूक येवचें न्हय.

*सुनाप्रांत दिसाळें*

जाग म्हयन्याळ्यांत
अ.ना.म्हांबऱ्याच्या यादींत
उजवाडाक हाडिल्लो खास
2013चो दिवाळी अंक.



## मानेस्तांच्यो प्रतिक्रिया

### दामोदर मावजो



अना म्हांबरो भायर पडले तें आयकून खरेंच दिसलें ना. तांचे कडेन म्हजो निमणे मेरेन संपर्क आशिल्लो. हांव मुंबय शिकलां. म्हज्या कॉलेजीच्या दिसांनी ते 'कोंकणी' हें नेमाळें चलयताले. कोंकणींत तांणी भर घाल्या ती मोलादीक. तांचें साहित्य हें 'फायचें साहित्य'. तें आताचें पिळगे खातीर आसाच, पूण फायचे पिळगे खातीरूय आसा. चिरंतन अशें हें साहित्य. तांचें मिश्किल साहित्य फायच्या पिळग्यांक प्रेरणा दीत रावतलें. आपल्या व्यंगात्मक साहित्या वरवीं तांणी गोंयचे सामाजीक, राजकी परिस्थितीचें दस्ताऐवजीकरण (डॉक्युमेंटेशन) केलां. ह्या वावराक एक आगळें वेगळें म्हत्व आसा. अनाबाबालो लोकसंग्रह व्हडलो आशिल्लो. विद्यार्थ्यांक कशे प्रेरीत करप हें तांकां खबर आशिल्लें. तांच्या हाता खाला हांव खूब शिकलां. तांचें वाचन आकांताचें. कोंकणी, मराठी, हिंदी, इंग्लिश साहित्य तांणी खूब प्रमाणांत वाचलां.

### उदय भेंब्रे



अना म्हांबरो आमकां खूब लागींचो. कोंकणी चळवळीक तांणी योगदान दिलां. मुंबय कॉलेजीच्या दिसांनी तांणी 'कोंकणी' नेमाळ्याचें संपादन केल्लें. ह्या नेमाळ्याक लागून कोंकणी चळवळ फुल्ली. तांचें साहित्य मिश्किल, खास करून उपहासात्मक, दुखनासतना चिमटे काडपी. अनाबाब अभ्यासू वृत्तीचो, हुशार. कोंकणी साहित्य, संस्कृतायेच्यो जितल्यो कार्यावळी मुंबय जाताल्यो तातूंत तांचो सक्रीय वांटो आसतालो. कोंकणी संस्थां कडेनूय ते लागींचो संबंद दवरून आशिल्ले. तांच्या 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' पुस्तकाक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळा. महाराष्ट्र सरकारान पसून तांचो भोवमान केला. तांकां वाचनाची आवड आशिल्ली. हालीं भलायकेच्या कारणाक लागून आमचें मेळप उणें जाल्लें. मुंबय वतालो तेन्ना तांचो संपर्क येतालो. मेळटकच हास्यविनोद करून उलयतालो. तांच्या सहवासांत वेळ केन्ना वतालो तेंच कळनाशिल्लें. तांकां म्हजीं आगां.

### अरविंद भाटीकार



अना आमचे बरोबरचो. आमचो लागींचो इश्ट. अर्थशास्त्र घेवन तांणी एमए केल्या. 1958-59 वर्सां मुंबय कॉलेजींत शिकतना तांणी कोंकणीची खूब सेवा केल्या. तांचो सभाव तसो चळवळी न्हय, तर शांत, अभ्यासू, थंड. तांचें साहित्य एकदां वाचलें काय परत परत वाचपाची उमळशीक लागता. 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' हें आनी तांचीं हेर पुस्तकां हांवें खूब फावटीं वाचल्यांत. एकदां हातांत घेतलें काय तांचें पुस्तक सोडीन दिसना. तांच्या साहित्यांत तांचो मिश्कील सभाव झळकता. तांचें निरिक्षण बरें आशिल्लें. ताचो प्रभाव ताच्या साहित्याचेर पडिल्लो पळोवंक मेळटा. ते टाटा कंपनींत काम करताले. जे आर डी टाटांच्या पत्रांचें संपादन तांणी केलां. इंग्लिशींत तांणी खूब पुस्तकांचें संपादन केलां. तांच्या मरणान हांव एका लागींच्या इश्टाक मुकलां.

### नागेश करमली



अना गेलो तें आयकून मन सुन्न जालें. कोंकणींतलो हो विनम्र, श्रेश्ठ, दर्जेदार साहित्यीक. गोंय मुक्ती पयलीं आनी स्वातंत्र्याच्या काळांत कोंकणीच्या पुनरुथ्थानाचें कार्य जांणी केलें तातूंतलो अना एक म्हालगडो. तांची पुराय जीण मुंबयंत गेली. तांणी पुराय आयुश्यांत प्रामाणीकपणान कोंकणीची, कोंकणी साहित्याची सेवा केली. व्यासपीठार उबे रावपी ते नाशिल्ले. पूण तांची ग्रहणशक्ती, निरिक्षण शक्ती आकांताची आशिल्ली. तांणी ताचो वापर आपल्या लिखाणांत केलो. तांचें साहित्य मर्म विनोदी. तांचें लिखाण खंयच्याय नेमाळ्यांत आयलां जाल्यार नेमाळें वाचपी वाचक तो लेख वा कथा पयलीं वाचतालो. तांचें मिश्कील लिखाण वाचून मनांतल्या मनांत खातकुतल्यो जाताल्यो. तांचे तांकीचो लेखक अजून तरी जावंक ना.

ते सतत कामांत आसताले. गोंय, गोंयकार, हांगाचीं व्यक्तीमत्वां नदरे मुखार दवरून तांणी लिखाण केलें. ते श्रेश्ठ वाचक आशिल्ले. संवसारीक पांवड्या वयलें इंग्लिश आनी हेर भासांतलें साहित्य तांणी वांचलां. ताचो अभ्यास केला. ते गोंयां येताले तेन्ना आमी मेळटाले. साहित्याचेर भासाभास करताले. निमणे मेरेन ते बरयत रावले. तांच्या मरणान एक दर्जेदार, विनम्र साहित्यीक आमचे मदल्यान ना जाला.

■ दवरण्यांचेर

### शीला कोळंबकार



अनाबाब सामके विद्वान आनी व्यासंगी मनीस आशिल्ले. साहित्याच्या सगळ्या प्रकाराचीं तांकां आवड आशिल्ली. मागीर ती कथा, कविता जावं, कादंबरी, नाटक. मात तांकां सगळ्यांत चड आवडटाली ती आपजीण आनी तत्वज्ञानाचीं पुस्तकां. अनाचेच भाशेंत सांगचें जाल्यार 'तो हें सगळें मरसर वाचतालो'. कोंकणी निकतीच वयर सरताली तेन्ना तांणी मुंबय रावन कोंकणीची निरपेक्ष सेवा केली. आकाशवाणीच्या मुंबय केंद्रांच्या कोंकणी विभागाक तांणी खूब योगदान दिलां. कोंकणी कडल्यान कसलीच अपेक्षा दवरिनासतना तांणी काम केलें. साहित्य संमेलनाचें अध्यक्षपद्य तांणी न्हयकारलें. तांची कोंकणी विशींची आत्मियता तोखणायेची. आमी फोनाचेर कोंकणी मळा वयल्या घडामोडीं विशीं उलयतालीं. तांच्या मरणान मुंबयंत आशिल्लो कोंकणीचो एक धागो तुटला. म्हजो इश्ट गेलो. तांच्या मरणाची खबर आयकली आनी काळजांत चर्र जालें.

### माधवी सरदेसाय



अनान कोंकणीक खूब वयल्या पांवड्याचें आनी वेगळेच तरेचें विनोदी साहित्य दिलां. कोंकणी कथेकूय तांणी आगळी वेगळी 'अना-कथा' दिल्या. एकमेवाद्वितीय असो हो कोंकणी बरोवपी. कोंकणी चळवळीच्या एका काळाचो हो गवाय. म्हजो तांचे कडेन भुरगेंपणा सावन संबंद आसा. एक घरचोच मनीस गेल्ल्याचें दुख्ख आज म्हाका जालां.

# अना म्हांबरो हांच्या मरणाचें साबार संस्थाक दुख्ख

## गोवा कोंकणी अकादेमी

नामनेचे कोंकणी कथाकार आनी केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतवंत लेखक अरविंद ना म्हांबरे उर्फ अना म्हांबरो हांच्या मरणाचेर गोवा कोंकणी अकादेमीन दुख्ख उक्तायलां. गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष पुंडलीक ना नायक हांणी अना म्हांबरे हांकां ह्या पत्रका वरवीं आर्गां ओंपल्यांत.

कोंकणी कथेंत आपणाले आगळें- वेगळें शैलीन स्वताचो असो वाचकवर्ग निर्माण करपी ते लेखक आशिल्ले. तांचो जल्म आनी भुरगेंपण गोंयांत गेलें खरें पूण नोकरी- वेवसाया खातीर ते मुंबयंतूच स्थायीक जाल्ले. पूण तांच्या साहित्याचे विशय, व्यक्तीरेखा, वातावरण हें सगळें गोंयचेच आशिल्लें. कथा, निबंद, नाटक हे साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार हाताळ्ळे तरी कोंकणी साहित्याच्या संवसारांत 'अना शैली'चो कथाकार अशीच तांची वाचप्यां मदीं वळख आशिल्ली. प्रतिश्ठेचो असो साहित्य अकादेमी पुरस्कार तांकां तांच्या 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' ह्या कथा झेल्या खातीरूच लाबिल्लो अशें पत्रकांत म्हणलां.

गोंय सरकारान गोवा कोंकणी अकादेमीची स्थापना करून सर्गेस्त पुरुषोत्तम काकोडकार हांचे अध्यक्षते खाला जें कार्यकारी आनी सर्वसादारण मंडळ घडयलें, त्या मंडळाचे ते वांगडी आशिल्ले. हें मंडळ एकूण णव वर्सां कार्यरत उरलें.

त्या काळार तांच्या भोवमोलादीक अश्या विचारांचो अकादेमीक लाब जालो अशें निमाणे कडेन पत्रकांत श्री नायक हांणी म्हणलां.

## कोंकणी भाशा मंडळ

आपले आगळे वेगळे शैलींतल्यान कोंकणी मळाचेर खाशेली सुवात निर्माण करपी नामनेचे साहित्यीक अना म्हांबरो हांच्या मरणाचेर कोंकणी भाशा मंडळान दुख्ख उक्तायलां.

अना म्हांबरो हांचें कोंकणी साहित्याक व्हड योगदान आसा. आपली खुसखुशींत शैली आनी ल्हवूच चिमटो काडपी साहित्यांतल्यान तांणी वाचकांच्या काळजांत खाशेलो जागो केला.

गोंय आनी गोंयकारांच्या सभावाचो खोलायेन अभ्यास करून आपल्या विनोदी शैलींतल्यान ताचें चित्रण कागदाचेर मांडपी हो आगळो वेगळो लेखक आशिल्लो अशें उजवाडायिल्ल्या पत्रकांत म्हणलां.

1985 वर्सा तांच्या 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' ह्या पुस्तकाक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जालो. तांकां हेर जायते पुरस्कार फावो जाल्ले. 'प्रसादा फूल', 'कोंबो गेलो तारवार' अशीं जायती एका परस एक पुस्तकां बरोवन तांणी कोंकणी साहित्यांत दर्जेदार साहित्याचें योगदान दिलें. 'गोंयची अस्मिताय' ह्या पुस्तकांतल्यान तांणी गोंयच्या कांय पारंपारीक वेवसायांचेर आपले आगळे वेगळे शैलीन टिपण्णी केल्या अशें पत्रकांत म्हणलां.

प्रसिद्धीच्या झोतान रावनासतना, गोंया पसून पयस मुंबय रावन लेगीत ते नित्यनेमान बरयत रावले. तांच्या मरणान कोंकणीचो एक निश्ठावंत सेवक ना जाला अशें कोंकणी भाशा मंडळान उडवाडायिल्ल्या प्रसिद्धी पत्रकांत म्हणलां.

## गोंय कला अकादमी

नामनेचे कोंकणी साहित्यीक अना म्हांबरो हांच्या मरणाचेर गोंय कला अकादमीन दुख्ख उक्तायलां.


कोंकणी साहित्यांत खूब लेखन केल्लें आनी स्वताची अशी वेगळी शैली आशिल्ले अना म्हांबरो हांकां केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार तांच्या 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' ह्या पुस्तका खातीर फावो जाल्लो. ते भायर कला अकादमीच्या पयल्या साहित्य पुरस्काराचे ते मानकारी आशिल्ले. हो पुरस्कार तांकां 'घुमचे कटर घूम' ह्या बाल वाङमया खातीर 1973-74 वर्सा दिल्लो. होच पुरस्कार तांकां परत एकदां 1980- 81वर्सा तांच्या 'गोंयची अस्मिताय' ह्या लघू निबंदां खातीर भेटयलो. 'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा' ह्या कोंकणी भाशा मंडळान उजवाडायिल्ल्या पुस्तकाचें संपादनूय तांणी केल्लें. मुंबय सावन उजवाडाक येवपी 'कोंकणी' हे पंद्रशेचें तांणी संपादन केल्लें. रेडियोचेर नाटकां, बालकविता, कथा, ललीत हे साहित्य प्रकार तांणी हाताळ्ळे. तांचो खरो पिंड आसलो तो एका उत्कृश्ठ पत्रकाराचो हाची जाणीव खूब थोड्या जाणांक आसतली अशें कला अकादमीचे अध्यक्ष विष्णू वाघ हांणी उजवाडायिल्ल्या पत्रकांत म्हणलां.

असो हो भोवआयामी साहित्यीक आमचे मदल्यान गेल्ल्यान कोंकणी साहित्याचें लुकसाण जालां अश्या उतरांनी श्री वाघ हांणी आपलें दुख्ख उक्तायलां.

# कोंकणी साहित्यीक अना म्हांबरो अंतरले

प्रतिनिधी, पणजी

कोंकणीचे म्हालगडे, विनोदी साहित्यीक अरविंद नारायण उर्फ अना म्हांबरो काल संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 75 वर्सांची आसली. मुंबयच्या सुश्रुषा हॉस्पिटलांत तांकां काल सकाळीं मरण आयलें. फाटलो कांय तेंप तांचेर उपचार चलताले. तांचे फाटल्यान पूत गौतम आसा. काल तांचे कुडीचेर मुंबयंत निमणे संस्कार जाले.



अनाबाबाक 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' ह्या विनोदी लेखझेल्या खातीर 1986 वर्सा साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाल्लो. गोवा कोंकणी अकादेमी, कला अकादमीचे पुरस्कार तांकां फावो जाल्यात.

'गोंयची अस्मिताय' तशेंच 'कोंबों गेलो तारवार' हीं तांचीं गाजिल्लीं हेर पुस्तकां. विनोदी कोंकणी साहित्याक अना म्हांबरो हांणी एक वेगळें परिमाण मेळोवन दिलां. 'घुमचें कटर घुम' हें तांचें पयलें पुस्तक. 'प्रसादा फूल' आनी 'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा' हें तांणी संपादीत केल्ले झेले.

'गजालींचें नाटक' हो तांचो आयनेस्कोच्या फ्रेन्च नाटकाचो कोंकणी अणकार. 'जेआरडी टाटा - लेटर्स' हें तांणी संकलीत केल्लें इंग्लिश पुस्तकूय लोकप्रीय जालां. ते टाटा इकॉनॉमिक कन्सल्टंसी सर्व्हिसीस हांगा सल्लागार म्हूण काम करताले. 1990 सावन ते टाटा सेंट्रल आर्काव्हायज हांगा अधिकारी म्हूण काम करताले.

अना म्हांबरो हांणी मुंबय आकाशवाणीचेर स्टाफ आर्टिस्ट म्हूण 1953 ते 1955 मेरेन काम केल्लें. थंय तांणी आकाशवाणी खातीर नाटकुलीं आनी हेर साहित्याचें योगदान दिलां. तशेंच तांणी कोंकणी वृत्तनिवेदनूय केलां. उपरांत कीर्ती कॉलेजींत ते दोन वर्सां प्रोफेसर आशिल्ले.

कोंकणी भाशा आनी साहित्य चळवळींत तांणी त्या काळांत मुंबयंत उपाट सेवा आनी संघटन कार्य केलां. तांच्या मरणाचेर साबार कोंकणी साहित्यिकांनी दुख्ख उक्तायलां.

# परिशिश्ट 4: अ.ना.च्या साहित्याचेर हेर साहित्यीकांचे विचार

A History of Konkani Literature 195

of her husband.

Ana Mhambro is inimitable in his tongue-in-cheek humour, and in his seemingly carefree delineation of human character and above all, in his knowledge of the socio-politico-cultural life of Goa. Mhambro lives in Bombay and occasionally visits Goa to replenish himself with impressions and observations for his stories and articles.

*डॉ. मनोहरराय सरदेसाय*

## अकादेमीचे वतीन...

गोवा कोंकणी अकादेमीन, दर एका साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतिवंताचें एक पुस्तक उजवाडाक हाडपाचो निर्णय घेतलो. त्या निर्णयाक धरून नामनेचे लेखक श्री. अना म्हांबरो हांचें एक ललित लेखांचें पुस्तक छापपाचें थारलें. अना म्हांबरो हाणी बरयिल्ले आनी वेगवेगळ्या नेमाळ्यांनी उजवाडाक आयिल्ले सुमार तिशेक लेख एकठांय केले. हातुंतले वेंचीक अठरा ललित लेख 'कोंबो गेलो तारवार' ह्या माथाळ्याखाला उजवाडाक येता. अशीं पुस्तकां मर्यादित पानां भितर उजवाडायिल्ल्यान पाठ्यपुस्तकां म्हण ताचो विचार जाता असो अणभव आयिल्ल्यान पुस्तकांचीं पानां मर्यादित दवरल्यांत. ह्या पुस्तकाच्या संकलनाच्या वावरांत श्री. माधव बोरकार आनी श्री. महाबळेश्वर सैल हाणी अकादेमीक मोलाची मदत केल्या.

ललित स्वरूपाच्या एकूण सतरा लेखां वांगडा 'कथांची कथा' हो अठरावो लेख ह्या संग्रहांत आसपावन घेतला. ह्या लेखांत लेखक आपल्या आयजवेर बरयिल्ल्या कथांचे प्रक्रियेविशीं सांगता. अर्थांत ह्या लेखांत उल्लेख जाल्ल्यो सगळ्योच कथा वो ललित लेख ह्या पुस्तकांत आसपावन घेवंक ना हें वाचप्यांनी मतिंत धरचें.

अनाबाबांच्या ह्या ललित लेखांनी तांगेल्या लेखनाचीं सगळीं गुणवैशिश्ट्यां खचाखच भरून आसात. विनोद, उपरोध, मिस्किलपणां, नोस्तालजिया ह्यो सगळ्यो गजाली तातूंत येतात.

अनाबाबाच्याच उतरांनी सांगपाचें जाल्यार ''वाचप्यांक हांसतां हांसतां येवजूंक लावप हें कथांचें काम.''

'कोंबो गेलो तारवार' वाचप्यांक रूचतलो अशी आस्त आसा.

पुंडलीक नायक
अध्यक्ष
गोवा कोंकणी अकादेमी

## रुचीक कवनांचो हो झेलो.....

CORPORATION BA

श्री. अ. ना. म्हांबरो हांणी रचिल्ल्या म्होंवाळ कवनांचें हें पुस्तक भुरग्यांच्या हातांत दितना आमकां खूब खोस जाता. ह्या पुस्तकांतलीं ल्हान–ल्हान आनी गोड–गोड कवनां वाचतना भुरग्यांक खातकुतल्यो जालेबगर रावच्यो नात.

श्री. अ. ना. म्हांबरो हांची लिखणी इतिहास बरयतना जितली पर्जळटा, तितलीच मनीस–सबावाच्यो बारीकसाणी चितारतना पर्मळटा. भुरग्यांखातीर बरयतना तर तांचे लिखणेक पांखां फुटून ती आपल्या वांगडा भुरग्यांक अेका वेगळयाच आनी अप्रुपांच्या संवसारांत भोंवडावन हाडटा. भुरग्यांच्या मनाचो बारीक अभ्यास करून तांचे रुचीक किर्ते मानवता तें तांणी पारखिलां आनी देखुनूच तांचीं हीं कवनां सादीं पुण सुरबूस जाल्यांत.

हीं कवनां आदीं 'कोंकणी' ह्या पंद्रशी नेमाळयांत उजवाडा आयिल्लीं. श्री. परब हांणी काडिल्ल्या सोबीत चित्रांची जोड दिवन तीं ह्या पुस्तकांत गुथल्यांत. हीं सोबीत चित्रां आनी हांसोवपी कवनां भुरग्यांक ओड लायतलीं आनी तीं जिबेर घोळयतां–घोळयतां तांकां आनीक वाचपाची रूच लागतली हातूंत आमकां अिल्लोय दुबाव ना.

पणज, २५–९–१९६४.

अुजवाडावपी

अरविंद नारायण म्हांबरो हांकां कोंकणी साहित्याच्या मळार अना म्हांबरो म्हण वळखतात. तांचो जल्म 4 आक्टोबर 1938 वर्सा, गोंयच्या तिसवाडी म्हालांतल्या रायबंदर गांवांत जालो. ताचें शिकप गोंय, बेळगांव आनी मुंबय हांगासर जालें. तत्वज्ञान विशय घेवन ताणी एम.ए.ची पदवी जोडली. आर्काव्हायचें प्रशिक्षण लंडन आनी नवी दिल्ली हांगासर घेतलें.

1963 ते 65 या काळात आकाशवाणी मुंबयचेर स्टाफ आर्टिस्ट म्हणून जाल्यार 1965 ते 67 काळांत किर्ति कॉलेजांत व्याख्याता म्हण काम केलें. 1967 ते 70 काळांत फ्रिलान्सिंग केलें. 1970 ते 87 ह्या काळांत टाटा कन्सल्टन्सी सर्विसिस हातूंत वेगवेगळ्या हुद्यांचेर काम केलें. 1987 ते 90 ह्या काळांत जे. आर. डी. टाटाच्या चरित्राचेर संशोधक म्हण वावर केलो. थंय सावन निवृत्त जातकूच जे. आर. डी. टाटांच्या पत्रांचें संपादन केलें. अना म्हांबरो हाणी बालसाहित्य, ललित लेख, कथा, नाटक आदि साहित्याचे विविध प्रकार केळयल्यात. 'घुमचे कटर् घुम्ऽऽ' हें तांगेलें बालसाहित्याचें जाल्यार 'गोंयची अस्मिताय' हें ललित लेखांचे पुस्तक उजवाडाक आयलां. 'गजालींचे नाटक' हें अणकारीत नाटकाचें पुस्तक प्रकाशित जालां. तांगेल्या 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' ह्या कथासंग्रहाक 1987 वर्साचो केंद्रिय साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार लाबला.

'कोंबो गेलो तारवार' हें पुस्तक तांगेल्या आयजवेर पुस्तक रूपान उजवाडाक येवंक नाशिल्ल्या वेंचीक ललित लेखांचें संकलन आसा.

**गोवा कोंकणी अकादेमी**

# अनाच्या 'गजालीं' वेल्यान

—श्रीपाद रघुनाथ सा

राजेंद्र देशप्रभू 'कुळागरा'चो अंक हातांत आयल्याबराबर सगळ्यांत पयलीं अना म्हांबऱ्याच्यो गजाली वाचतात. हांवय तेंच करतां. आमकां गोंयकारांक फकाणी मनीस सदांच घोस्ताक वेता. अनाभशेन आमकांय फकाणां मारूंक येवचीं अशें म्हाका सदांच दिसता. पुण म्हाका तें केन्नाच जमना. अनाच्या गजालींनी लोकांच्यो कळयो खुलतात. आमच्या गजालींनी त्यो बावतात ! भंगू तें !

अनाच्यो गजाली वाचतासतना म्हाका 'किंग लिअरा'च्या विदुषकाची याद जाता ! तो हांसत हांसत पिशेपणां पांगरून राजाक तत्वज्ञान शिकयता ! अनाबाबान मुंबै विद्यापिठांत तत्वज्ञानाचेर पदव्यो घेतल्यात. मे १९८५ च्या कुळागरांत अनाबाब कोंकणी लेखक संमेलन ह्या मथळ्याखाला कोंकणी साहित्यासंबंदान कांय बुनयादी प्रस्न विचारतात.

कोंकणीची चळवळ कशी चल्ल्या ? हिंदू गोंयकार आनी किस्तांव गोंयकार हांचें साहित्य, त्या भायर गोंयांभायल्या कोंकणी बरप्यांचें साहित्य हांचेंमदीं सारकाय आनी विगडाय कितली उरता? कोंकणीं साहित्य कितले लोक वाचतात ? कोश, व्याकरण बी रचतात तें सगळ्या कोंकण्याक सारकें उपकारा पडता ? कोंकणी चळवळीक लागून कोंकणी लोकांमदीं आपलेपणाची भावना वाडटा कीं ना ?

अनाबाबांचे हे प्रस्न बुनयादी आनी प्रत्येक कोंकण्यान सखोल येवजूंक जाय अशें आसात. १९३५–३७ सालांत हांव गोमंतक छापखान्यांत कंपोजिटर आशिल्लों. नवें गोंय हें तिम्हैनाळे आनी पुण्यात्मो राम कामती ह्या पुस्तकांचें मुद्रण चालू आशिल्लें. रामनाथबाब मुरकुंडी हे काळबादेवीक झंडू फार्मास्युटिकल्सची एजन्सी घेवन वखदांचो वेपारधंदो करताले. शणै गोंयबाब आनी काशिनाथबाब नायक हांचे ते मित्र आसले. केन्नाय गोमंतक छापखान्यांत येवन मुरकुंडी शणै गोंयबाब आनी काशिनाथबाबांक कोंकणी भाशेविशीं प्रस्न विचारताले. अना म्हांबरो विचारतात तेच प्रस्न

मुरकुंडी हांसत हांसत विचारताले ! शणै गोंबाब
आनी संवकळीचे. ते हांसत हांसत हे प्रस्न अकता
दिवपाचें टाळताले ! काशिनाथबाब एकले ग़मत
तांकां हेच प्रस्न विचारताले. काशिनाथबाब: च
हांव कंपोजिटर भितल्ले कुडींतल्यान हें कितें चताले

अनाबाबाचो सगळ्यांत चड मोलाचो
कोंकणी कोश, व्याकरणां बी कोण वाचतात
गोंयांत उजवाडायल्लीं साठ कोंकणी पुस्तकां पण
आयलीं. तीं कोण वाचतले ? आनीक एक
म्हळ्यार हीं साठ पुस्तकां तीस उजवाड वप्यांनं उज
गोंयांत पन्नात कोंकणी पुस्तकां उजवाडावपी संस आ
अनाबाब जाणातच आसतले. त्याभायर गोंयाभार
पुस्तकांचें प्रकाशन आनी बरप. हें एदें वजें मूटर
तोलता ?

हीं पुस्तकां कोण वाचतले म्हणून अनाबा वि
गोंयबाबांचे बरपावळीच्या पंचवीस पुस्तकांत
आवृत्ती सोंपिल्ल्यान बाजारांत विकतीं मेळनात
'सड्यावेल्या फुला'ची दुसरी आवृत्ती छापून
पनिषद् पैलें खंड दुसरे आवृत्तेंत छापलां. गोम
बाजारांत मेळना. डॉ. कत्रेच्या Formatio of
ह्या पुस्तकाची दुसरी आवृत्ती छापची पडली. म
कोंकणी पुर्तुगेज कोश १८९३ सालांत मुंबैच्या इंदुका
छापिल्लो तेन्ना ताजी किमत पावणेतीन रुपय
मार्तिरिसाक ह्या कोशाची एक वळटी लागि
रुपयांक मेळ्ळी. म्हाका ह्या कोशाची वाळटेन खळी
१९७८ सालांत तीस रुपयांक मेळ्ळी. ह्या कोश
परत जुळोवप खूब त्रासाचें ! म्हणून दिल्लींत एशिन
सर्विसेस हे संस्थेन दाल्गादाचे कोंकणो–पुर्तुगेज आ पु
शब्दकोश परतून ऑफसेट मशीनचेर छापले. तां
पुस्तकाची किमत १९० रुपया दवल्ल्या. दी



CS Scanned with CamScanner

ा आनी इंग्लिश–कोंकणी हे दोनय शब्दकोश तेच दिल्लीक ऑफसेट प्रोसेसान छापून एकच पुस्तक तें पुस्तक १६५ रुपयांक लोक विकतें घेतात हीं वाचतात काय ना ? सीताराम प्रकाशनाच्या कोंकणी ान खंड केरळ सावन पंजाब ( अमृतसर विद्यापीठ ) नालयांनी पावल्यात आनी अमेरिकेंतय पावल्यात. काय ना ? दाल्गादान कोंकणी भाशा शास्त्राचेर ां बरयलीं. आज बाजारांत तीं विकतीं मेळनात !

ल रिसर्च इन्स्टिटयूट, बडोदा हे संस्थेन वाल्मिकी संशोधीत आवृत्ती काडली. ताची निमाणी प्रत प्रकाशनान १९७९ सालांत ३२५ रुपयांक विकती त्या पुस्तकाचे सात खंड बाजारांत विकते मेळनात. रामायण वर्साक एक फावट वाचतां. भांडारकर र्च इन्स्टिटयूट, पुणे, हे संस्थेचें महाभारत बाजारांत कोंकणी भाशेंत समश्लोकी भगवद्गीतेचीं पांच पुस्तकां ीत आसात. त्या भायर भगवद्गीतेचीं आनीक पांच-स कणींत देवनागरींत आसात. हांतूंतलें अेक कुडाली श्लोकी आसा आनी अेक कोचीनचे कोंकणी मोडींत सा. शणै गोंयबाबाचें श्रीभगवंतालें गीत बाज.रांत !

सुरेश रामचंद्र पै., श्री. प्रो. सुरेशबाब बोरकार आनी गिश हांचीं व्याकरणां देवनागरी लिपींत आयली. देवराय, प्रो. आर. के. राव आनी प्रो. सुरेश इंग्लिशींतल्यान आनी हिंदींतल्यान कोंकणी भास र पुस्तकां रचलीं. शणै गोंयबाब आनी बाकीबाब ी भुरग्यांखातीर कोंकणी भाशेचें व्याकरण बरोवंक कांय भाग उजवाडायले. हांगा म्हाका एका विद्वान ची याद जाता. हो बरपी शणै गोंयबाबांनी कोंकणी रण रचलें अशें पोरूं वर्सा ' कुळागर ' म्हैनाळयांत ीची व्याकरणी बांदावळ हें कोंकणी भाशेच्या पुस्तक न्हय, हें त्या विद्वानाच्या अजून लक्षांत वचूंक न्हय ? कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ हें पुस्तक गोंयबाबांच्या ' येवकार अध्यक्षाचें उलोवप, ' ह्या भाग जावन आसा. आसूं तें !

ब, आमी कोंकणे म्हळ्यार गोंयासारको सुपुल्लो ार जंय थंय मायनॉरिटीच्या वर्गांत पडटात. गोंयांत भाशेंत वाचपी आनी बरोवपी ही अेक मायनॉरिटी ! ा वर्गाक वयर सरूंक कितलें रगत आनी घाम ा हाची आमकां अजून जाण जावंक ना ! तरीय सुदैवी समजूंक जाय, कीं आमचे भितर जायते जाण ी वावर सतत करीत आसतात ! पुर्तुगालसावन र्जीव आयलो आनी ताणें अेका गोंयकार ' भाटकाराचे ग्णांव केल्लें तेन्ना ताका तांतूंत मेळिल्ल्या जिनसांची

अेक व्हड यादी अनाबाबांनी ' गोंयचे अस्मितायेंत ' दिली. आतां कोंकणी भाशेच्या कांय वावराड्यांचें अशेंच ओपेरासांव करचें पडलें, तर त्या सुजीवांक भितर कोंकणी भाशेचे येवजणेवगर दुसरें कांय मेळचें ना !

अनाबाब मुंबैंसावन कोंकणी लेखक संमेलनांत उपस्थीत आशिल्ल्यांक घोरायतात. अनाबाबांनीं संमेलनाक येवंचें म्हणून संमेलन मुद्दाम माया म्हयन्यांत दवरिल्लें. खुबशे मुंबैंकार संमेलनाक येतले अशी आशा आशिल्ली. चंद्रकांत केणी आनी दत्ताबाब नायक हांचेमदीं जाल्ल्या वादांत अनाबाबांक उलोवपाक खूब आस्पाव आशिल्लो.

अव्वल इंग्रजींत हिंदुस्थानांतल्या आधुनीक भासांभितर बरप जांवक लागलें तेन्ना मराठी भाशी लोक अशेच संस्थानांनीं आनी मुंबै इलाखो, सेंट्रल प्रॉव्हिन्स, हैदराबाद बी पैंस पैंस शिपडिल्लें. दोन कोटी मराठी आशिल्ले आनी तांचेभितर अस्मिताय खतखतताली. बुद्धीक वाण नाशिल्ली जायते अतिरथी महारथी बरपी आशिल्ले. चितक आशिल्ले. त्यागी आशिल्ले. मुंबै सरकारान छापून घेतिल्ल्या ' महाराष्ट्र भाषेचा कोश ' ह्या मराठी शब्दकोशाच्या एक हजार आनी सोळा प्रती छापिल्ल्यो. क्रावन चौथायेच्या आकाराच्या २००० पानांचो सुमार आठ्ठीस हजार उतरांच्या अर्थांचो हो कोश, दाट हॅंडमेड कागदाचेर लिथोप्रेस मुद्रणतंत्रान हस्त-लिखीतच छापून काडिल्लो. टायप वापरूंक नाशिल्लो. तीन भागांच्या ह्या कोशाचें मोल तेन्ना णव्वद रुपया दवरिल्लें. इतल्या म्हारग दरान तो कोश १८३०-४० दसकांत खपना जालो, म्हणून ताचें मोल पैंसट रुपयांचेर देवंयले. तरीय तो खपना जालो. म्हणून पन्नास रुपयांचेर हाडलें. तर य खपना जालो म्हणून बीस रुपयांचेर हाडलें. इतलें करुनय उरिल्ल्यो प्रती वाळटेन तोकायल्यो ; म्हुणून हुसेनखान महमद रद्दीवाल्यान धा रुपयांच्या दरान तीं पुस्तकां मुंबै सरकाराकडे विकतीं मागलीं. सरकारान ती पावणी रद्द केली (कृ. भि. कुलकर्णी, आधुनिक मराठी गद्याची उत्क्रांति, पृष्ठ १२५) ह्या कोशाची एक प्रत म्हज्या होलमाक आसा म्हणून हांव हें बरोंवक शकतां.

हाचे उप्रांत मराठी भाशेचे १८७० सावन, माधव चंद्रोबाचो शब्दरत्नाकर, गोडबोलेचो हंसकोश आनी मराठी भाषेचा नवीन कोश, बापट–आपटेचो शुद्ध मराठी कोश (१८९[illegible]), वा. गो. आपटेचो शब्द रत्नाकर ( १९२२ ), भिडेचो सरस्वती कोश (१९३०) आनी निमाणो म्हळ्यार दाते समितीचो सातखंडी महा-राष्ट्र शब्दकोश (१९३[illegible]), अशे स शब्दकोश जाले. दातेच्या कोशाची सुधारूक नाशिल्ली आवृत्ती आदर्श मराठी शब्दकोश डॉ. प्रल्हाद जोशीन १९७० त काडली आनी ताचो दुसरी आवृत्ती छापून १५० रुपयांक विकतात. आज बाजारांत मराठी भाशेचो अद्यावत संपूर्ण कोश विकतो मेळना हें खबरीक तीस वर्सां जालीं. महाराष्ट्र सरकाराचें साहित्य संस्कृती मंडळ विश्वकोश रचता; आनी व्हिनस प्रकाशन, पुणें १९८० सालासावन डॉ. दत्तात्रय अग्निहोत्रींचो अभिनव मराठी-मराठी कोश छापीत आसा.



CS Scanned with CamScanner

हेर भासांच्या शब्दकोशांच्यो खबरी उणे अदीक ह्याच मापाच्यो मेळटल्यो. कर्णाटक सरकारान सुमार अठ्ठेचाळीस लाख रुपयांचे अनुदान दिवन शब्दकोशाच्या वावराक उत्तेजन दिलां. हो अपवाद !

चौग जाण कोंकणी शब्दकोश स्वतंत्रपणान रचतात. कित्याक जाय इतले ? एक पुरो. अशें म्हणपी लोक मेळटात ते नकळत; चार न्हय, चौदा जाणांनी कोश रचचे. कितले कोश जातीत तितले थोडे ! तीन कोंकणी व्याकरणां जालीं. आनीक तीन जाय. ललित वाङ्मय एका वर्सांत गोंयां साठ कोंकणी पुस्तकां उजवाडाक आयलीं. मराठी पुस्तकां १९८४ वर्सा गोंयांत १२ छापलीं. इंग्लिश पुस्तकां धा ज.लीं. एक पुर्तुगेज पुस्तक छापलें.

१८१८ सालांत पेशवाय सोंपून मुंबै इलाखोभर ब्रिटिश सरकार प्रस्थापीत जालें. १८६७ सालामेरेन मुंबै इलाख्यांत चाळीस छापखाने चलताले. १८१८ ते १८२७ मेरेन मराठी भाशेंत ३ पुस्तकां प्रसिद्ध जालीं. १८२८ ते ३७ मेरेन १० पुस्तकां उजवाडाक आयलीं. ३७ ते ४६ मेरेन ३० पुस्तकां भायर सल्लीं. ४७ ते ५७ मेरेन शंभर पुस्तकां प्रसिद्ध जालीं. १८६७ त न्यायमूर्ति रानडेन शेरो माल्लो, कीं मराठी वाङ्मय भ्रमपुष्ट आनी पोरकट आहे. १८९४ सालामेरेन ११६० मराठी पुस्तकां उजवाडाक आइल्लीं. तांतूंत सर्वानुमतें ६० पुस्तकां उत्तम आसलीं. बाकीचीं किरकोळ ! म्हणटकीर मराठी भास विद्यापिठांत कित्याक शिकोवंची न्हय ? ही मराठी विद्वानांची मागणी फुडें सरिल्ली.

हिंदी खडी बोलींत पुस्तकां बरोवंक १८४८ सालांत सुरवात जाल्ली. त्याच वर्सा गोंयांत हडफडच्या एका कोडयाळच्या पाद्रीन इंग्लिश शाळा गोंयांत पयली वयलीच उगडली !

अनाबाब विचारतात कोंकणी भाशेंतल्या साहित्याक कस खंयचो लांवचो ? संमेलनांत चंद्रकांतबाब केणी हाणी शेरो माल्लो, कीं कोंकणी लघुकथेंन आपलो पांवडो न्हगडायलो. इतल्यान दत्ताबाब नायकाक राग आयलो. ते म्हणटात, " केणी आमचें कथाकाराचें खच्चीकरण करतात. " ह्या अ.क्ताक म्हाका अनाबाबाची याद जाली. ते आपली बुद्द वापरून दत्ताबाबाक केणयांचो मुद्दो पटोवन दितले आसले. ह्याफुडें कशेंय करून अनाबाबांनीं साहित्य संमेलन.क उपस्थित रांवचेंच !

अनाबाब विचारतात, कोंकणी भाशीक चळवळीक लागून कोंकणी लोकांक ' आमी एकामेकांचे भाव ' अशें दिसपाक उत्तेजन मेळटा ? हय. असल्या मुद्याचो निर्णय घेवपाक पांच पंचवीस वर्सांची चळवळ पावना. शंबर एक वर्सां वचूंक जाय. म्हणटकीर मागीर अ.मी दलीत कोंकणी आनी दलितेतर कोंकणी हे यत्तेंत पावतले !

कसलेय चळवळींत बरें आनी वायट अशें सगळें भरसत वता. ह्या नेमाक कोंकणीची चळवळ आडवाद ना. पंचवीस वर्सांत आमी खुबशें मेळयलां. अशेंच वावर करीत रावूंक जाय. निराशेक जागो ना. एक मुद्दो म्हत्वाचो. आमच्या बरप्यांनीं संस्कृत, इंग्लिश, बंगाली,



मराठी, कानडी, हिंदी उत्कृष्ट वाङ्मय वाचचें.
जावन आपली कला पोसुंची. निखटे बी. ए., एम्.
कोंकणी कविता आनी कथा बरोवंक लागले तर ए
एक पुंडलीक नायक फुडें सरतले. एक मनोहरराय अ
बाब नांव काडटले. बाकीच्यांक रवींद्रबाब अ.नी चंद्र
दिसरात कडून वावुरल्याबगर साहित्य जायना.

कांय वर्सांफाटीं १९३७–४० सालांत. ब
दामोदरबाब कारे हे मडगांवां पैन्यान एकामेकां
आपणे गेल्ल्या कांय दिसांत कितें कितें वाचलें ताची
हें वाचप मराठी, इंग्लिश, पुर्तुगेज, बंगाली भासांनी
आमचे साहित्यीक ( रविंद्रबाब आनी मनोहरराय स
कसलें साहित्य वाचतात ? आमचे कितले सा
वाचतात ? एकुणिसाव्या शेंकडयांत मराठी प्रोफेसरां
गोडबोले, महादेवराव कोल्हटकर, वा. रा. केळकर
अण्णासायब किर्लोस्कर, आगरकर हाणी संस्कृत
नाटकांचीं कितलिशीच भाशांतरां केल्लीं आनी ती
जालीं ह्या विषयाचेर आजून चर्चा करतात.

कोंकणी बरपी वाचपी हेर भासांतल्या ब
थोडे ! आमी उसरां माचयेर चडल्यात. म्हणून
आनी घाम गाळूंक जाय ! खरें मूं अनाबाब ? तुमक
सांगचे आसा ?

म्हाका अनाबाबांक सुचयनशें दिसता कीं त
राच्या कांय नाटकांची रुपांतरां कोंकणीत करचीं.
म्हणून येवजुंचें न्हय. वाचतलो कोण म्हणून ये
जाल्यार आगरकराकडल्यान हॅम्लेटचे विकारविलसीत
कडल्यान टेमिंग ऑफ द श्रू वेल्यान चौदावें र
महादेव कोल्हटकर आनी देवलाकडल्यान ओथेल्ल
जातलीं नासलीं ! मराठी लोकांक ' हें चित्र पहा अ
पहा ' अशी ओपार मारपाची संवय लागतली नासलं

आमी शणै गोंयबाबांक तोखेतात, काशिनाथब
तारीफ करतात. बाकीबाबाक मानतात. ताणी
शिकयलें ? तांचेसारको वावर आमी करतले काय न
ओलिविज्य गॉमिश शांकुतल आनी मेघदुताचें रुपांतर
बाबांनी बर्ट्रांड रसेलाचें तत्वज्ञान कोंकणींत कित्य
न्हय ? अनाबाब बर्ट्रांड रसेलाचे रीण लागतात काय

CS Scanned with CamScanner

# परिशिश्ट 5: वेंचीक साहित्याचेर अ.ना.चे विचार

## दोन उतरां

अजेन अियानेस्को हांच्या LA CANTATRICE CHAUVE ह्या मूळ फ्रेन्च नाटकाचो डॉनल्ड अॅलन हांणी THE BALD SOPRANO म्हूण अणकार केला. ताचेर हें नाटकुलें आधारलां. मूळ सवंगांनी थोडोसो आनी संवादांनी खुबसो बदल केला.

म्हत्वाची गजाल म्हळचार ह्या नाटकुल्यांत लोकभासमाला ( पयलें आनी दुसरें पुस्तक ) हांतले कांय वांटे घेतल्यात. तशेंच शणै गोंयबाब, बाकीबाब बोरकार, मनोहर सरदेसाय; आनो र. वि. पंडित, हांच्या साहित्याचो अुपेग केला.

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय आनी ह्या बरप्यांचो हांव रिण-कारी आसां. कुळागर प्रकाशनाचेय उपकार मानतां.

– अना म्हांबरो

## दोन अुतरां

कथा म्हळचार अेकेतरेची गजाल.

कितेंय घडलें म्हणटकूच ताची आमी गजाल सांगतांत. कथेचेंय तशेंच आसता. फक्कत गजाल ही आदीं घाडिल्ली आसता आनी अुपरांत ती घडल्या तशी सांगपाची आसता जाल्यार कथा ही घडिल्ली नासता तर ती घडोवन सांगची पडटा. घडिल्ले गजालीचेर आधारिल्ली कथा आसल्यारूय सांगतल्याक ती वेवस्थीत सांगची पडटा, मांडची पडटा. गजालीक अेक सांगपी म्हणून लागता आनी अेक आयकुपी म्हणून लागता. अुण्यांत अुणे हे दोन मनीस तरी जायूच. केन्नाकेन्नाय गजाल सांगपी मनीस अेकलो आसता जाल्यार आयकुपी खूब असतात. सांगपी आनी आयकुपी गजालीक लागतात तशे कथेकूय लागतात.

आदल्या काळार कथेक काणी म्हण्टाले. ह्यो काणयो सांगपी आनी आयकुपीं अेकमारके बदलताले. पुण तांचे भितर त्योच त्योच काणयो घोळटाल्यो. असल्या काणयांक– म्हळचार लोकांनी लोकांक सांगिल्ल्या काणयांक लोकां–काणयो वा लोककथा म्हण्टात.

बरप जल्माक येनाफुडें लोकांनी ह्यो काणयो बरोवन काडल्यो. अुपरांत छापप आयलें आनी त्याबराबर पुस्तकांच्या रूपान ह्यो काणयो लोकांमुखांर आयल्यो. काणयो सांगपी फाटीं पडले आनी काणयो बरोवपी तयार जाले. त्याचबराबर त्योच त्योच काणयो रचपाचो काळ फाटीं पडलो आनी नव्यो नव्यो काणयो रचपाचो काळ सुरू जालो. असल्या नव्या काणयांक कथा हें नांव पडलें.

लोककथांची अेक धाटणी आसताली. त्यो सरळ अेके वळीन चलताल्यो. अमको अेक मनीस अमकेकडेन अेक दीस गेलो, दुसरे दीस गेलो, तिसरे दीस गेलो. पयले दीस ताका अमको मेळ्ळो, दुसरे दीस तमको मेळ्ळो, तिसरे दीस आनीक कोणसो मेळ्ळो... अशेतरेन ती फुडें वेताली. हाचें कारण, त्याकाळार काणी सांगपी मनशाक अेकेवटेन ती खूब लांबोवची पडटाली, दुसरेवटेन ताका आयकुप्याची अुमळशीक जागी दवरची पडटाली. केन्नाकेन्नाय ह्या काणयांक ‘ तात्पर्य ’

बी आसतालें ( हरदास आपल्या किर्तनांनी आनी पाद्री आपल्या शेर्मावांनी अजून असल्यो काणयो कथेंत आडकथा म्हण्टात तेभशेन सांगतात जावंये. )

काणयो पुस्तकरूपान लोकांमुखार येनाफुडें तांचें रूप पयलेच खेप बदल्लें. आदल्या काळावेलो ' सांगपी ' हो आतां ' बरपी ' जालो आनी ' आयकुपी ' हो ' वाचपी ' जालो. आदल्या काळार कांणी सांगपी सदां आयकुप्यांच्या दोळया-मुखार आसतालो. अेकूच काणी परथून परथून सांगली जाल्यारूय ती सांगताना ताच्यान ती जाय तशी फुलोवं येताली. काणी सांगपी जितलो फॉबॉइार तितली ताची काणी चड रंगताली.

काणयेची कथा जायनाबराबर सांगपी आनी आयकुपी– जे आतां बरपी आनी वाचपी जाल्ले– हांचें नातें बदल्लें. आदल्या काळार काणी सांगपी हो चड करून आयकुप्यांचे संवकळींतलो आसतालो. हाचे अुरफाटें, कथा–बरप्याक फक्कत आपल्या कथांच्या आधारान वाचप्यांमुखार वच्कें पडूंक लागलें. हाका-लागून ताची जापसालदारकी वाडली. आपली कथा लोकांक फुलोवन सांगपी कोण ना म्हणटकूच तीं हरशींव बऱ्यानबरी, कशी जातली हाचेकडेन ताका लक्ष दिवंचें पडूंक लागलें. हातुंतल्यानूच कथेचें तंत्र जल्माक आयलें.

अुपरांत कथा कशी आसूंक जाय, केदी आसूंक जाय, कित्याचेर आसूंक जाय, ती कशी बरोवंक जाय... असल्यो चर्चा सुरू जाल्यो. कथांनी घडणुको, मनशां, संवाद आसूंक जाय. कथाक विशय आसूंक जाय, कथानकां आसूंक जाय. आनी ह्या कथानकांनी बरप्यांनी आदी घुस्पागोंदळ करूंक जाय, अुपरांत तो सोडोवंक जाय आनी निमगेकडेन, वेळ पडल्यार, वाचप्यांक तांणी धक्को दिवंक जाय (' आरेच्या ! अशें कितें जातलें म्हणून हांवें धरूंकूच नासलें ! ' अशें कितेंशें तांणी काणयेचो शेवट वाचून मनांत म्हणूंक जाय) ... असली मत्ता साहित्यिक आनी साहित्याचो अभ्यास करपी लोक मांडूंक लागले. त्याचबराबर ' कथा म्हळ्यार कितें ? ' ह्याय प्रस्नाची जाप हे लोक सोदूंक लांगले.

हे फाटभुंयेचेर कथा आकार घेवंक लागली. कथा बरोवपाच्यो नव्यो नव्यो धाटण्यो आयल्यो. अेकलो आपलीं कथा लोककथेवरी जशी घडटां तशी बरोवंक लागलो, जाल्यार दुसरो ती फाटल्यांन फुडें फ्लॅशबॅक पद्धतीन सांगूंक लागलो. अेकलो ती चिटयांच्या आधारान अुबी करूंक लागलो, जाल्यार दुसरो ती अुगडा-सांच्या रुपान मांडूंक लागलो. अेकाद्रो कथाकार तिरायतावरी पैस अुबो रावून जें कितें घडटाना दिसता तें कथेंत सांगूंक लागलो, जाल्यार दुसरो अेकाद्रो सर्वसाक्षी परमेश्वराचें रूप घेवन वेगवेगळया वाठारांक आनी वेगवेगळया मनशांच्या मनांनी कितें चल्लां ताचीं वर्णनां करूंक लागलो. केन्नाकेन्नाय कथाकार कथेंतल्या अेका जावं वेगवेगळया सवंगाच्या नदरांतल्यान कथा अुबी करूंक लागलो. जाल्यार केन्नाकेन्नाय आपुणूच तांतले अेक सवंग जावन आपले नदरेंतल्यान तो कथा सांगूक लागलो.

Scanned with CamScanner

घटणा कशो मांडप, संवाद कशे घालप, मनशांचे सभाव कशे रंगोवप, कथा कोणाच्या तोंडांतल्यान सांगप, तिची मांडावळ कशी करप हाचेर सगले कथाकार सतत येवजूंक लागले. आनी अशेतरेन कथेच्या तंत्राच्या वेगवेगळ्या आंगांक म्हत्व आयलें.

संवसार बदलता तसो कथाकार आनी वाचपीय बदलूंक लागलो. वाचप्यांचो अणभव वाडटा तसतशो तागेल्यो कथेविशींच्यो अपेक्षा वाडूंक लागल्यो. आनी हे गजालीची कथाकारांक दखल घेवंची पडूंक लागली. मनशां, जागे हांचीं भायलीं वर्णनां उणीं जालीं आनी मनशांच्या मनांक, स्थळांच्या वातावरणाक म्हत्व आयलें. कथेचो नायक भाटकार काय अेंप्रेगाद हाचेपरस तो मनीस कसो, तशेंच कथा खंयच्या वाठाराक घडटा हाचेपरस तो वाठार कथेक फांस्की म्हणून कितलो उपेगी पडूं येता हाचेर कथाकार येवजूंक लागले. आनी त्याबराबर कथेचे धाटणेक स्टायलीक–म्हत्व आयलें. कथेच्या वातावरणाक–मुडाक-सोबशी कथेचीं धाटणी जाय म्हणपाची कथाकारांक जाण आयली.

भायलें जग बदलता तशें कथेंचे जगूय बदलूक लागले. मनशांबराबर हेर प्राणी, सैम आनी हेर गजालीय कथांचे विशय जावंक लागले. घरांतल्या प्रस्नांपसून अंतर राष्ट्रीय प्रस्नांमेरेन आनी कायद्यापसून कॉम्प्युटरामेरेन सगलेतरेचे विशय कथाकार हाताळूंक लागले. त्याचबराबर कथा वेगवेगळ्या साहित्यिक वाठारांनी–लेख, व्यक्तिचित्रां, लघुनिबंध, कविता, कादंबरी, नाटक आनी हेर–भितर सरूंक लागली. हाचेबराबर कथेचीं चडशीं बंधनां ना जालीं.

नवी कथा म्हण्टात ती कशीय बरोवं येता, तातूंत कितल्योय घटणा आसूं येतात, कितलीय मनशां आसूं येतात, तिच्यांतलो काळ कितलोय आसूं येता, आनी मुख्य म्हळयार तिचीं लांबाय कितलीय आसूं येंता.

आयच्या काळांत कथेची व्याख्या करूंक कोण वचना. कारण तीं तशी करूंक येना. कोणेतरी म्हळां की नवी कथा म्हळ्यार अेक जनेल. तातूंत वाचप्याक जिणेचें अेक बारीकशें रूप दिसूं येता. वेळ पडल्यार अेकाद्र्या कवितेचे वा चित्राचे जशे वेगवेगळे अर्थ लात्रं येतात तशेंच अेकाद्रे कथेचेय लावं येतात...

संवसारांतल्या खंयच्याय भाशेच्या अितिहासांत कथेची वाड साधारण अशेतरेन जाता. त्याचबराबर तातूंत वेगवेगळ्या वेळांचेर वेगवेगळे प्रवाह दिसूंक लागतात. सुरवातीक कथा ही मनशां-मनशांमदल्या संबंधांचेर आधारिल्ली आसता. तशीच पयलीं पयलीं ती शारांत वावूरता. उपरांत ती गांवांत वेता. सुर्वेक तातूंत खावन-जेवन सुखी मनीस येतात. उपरांत चिडुले-पिडिल्ले लोक दिसूंक लागतात. कथाकाराच्या व्यक्तिमत्वाक धरून कथा वेगवेगळीं रूपां घेता. देखून फुडें फुडें ती अिल्ली अॅब्स्ट्रॅक्ट जाता.

दुसरेवटेन कथेचें तंत्र आनी विशय हांचे बाबतींत कथाकार सतत नवेनवे

CS Scanned with CamScanner

प्रयोग करीत आसता. हाचे अेक कारण अशें की तेचतेच तरेच्यो कथा फुडेंफुडें वाचूं नज जातात. वाचपी अेकसारको कितेंतरी नवें सोदीत आसता आनी कथा-कार ताका तें दिवपाचो येत्न करीत आसता.

हें सगळें चालू आसतानाच अेकाद्रो साहित्यिक मदींच अुठून 'कथा मेली' म्हणून शंख मारता. आनी तितल्यांत अेक नवोच कथाकार साहित्याच्या मळबांत नखेत्रावरी येता आनी तो कथेचो तोंडवळोच बदलून अुडयता.

गोंयची कोंकणी कथा म्हळ्यार मायेमोगाची अेक गजाल.

हीं कथा सध्या भुरग्यांचे, तन्नाटयांचे, जाण्टयांचे मायेची खबर सांगता. हे कथेंत वाडटचावयावेल्या, लग्नापयल्या, लग्नाअुपरांतच्या, लग्नाभायल्या मोगाची गजाल आसता. सध्या ही कथा गांव-घर-कुटुंब हांचेभितर वावुरता. मनशां-मनशांभितल्ले संबंध बरे बारीकसाणेन विसकटावन दाखयता.

हाचें पयलीं असल्या कथांचो अेक झेलो– 'प्रसादाफुल–' १९७१ वर्सा अुजवाडा आयिल्लो. हो झेलो गोंयचे स्वतंत्रताये्च्या हुमऱ्यावेलो म्हणूं येता. कारण तातूंत १९५९-६९ ह्या काळांतल्यो कथा आयिल्ल्यो. त्या झेल्यांतली कथा जायासान बरी वाडिल्ली. पुण तिचो तोंडवळो वळखूंक येनासलो. कारण तांतले चडशे बरपी तेन्ना नवे आसले. तांतल्या ज्या कांयजाणांचीं नांवां ह्या संग्रहांत दिसतात ते आतां बरे तिजल्यात म्हणपाचे वाचप्यांक दिसून येतलें. (हांतल्या कांयजाणांचे १–२ संग्रहय आयिल्ले आसात).

'प्रसादाफुलां'तले जे कांय कथाकार ह्या संग्रहांत दिसनात ते अेकतर कांय बरयनात वा ते सध्या कथेच्या मळार वावरनात. पुण त्याचबराबर ह्या संग्रहांत कांय नवे कथाकारूय दिसतात. अितलेंच न्हय, जांणी गोंयचे नवे कोंकणी कथेचे बुन्यादींचे फातर बसयले अशे कांय कथाकारूय ह्या संग्रहांत आयल्यात. हाचें कारण अेकूच– ते अजून बरयतात आनी वाचपी तांचें बरप आवडीन घाचता.

गोंयचे सुटकेपसून १९७६ मेरेनच्यो कथा आमी ह्या संग्रहांत घेतल्यात. पुण हांतल्यो चडशो कथा फाटल्या ५–६ वर्सांतल्यो आसात.

खंयचीय कला खंय पयलीं सैमाक आनी जिणेक चित्रायता. हाकालागून साहित्यांतूय पयलीं पयलीं संवसारांत जे कितें घडटा ताचें जशाक तशें चित्र दिसता. देखुनूच ह्या संग्रहांतल्या कथानींय संवसारचित्रां अदीक प्रमाणांत दिसतलीं. अस्सल घरावें, प्रादेशीक वातावरण आनी जितीं जिवीं मनशां हीं ह्या कथांचीं मुखेल वैशिश्ठयां– कोस्त भाटकार, रेंदोर ज्याकी, तेरेजमाना, मस्मीचो कुलास, गोपाळ घांटी, मावशीबाय, शिरी, गोठलू, विठलो, शम्मू, गीतूल, जेरोन, आंबुल्ली शंभुलो हे सगळे मनीस गोंयच्या वाचप्यांक तरी सामके संवकळींतले दिसतले. तें कित्याक, ह्या कथांनी जे हेर प्राणी– माजरां, पारवे, पाली, बैलबी आयल्यात ते लेगीत अस्सल गोंयकार.

Scanned with CamScanner

हीं सगलीं मनशां आनी प्राणी रंगयताना आमी काळे आनी धवे रंग चड वापरतात. ताकालागून आमगेलीं हीं चित्रां बद्द फोटोवरीं दिसतात, चित्रां कशीं दिसनात. दुसरी गजाल म्हळयार कथानकांचो, प्लॉटांचो आमकां खूब सोस आसलेल्यान खूबशे फावट आमगेल्या कथांनी सनसनाटी गजाली येतात. आनी वाचप्यांच्या मनांचेर परिणाम करपाखातीर केन्नाकेन्नाय आमी पोन्ल्या तंत्रांचो वाफर करतात.

सामाजीक कथेचें अेक मळ घेतलें जाल्यार तातूंत नवे गोंयचे कोंकणी कथेन खूब्ब अुदरगत केल्या हांतूंत दुबाव ना. आनी हाकाच लागून आतां हे कथेची आनी पर्यायान आमगेल्या कथाकारांची जापसालदारकी वाडल्या. सध्याची कथा आसा त्याच भेसान खूब काळ वाचप्यांमुखार अुरत जाल्यार अेकाद्रो तांकां तिचो वाज येवपाची शक्यताय आसा. आमगेल्या वाचप्यांच्यो आवडी बदलत आसात आनी हे कथेचे वाचपी फक्कत गोंयांतूच नात तर गोंया-भायरूय आसात म्हणपाची आमगेल्या कथाकारांक हाचेफुडें दखल घेवंचीं पडटली.

ह्या फुडल्या कथाकारांक नवे विशय सोदुन काडून ते नवेतरेन आपल्या कथांनी मांडचे पडटले. तांगेल्या कथांतलीं वर्णनां अुणीं जातलीं आनी तांतल्या वातावरणांक अदीक म्हत्त्व येतलें. त्याचबराबर कथा बरोवपाच्यो नव्यो धाटण्योय चडकरून भाशेच्यो नव्यो मोडी ( styles ) आमकां हाचेफुडें पळोवंक मेळटल्यो. खेरीज आयची कथा पोन्नो समाज आनी पोन्नी मुल्यां हांकां घट्ट धरून राविल्ली दिसता. हाकालागून तातूंत स्वतंत्रताये अुपरांत गोंयच्या समाजांत जाल्ल्या बारीकसारीक बदलांचें पडबींब दिसून येना. आनी देखून केन्नाकेन्नाय ती समाजाच्या दोन पावलां फाटल्यान आसलेल्यावरी दिसता. हें तिगेलें रूप बदलून फायची कथा समाजाबराबर रावतली आनी वेळ पडल्यार चार पावला तांच्या मुखारूच चलतली...

**भना म्हांबरो**

Scanned with CamScanner